पुर्तुगेज अंमला सकयल्या गोंयच्यो लोककाणयो

Folk Tales From New Goa, India

डॉ. पांडुरंग फळदेसाय

पुर्तुगेज अंमला सकयल्या गोंयच्यो लोककाणयो

Folk Tales from New Goa (India)

संपादन :
सारा डेव्हिडसन आनी एल्यानोर फेल्प्स

अणकार :
डॉ. पांडुरंग फळदेसाय

सासाय पब्लिकेशन
पर्वरी-गोंय 403 521

पुर्तुगेज अंमला सकयल्या गोंयच्यो लोककाणयो
अणकार: डॉ. पांडुरंग फळदेसाय

Folk Tales from New Goa (India)
Translation: **Dr. Pandurang Phaldesai**

उजवाडावणी

सासाय पब्लिकेशन
पर्वरी गोंय 403521.

उजवाडावणी- जानेवारी 2021

अक्षरजुळणी- कल्पक आर्ट म्हापसा, गोंय

मुखचित्र: पोरस पंकज नार्वेकर

छापणावळः
इंप्रेशन्स्
बेळगावी-कर्नाटक
फोन : 2421232 (3 लायनी)

मोल : ₹ 250/-

हो अणकार अमेरिकन फोकलोर सोसायटीच्या जर्नलांतल्या मूळ लेखांप्रमाणे (1937) केला. त्या खातीर अमेरिकन फोकलोर सोसायटीक दिनवास - उजवाडावपी

खिणा-खिणाक तकालस घेवन
म्हज्या सोद-वावराच्या आनी बरपावळीच्या
राटावळींत म्हाका सदांकाळ आधार दिवपी म्हजी घरकान्न

अमिता

हिका माये-मोगान समर्पण

दिनवास

लोकवेद संशोधनाच्या मळावेली संसारांतली एक नामनेची विदुषी मार्था बेकविथ ही 1927 वर्सा जगाच्या अभ्यास भोंवडेर आशिल्ली. तेन्ना ती पुर्तुगेज लोकवेदाच्या अभ्यासा खातीर चार-पांच दीस गोंयांत रावली. तेन्ना तिचे वांगडा इंग्लंडांत शिकिल्ली गोंयची ओलिव्हिया द कुन्य ही विद्यार्थिनी आशिल्ली. मार्था बेकविथाच्या मार्गदर्शना खाला पुर्तुगेज भुरगीं आनी थळावे पुर्तुगेज शिक्षक हांचे कडल्यान कांय काणयो ताणी एकठांय केल्यो. तांचें पुनर्लेखन आनी इंग्लिशींत अणकार केलो आनी धा वर्सां उपरांत त्यो ध जर्नल ऑफ अमेरिकन फोकलोर (खंड 50, जानेवारी-मार्च 1937, क्र. 19.5) हातूंत 'फ्रोक टेल्स फ्रॉम न्यू गोवा (इंडिया)' ह्या मथाळ्याखाला उजवाडायल्यो.

ह्यो काणयो पुंजावपा फाटल्यान पुर्तुगेज लोककाणयो अभ्यासपाचो मार्थाचो उद्देश आशिल्लो. ताका लागून ह्या संकलनांत मुळाव्यो कोंकणी लोककाणयो चडश्यो आसपावनात. हांतल्यो णव काणयो धा ते पंद्रा वर्सांच्या पिराये वेल्या भुरग्यां कडल्यान मेळयल्यात. उरिल्ल्यो जाण्ट्यां कडल्यान घेतल्यात. पूण त्या काळांत गोंयच्या एका समाजा कडेन कसल्यो लोककाणयो चलंत आशिल्ल्यो हाची भोव बरी गवाय ह्या संग्रहांतल्यान मेळटा. लोकवेदाच्या अभ्यासकां खातीर तांचो अणकार आनी मूळ काणयांची परतून उजवाडावणी जावप गरजेचें दिसलें. म्हण हावें हो वावर हातांत घेवन पुराय केला. आमचे तरणी विद्यार्थी पिळगेक ताचो अभ्यासाचे नदरेन भोव आधार जावंक पावयेत. तशें जाल्यार म्हजो हो वावर फळादीक जातलो.

ह्या वावराचें मुळावें स्रय मार्था बेकविथ, ओलिव्हिया द कुन्य, संपादक सारा डेव्हिडसन आनी एल्यानोर फेल्प्स तेच प्रमाण ध जर्नल ऑफ अमेरिकन फोकलोर हांकां वता. त्या खातीर हांव तांकां सगल्यांक मनाकाळजांतल्यान दिनवासतां. म्हजे इश्ट डॉ. नंदकुमार कामत हाणी म्हाका ह्या लोककाणयांची मुळावी प्रत मेळोवन दिली आनी अणकार करपाची सुचवणी केली. ताका लागून हो वावर जावंक पावलो. असल्या वावरांत डॉ. नंदकुमार कामतीचें भोव बरें सहकार्य म्हाका आजवेर मेळत आयलां. तें फुडाराकय मेळटलें अशी आस्त बाळगितां. अक्षर जुळणे खातीर म्हापशेंच्या कल्पक आर्टचे हेरंब वाटवे हांचें मोलदीक सहकार्य फावो जालें. तांचे उपकार मानतां. इंडियन ॲटिक्वेरींतले पोरणे संदर्भ सोदपा खातीर डॉ. विद्या कामत पार्थन (मुंबय) हांचो आधार जालो. त्या खातीर तांचे उपकार. म्हजो संशोधनाचो वावर आनी बरपावळ पुराय करपा खातीर म्हजी घरकान्न अमिता हिचो जो आधार सदांकाळ जाता ताचें मोल कशें करुं? तिचें हें रीण म्हजेर सदां खातीर आसतलें.

हो संग्रह वाचप्यांच्या हातांत पावयतना खोस भोगता. सदां सारके वाचपी म्हज्या हे बरपावळीक येवकार दितले अशी आस्त बाळगितां. इदं न मम.

पर्वरी
जानेवारी 2021

– डॉ. पांडुरंग फळदेसाय

मार्था बेकविथ

मार्था वॉरन बेकविथ म्हळ्यार मानवजातवर्णन शास्त्र आनी लोकवेद संशोधनांत मुखेल योगदान दिवप्यां मदलें एक म्हत्वाचें नांव. तिचो जल्म मॅसेच्युसेटसांतल्या वेल्स्ले हिल्स वाठारांत 19 जानेवारी 1871 दिसा जालो. तिच्या आवयचें नांव हेरिएट विन्स्लोवे आनी बापायचें नांव जॉर्ज एली. तीं दोगांय हवाई जुंव्यां वेल्या शाळांनी अध्यापनाचो वावर करतालीं. मार्थाक भुरगेपणा सावन हवाई जुव्यां वेल्या लोक संगीत आनी नाचां विशीं आवड आशिल्ली. तिची आवड पुराय करपाक तिका आवय-बापायन आधार दिलो. ताका लागून फुडें-फुडें मार्थाची आवड पुराय पोलिनेशियन लोकवेद आनी लोकसंस्कृती विशीं निर्माण जाली. हीच आवड आपल्या शिक्षणाचो वांटो मानून मावंट होल्योके कॉलेजांत तिणे पदवी मेरेनचें शिक्षण पुराय केलें. मागीर थंयच्या एलमिरा वाठारांत ती इंग्लिश विशयाची अध्यापिका जाली. व्हॅसार आनी स्मिथ कॉलेजांत इंग्लिश विशय शिकोवन तिणे 1913 वर्सा व्हॅसार सोडलें आनी ती कोलंबिया विद्यापिठांत मुखावेलें शिक्षण घेवपा खातीर गेली.

मार्था कोलंबिया विद्यापिठांत पावली आनी थंय तिका फ्रांज बोअस् सारकिलो फांकिवंत मानववंशशास्त्रज्ञ शिक्षक म्हण मेळ्ळो. प्रोफेसर फ्रांज बोअसाक अमेरिकन मानववंशशास्त्राचो बापूय मानतात. अशा म्हान प्राध्यापकाच्या मार्गदर्शना खाला मार्थान एम. ए.चें शिक्षण पुराय केलें. 1918 वर्सा तिणे डॉक्टरेट मेळयली. तेन्ना तिची पिराय 47 वर्सांची आशिल्ली. 1920 वर्सा मार्थाक लोकवेदांचें अध्यासन फावो जालें. पुराय देशातलें विद्यापिठांतलें वा कॉलेजांतलें लोकवेदाचें अध्यासन मेळिल्ली मार्था ही पयलीच व्यक्ती आशिल्ली. ताचे उपरांत ती फोकलोर फावंडेशनाचेर रिसर्च प्रोफेसर म्हण आनी तुळात्मक साहित्याची असोसिएट प्रोफेसर म्हण व्हॅसार कॉलेजांत परत आयली. संशोधन प्राध्यापक म्हण मार्थान निवृत्त जाता मेरेन वावर चालू दवरलो. ती 1938 वर्सा कॉलेजांतल्यान निवृत्त जाली. तो मेरेन तिच्या वांट्याक कितल्योशो मानाच्यो सुवाती आनी सन्मान आयले. तांतूत लोकवेद आनी मानववंशशास्त्र ह्या विशयांचेर वावर करपी खूबश्या संस्थांच्यो मानाच्यो सुवाती आशिल्ल्यो. केन्ना ती अमेरिकन फोकलोर सोसायटीची अध्यक्ष म्हण ना जाल्यार मॉडर्न लँग्वेज असोसिएशनच्या पॉप्युलर ग्रुपाची बॅलड कमिटी सदस्य म्हण, सदांच एक कृतिशील वांगडी म्हण वावुरली.

मार्थाचो लोकवेद मळावेलो तोकणायेचो वावर पळोवन प्रभावित जाल्लें एक दानशूर अशें ॲलेक्झांडर जोडपें हवाई जुंव्याचेर रावतालें. मार्थाचो हो वावर कसल्याय अडचणींविणे जावचो म्हण अलेक्झांडर जोडप्यान आपल्या वकिला वरवीं व्हॅसार कॉलेजांत फोकलोर फावंडेशन स्थापन करपा खातीर फावो तो फंड दिवपाचो एक निनावी प्रस्ताव दिलो. कॉलेजीन तो मानून घेतलो आनी फावंडेशनाची स्थापणूक करुन तें अध्यासन मार्था कडेन सोपयलें. अशे तरेन मार्थाची संशोधन-वावराची वाट सुरळीत जावंक पावली. फोकलोर फावंडेशन सुरु जालें आनी व्हॅसार कॉलेज म्हळ्यार एक म्हत्वाचें संशोधन केंद्र

म्हण ताची रोखडीच नामना जावंक पावली. तांतले तांतूत लोकवेद आनी लोकसंस्कृती विशींचें संशोधन म्हळ्यार त्या काळांत तें नवेंच अभ्यास-क्षेत्र आशिल्लें. विसाव्या शेंकड्याच्या आरंबाक लोकवेद पुंजावप, ताचें मूल्यमापन करप आनी तुळात्मक अभ्यास करप हो वावर सामको नवो आशिल्लो. 1932-33 वर्सा मार्था प्रतिश्ठेच्या अमेरिकन फोकलोर सोसायटीची अध्यक्ष जाली. तिच्या जिणेंतलो सगल्यांत म्हत्वाचो वावर म्हळ्यार तिचे दोन महान ग्रंथ. पयलो अजरामर ग्रंथ म्हळ्यार 'द कुमुलिपो : ए हवाईन क्रिएशन चाण्ट' आनी दुसरो ग्रंथ 'हवाईन मायथॉलॉजी'. तिणे खूबश्या ग्रंथांक प्रस्तावना बरयल्यात. म्हणी, वाक्प्रचार, गुडां, लोकांचे तरेकवार खेळ आनी वखदी पाळां-मुळां हांचेविशीं लेगीत खोलायेन बरयलां. मार्थान खासा हवाई जुंव्यां वयल्या आफ्रिकन आनी इस्ट इंडियन आशिल्ल्या जमायकन लोकांचें जातीवर्णन आनी लोकवेद हांचे विशीं खोलायेन अभ्यास करुन आपले निश्कर्श बरोवन दवरल्यात. तिणे अमेरिकन लोकां विशीं आनी गोंयांतल्या पुर्तुगेज लोकां विशींय बरयलां. चड करुन मार्था दर वर्साचो वसंत ऋतु (स्प्रिंग) भोंवडी करपाक घालयताली. मार्था 1927 वर्सा जेन्ना जगाच्या भोंवडेर भायर सरिल्ली तेन्ना ती गोंयांत आयिल्ली. त्या वर्साच्या स्प्रिंग भोंवडेंत ती गोंयांत आयिल्ली. ती चार-पांच दीस पणजी शारांत रावील्ली. तेन्ना तिका गोंयच्यो लोककाणयो एकठांय करपाच्यो आशिल्ल्यो. म्हण तिणे कांय काणयांचें संकलन केलें. मागीर त्यो उजवाडाक हाडल्यो.

व्हॅसार कॉलेजांतल्यान निवृत्त जातगीर पसून तिणे हवाई जुंव्यांचेर भोंवडी करप चालूच दवरलें. निवृत्त जातना मार्था 'प्रोफेसर इमेरिटस ऑफ फोकलोर' हें बिरुद घेवन भायर सरली. मागीर बिशप म्युझियम हें तिणे आपलें मुख्यालय केलें आनी ती हवाई लोकवेदाची ऑनररी रिसर्च असोसिएट जाली. मार्था सदांकाळ हवाई हातबरपांचें संपादन आनी अणकार करताली. तिणे त्या संदर्भांत कितल्योश्यो प्रस्तावना आनी स्पश्टीकरणात्मक टिपणां बरयलीं. तिचो 'कुमुलिपो' विशींचो महान ग्रंथ 1951 वर्सा, म्हळ्यार ती अयशीं वर्सां पिरायेची जाली तेन्ना प्रसिद्ध जालो. अजाप म्हळ्यार ते पिरायेचेर सुद्धां ती हवाई जुंव्यांवेली पारंपारीक वखदां-मुळां एकठांय करताली. हाचे वेल्यान तिचे कडेन आशिल्ली प्रचंड उर्जा आनी उमेद हाचो अदमास येता. वेगवान पेंवप आनी घोड्याचेर स्वार जावन जुंव्यार रपेट करप हे दोन तिचे आवडीचे विशय.

जिणेच्या निमाण्या आठ वर्सांच्या काळांत तिची दृश्ट अंधूक जाली. ताका लागून तिची बरपावळ आनी उजवाडावणी हांचेमदीं खूब आडमेळीं येत रावलीं. पूण तिचेलागीं आशिल्लें असामान्य एकाग्रतेन तिणे आपलें वाचन निमाणे मेरेन चालू दवरलें. अभ्यासक तिका मानववंश शास्त्रज्ञा परस लोकवेदशास्त्रज्ञ म्हण चड मानतात. तिच्या वावरांत मानववंशशास्त्र, मौखीक विद्या आनी निवेदन शैली हांचो सुरेख संगम जाल्लो दिसता. तिची फोकलोर ऑफ अमेरिका ही प्रबंधिका (मोनोग्राफ) 1907 वर्सा उजवाडा आयली. ताचे उपरांत बावीस वर्सांनी खूब म्हत्वाचो असो ब्लॅक रोडवेज : ए स्टडी ऑफ जमायकन फोक लायफ हो ग्रंथ 1929 वर्सा उजवाडा आयलो. त्या ग्रंथाची संशोधन जर्नाल आनी वृत्तपत्रांनी भोव तुस्त-तोखणाय केली.

मार्था 28 जानेवारी 1959 ह्या दिसा संसाराक अंतरली. तेन्ना तिची पिराय अठ्ठ्यांयशी वर्सांची आशिल्ली. 24 फेब्रुवारी 1959 ह्या दिसा माकावावच्या पोरन्या शिमितेरींत तिची कूड मातयेक लायली. तेच शिमितेरींत तिची आवय-बापूय आनी भावणां चिरनिद्रा घेतात.

मार्थाचो सदांच क्षेत्रीय अभ्यासाचेर (फिल्डवर्क) भर आसतालो. लोकांच्यो अभिव्यक्ती आनी काणयो आपल्या विद्यार्थ्यांनी एकठांय करच्यो म्हण ती वावुरताली. आपल्या विद्यार्थ्यांक वांगडा घेवन ती सुटयेच्या काळांत भोंवडी करताली. तांकां सेमिनारांत वाटेकार जावपाक प्रोत्साहन दिताली. आपल्या विद्यार्थ्यांनी स्वताच्या बुद्धीन लोकवेदा विशींचे संशोधन करचें असो तिचो आग्रो आशिल्लो.

मार्थाक लागून अलेक्झांडर जोडप्यान व्हॅसार कॉलेजांत अध्यासना खातीर फंडिंगाची येवजण केल्ली. मार्था व्हॅसार कॉलेजांत आसा मेरेन ती येवजण चालू उरली. मार्था निवृत्त जाली आनी फंडिंग थांबून थंयचें फोकलोर फांवडेशन बंद पडलें. मार्थान मात आयुश्यभर लोकवेद पुंजावप आनी तो अणकारपाचें काम केलें. पूण त्या वावराचेर भाश्य उणे केलें. तिचो लोककाणयो आनी लोकसंस्कृतीचेर आशिल्लो निखळ मोग तिच्या वावरांतल्यान संसाराक कळ्ळो. तिच्या संशोधन वावरांतल्यान सांस्कृतिक अन्वेशणाचीं नवीं रुपां अभ्यासकां मुखार आयलीं. पूण तिच्या मरणा उपरांत तिचो खूबसो वावर विस्मरणांत गेलो. तरीकय आज लेगीत हवाई विद्यापिठांत तिच्या द कुमुलिपो : ए हवाईन क्रिएशन चाण्ट ह्या ग्रंथाचीं पारायणां जायत आसात.

अमेरिकेंतली ही व्हडली नामनेची संशोधक विदुशी, गोंयांत येवपाचो तिचो उद्देश आनी हांगा येवन इंग्लंडांत तिचें शिक्षण जालां अशा पोरन्या गोंयची ओलिव्हिया द कुन्य हिचे वांगडा तिणें केल्लो काणयो पुंजावपाचो वावर हाचो ताळमेळ बसना. पयलीं गजाल म्हळ्यार मार्थान पुर्तुगेज लोकवेदाचे पोरने प्रकार सोदपा खातीर गोंयांत येवप. भुगोलीक नदरेन गोंय हो अखंड भारताचो एक वाठार. तांतुतलो बरोचसो वाठार पुर्तुगेजांनी 1510 मदीं हातासलो आनी मुखावेल्या काळांत थळाव्या लोकांचेर जुलूम-जबरदस्ती करून ताचो विस्तार केलो. पुर्तुगेज येवच्या पयलीं गोंयांत थळावे भारतीय संस्कृतीचें हजार वर्सांचें दायज चलत आयिल्लें. उपाट काणयांचो देश म्हण ज्या भारता कडेन पुराय संवसारांतले विद्वान पळयतात. त्या भारतांतल्या गोंय वाठाराक मार्था 'नवें गोंय' (न्यू गोवा) म्हण पळयताली, हाचेंच अजाप दिसता. पुर्तुगेजांनी गोंय जिकून घेतलें म्हण तें नवें गोंय जालें? हांगाचे सगले लोक पुर्तुगेज संस्कृतीचे जाले? मार्थाचे गोंय भेटीच्या सुमाराक पुर्तुगालान गोंय आपली वसाहत मानून गोंयकारांक आपले दुय्यम नागरीक म्हण नागरिकत्व दिल्लें. हाचो अर्थ पुर्तुगाली लोकसंस्कृती गोंयांत रुजली अशें जायना. अशे परिस्थितींत मार्था सारके व्हड विदुशीन गंभीर अशा सांस्कृतीक संशोधन वावरा खातीर - पुर्तुगेज लोकवेदाचे पोरणे प्रकार सोदपा खातीर गोंयांत येवप आनी पुर्तुगेज माध्यमाच्या प्राथमीक- माध्यमीक शाळांनी शिकपी 10 ते 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां कडल्यान 'पुर्तुगेज लोककाणयो' सांगून घेवप म्हळ्यार उखलापें आनी विचित्र दिसता. तिणें पुंजायल्ल्या काणयांची वळेरी आनी त्यो सांगप्यांचो तपशील फुडें दिला.

	काणी	सांगपी	पिराय	मूळ काणी मांगिल्ली भास
1	बकावली फूल	दुमिंगुश बार्रेत	13	पुर्तुगेज
2	पिकेन जुवांव	आल्बर्ट रिबेल	13	कोंकणी
3.	मोंतेस आनी एदुआर्द	दुमिंगुश बार्रेत	14	कोंकणी
4.	राजालो पूत आनी उडटी राणी	आर्नोल्ड दोस रेइश क्रूज हाका एका नोकरान सांगली	दिवंक ना	कोंकणी
5.	ताल्लो मनीस आनी मवतीचें चेडूं	आंतोन गोमिश	14	पुर्तुगेज
6.	राजकन्या आनी भूत	दोना फ्रांसिस्का वास्कोन्येलुश	दिवंक ना	पुर्तुगेज
7	नुयांचो राजा	मादाम शाविंयर	दिवंक ना	कोंकणी
8.	दाळबांची राजकन्या	मिस गोमिशाची मावस भयण	दिवंक ना	दिवंक ना
9.	चोराची काणी	आंतोनेत गोमिश	14	पुर्तुगेज
10.	गिदान पोशिल्लो भुरगो	एके दार्यीन आनी दुसरे चलयेन	20	दिवंक ना
11	भाव-भयणीचीं भुरगीं	आंतोनेत गोमिश	14	दिवंक ना
12.	धूव आनी आतेभाव	हेलेन इदुआर्द लॉपिश पॅरेर	11	पुर्तुगेज
13.	दुसऱ्याचें बरें करता ताचें बरें जाता	आर्मेलिया लॉग्ना (जाण्टी)	दिवंक ना	पुर्तुगेज
14	मोनजात आनी चोर	मिसेस द गामा	दिवंक ना	पुर्तुगेज
15	जल्लो आनी हुंदीर	मिसेस द गामा	दिवंक ना	कोंकणी
16.	अ) कोलो आनी कोली	आर्मेलिया लॉग्ना	दिवंक ना	पुर्तुगेज
	ब) कोलो आनी कोली	मिसेस शाव्हियर	दिवंक ना	कोंकणी
17	अर्वाचिन्नपणांनी दुडू सालवार	मिसेस गोमिश	दिवंक ना	दिवंक ना
18	घोव, बायल आनी चोर	हेलन एदुआर्द लॉपिश पॅरेर	11	पुर्तुगेज

19.	राजा आनी शिटूक प्रधान	अर्नोल्ड रेइश क्रूज	10	दिवंक ना
20.	माणकुल्याची चोरी	अर्नोल्ड रेइश क्रूज	10	दिवंक ना
21.	बिस्माचे मोचे	नॉर्माल स्कुलाचो शिक्षक	25	दिवंक ना
22.	पवित्र वखद	दिवंक ना	दिवंक ना	दिवंक ना
23.	दरजी आनी भूत	दिवंक ना	दिवंक ना	दिवंक ना
24.	दरज्याची काणी, जिका अखेर ना	मिस गॉमिश	दिवंक ना	दिवंक ना
25.	भाव, भयण आनी वाग	अर्नोल्ड रेइश क्रूज	10	दिवंक ना
26.	रायतळ्याची काणी	नॉर्माल स्कुलाची शिक्षिका	18	दिवंक ना
27.	शिमेचो वाद	एर्मिलिंदा दुश स्तुआर्त क्रूज	दिवंक ना	पुर्तुगेज
28.	बेनानकीचें खडप	दिवंक ना	दिवंक ना	दिवंक ना

हे वळेरीचेर नदर मारतगीर कांय गजाली स्पश्ट जातात. पुर्तुगेज काणयो फक्त क्रिस्तांव मनशांकूच खबर आशिल्ल्यो असो मार्थाचो समज आशिल्लो, काय तिचे वांगडा आशिल्ले ओलिव्हिया द कुन्य हिणें तो करून दिल्लो? दुसरी गजाल म्हळ्यार ज्या नॉर्माल स्कूलाच्या दोन शिक्षकांनी सांगिल्ल्यो काणयो हांगा आसपावल्यात, त्या वर्सांनी पणजेच्या नॉर्माल स्कुलांत आचार्य रामचंद्र शंकर नायक हांच्या सारको काणयो जाणा आशिल्लो विद्वान (भुरग्यांलो वेद - 1948) एक शिक्षक म्हण, तेच परी शिवराम अनंत सिनाय नाडकर्णी नांवांचो शिक्षक आशिल्लो. हेर थळावे हिंदू विद्यार्थीय बी नॉर्माल स्कुलांत शिकताले हें तेन्नाच्या दस्तावेल्यान (आनुआरियो-1929, 1930) दिसता. पूण तांचो विचार काणी सांगून घेवपा खातीर मार्थान केल्लो दिसना. इतलेंच न्हय तर ते विशींचो सादो उल्लेखय पुराय बरपावळींत खंयच दिसना.

1927 वर्साच्या फाटीं-फुडें गोंय कशें आशिल्लें, गोंयचो वाठार, हांगाचें मुळावें सांस्कृतीक दायज, धर्मांतर, इन्विझिशन, संदर्भग्रंथ लांसून केल्लो गोबोर, सामाजीक, सांस्कृतीक परिस्थिती हांचो कसलोच उल्लेख करनासतना चडश्या ल्हान भुरग्यांनी सांगिल्ल्या 'पुर्तुगेज' (?) काणयां वेल्यान अनुमान कशें काडूं येता? हें सगलें अमेरिकेच्या सर्वसमावेशक संविधानाचे चौकटी भायर वचून बाळबोध पद्दतीन धांवतो आढावो घेवप अशें म्हणप समा जातलें.

काणयो पुंजायतना पणजी वाठार म्हळ्यारूच पुराय गोंय असो तिचो समज करून दिल्लो आसूंक जाय. ना जाल्यार साश्टीचो उल्लेख सोडलो जाल्यार तिच्या पुराय पुस्तकांत (काणयांत न्हय) हेर खंयच्याच वाठाराचो उल्लेख मेळना. हाचे वेल्यान तिचो वावर हो एका

थारावीक वर्ग-क्लास पुरतोच मर्यादीत जालो. तो प्रातिनिधीक-मास स्वरूपाचो जावप समा जातलें आशिल्लें. म्हंटगीर मार्था ही एक चुकीचें गृहीत (हायपॉथिसिस) मनांत घेवन गोंयांत आयली आनी हो वावर तिणें केलो अशें म्हणप चुकीचें जावचें ना.

मार्थान ह्यो काणयो एकठावपाचो जो एकांगी वावर केला ती संशोधन पद्दतच उखलापी कशी दिसता. संवसारांतल्या सामकें पुर्विल्लें लोकशाय देशाचें निशाण मिरोवपी अमेरिकेंतल्यान आयिल्लें संशोधिकेन, थळाव्या संस्कृतायेक कुस्कुटावप हें धक्कादायक. वेदांताच्या संदेशा वरवीं अमेरिकेक आत्मिक उदरगतीची वाट दाखोवपी स्वामी विवेकानंदांच्या आनी संवसाराक सत्य, अहिंसा आनी शांतीकायेचो संदेश दिवपी महात्मा गांधींच्या देशांत आयिल्ले मार्था बॅकविथ हे विदुशीचो हो संशोधन मार्ग एक विचित्र कुवाडें कशें दिसता. ना जाल्यारय दुसऱ्या महायुद्धा पयलीं अमेरिकेन पुर्तुगेज वसाहतीच्या संदर्भांत सदांच पूर्वग्रहदृशित नदरेनच पळयलां आनी पुर्तुगालाकच पाठबळ दिल्लें तें इतिहासच सांगता. मार्थाच्या ह्या पुराय पुस्तकांत खंयच गोंयच्या लोकवेदा विशीं एक उतर वा सर्माजिकाय दिसना, हेंवूय एक अजाप. नव्या गोंयच्या काणयांत पुर्तुगेज लोकवेदाचें 'पोरणे प्रकार' सोदप होंच एक वेगळ्या तर्कटाचो प्रकार म्हणूंक जाय.

ज्यो काणयो ह्या संग्रहांत आयल्यात तातूंतल्या कांय काणयांतल्यान त्या काळावेली समाज वेवस्था आनी मनशांची नीतीमत्ता, सामाजीक मुल्यां हांचो सरांव घेवं येता. मूळ भारतीय काणयांचें भाव बरें दायज तातूंत पडबिंबीत जाल्लें दिसता. रायतळ्याची काणी, शिमेचो वाद, असल्यो थळाव्यो आख्यायिका ज्यो आयच्या काळारय चलंत आसात तांचो आस्पाव ह्या संग्रहांत जाला. गोंयच्या इतल्या काणयांचो संग्रह 1933 वर्सा अमेरिकन जर्नलांतल्यान उजवाडाक आयिल्लो तो आजच्या गोंयकारांक याद करून दिवपा खातीर हो म्हजो यत्न. तो कितलो फळादीक जाला हें वाचप्यांनीच थारावचें.

– डॉ. पांडुरंग फळदेसाय

संदर्भ :

1. व्हॅसार कॉलेज एंसायक्लोपेडिया
2. बॅकविथ, मार्था. हवाईन मायथॉलॉजी. न्यू हॅवन येल युनिव्हर्सिटी प्रेस, 1940.
3. बॅकविथ, मार्था. द कुमुलिपो ए हवाईन क्रिएशन चाण्ट, शिकागो . युनिव्हर्सिटी ऑफ शिकागो प्रेस, 1951.
4. लुओमाला, कॅथरिन. ''मार्था वॉरन बॅकविथ'' जर्नल ऑफ अमेरिकन फोकलोर, खंड 75, क्र. 298 (ऑक्टो-डिसें 1962), पृ. 341-353. अमेरिकन फोकलोर सोसायटी

पुर्तुगेज अंमला सकयल्या गोंयच्यो लोककाणयो

संपादन :- **सारा डेव्हिडसन आनी एल्यानोर फेल्प्स**

1927च्या वसंत ऋतूंत हांव पुर्तुगेज इंडियांतल्या नव्या गोंयच्या पणजी शारांत गेल्लें. म्हजे वांगडा पोरण्या गोंयच्या घराण्यांतली कु.ओलिव्हिया द कुन्य आशिल्ली. ती इंग्लंडांत शिकिल्ली. आमच्या थंयच्या (गोंय) चार-पांच दिसांच्या राबित्यांत आमी ह्या संग्रहांत आस्पाविल्ल्यो चडश्यो काणयो एकठांय केल्ल्यो. तांतल्यो कांय कोंकणी आशिल्ल्यो आनी कांय काणयो पुर्तुगेजींतल्यो आशिल्ल्यो. कु. द कुन्य हिणे कांय काणयो पुर्तुगेजींतल्यान अणकारिल्ल्योय आशिल्ल्यो. बाकीच्यो म्हाका त्या शारांतल्या नॉर्माल स्कुलाची प्रोफेसर कु. एर्मेलिंदा गोमिश हांणी मागीर धाडून दिल्ल्यो. ह्यो काणयो अणकारपा खातीर आमी बाल्तिमोरचे श्री. जॉन फेल्प्स हांच्या रिणांत आसात. त्याखातीर आमी तांकां तोखणायेन दिनवासतात. चार वर्सां पयलीं ह्या काणयांचो संपादन वावर कु.फेल्प्सांनी सुरू केल्लो आनी तें करतना कु. डेव्हिडसनांनी बारीकसारीक खबरींची भोवबरी जतनाय घेतली.

भारतीय वावराड्यो आनी थळावे लोक हांचे कडल्यान आयकून त्यो काणयो गोंयांतल्या दरेक पुर्तुगेज नागरिकांच्या भुरग्याक संवकळीच्यो जाल्यात. त्यो काणयो सांगपी त्या लोकां कडल्यान आमी ह्यो आयकून बरोवन घेतल्योनात. थळाव्या शिकिल्ल्या लोकां कडल्यान, कांय जाणटे, कांय पब्लिक स्कुलांतलीं कोंकणी समजुवपी आनी त्यो काणयो आयकून संवकळीचीं जाल्लीं भुरगीं हांचे कडल्यान आमी त्यो बरोवन घेतल्यो, सांगून घेतल्यो. दक्षिण भारतांत उलयतात ते मराठी परस कोंकणी खुबूच वेगळी आसा[1]. ह्या संग्रहांतल्या पयल्या तीन काणयांचें कोंकणींतलें रूप बरोवन काडपा खातीर अहमदाबादेचे डॉ. एस. एम. कत्रे हांचे मोटें योगदान आसा. तांच्या ह्या सहयोगा खातीर आमी तांकां मनां-काळजांतल्यान तोखेतात. आतां बरयिल्ले हे बरपावळीची सुमार पन्नास वर्सांपयलीं 'इंडियन एंटिक्वॅरींत' द पेन्य हांणी उजवाडायिल्ले बरपावळी कडेन तुळा करची.

1510त गोंय पुर्तुगेजांनी घेतलें आनी सोळाव्या शेंकड्यांत पुराय भारतांतलें गोंय हें सगल्यां परस गिरेस्त शार आशिल्लें अशें सांगतात. वसई, साश्ट आनी मुंबय हे प्रांत सुमार सन 1534 वर्सा पुर्तुगेजांच्या सुवादीन केले. हे प्रदेश 1728 मेरेन तरी ब्रिटिशांच्या हातांत पडले नाशिल्ले. गोंय आज मेरेन पश्चिम दर्यादेगे वयलें दमण आनी उत्तरे कडल्या तोंकार आनी काठियावाडचे दक्षीण देगेक आशिल्लें दीव हांचे वांगडा पुर्तुगेजांच्या शेकातळा आसा. थंयचें सरकार चीनाचे किनारपट्टी वेली माकाव ही वसणूक आनी इस्ट इंडिजांतलें तिमोर हांचे कडेन संलग्न आसा. म्हाका सांगिल्ले प्रमाण विद्वानांच्या मतान पुर्तुगेज लोकवेदाचो चड प्रभाव पुर्तुगेज इंडियांतल्या प्रदेशांच्या मानान वसई, दमण, दीव आनी सिलोनांत चड दिसता.

युरोपियन संपर्का पासून पयस जाल्ल्यान पुर्तुगेज लोकवेदाचे पोरणे प्रकार मेळटले ह्या हेतून हांव गोंयांत गेल्लीं. म्हज्या विश्लेशणा प्रमाण पयल्यो णव काणयो अर्ने-थॉंप्सनान थारायिल्ल्या युरोपियन प्रकारांत येतात. वेग वेगळ्या विभागांनी न्हय, पूण समग्र गटांत आस्पावतात. तुळात्मक टिपणां जरी मर्यादीत आसलीं तरी ती खूब म्हत्वाचीं आसात. कारण बसीलान पुंजायिल्ल्यो पोरण्यो लोकवेद रचना आनी तांकां समांतर दिसपी हेर वाठारांतल्यो स्पेनी वा पुर्तुगेज लोकाकाणयो हांचे मदलो संबंद तीं सिद्ध करतात. म्हणून म्हाका एक गजाल स्पश्ट पणान दिसता, ती म्हळ्यार पुर्तुगाला कडेन हें दिवप-घेवप अजुनूय चालूच आसा. कारण म्हाका सांगिल्ले प्रमाण काणी सांगतल्यान हांतली एक काणी दोन देशां मर्दी बोटींतल्यान प्रवास करतना आयकल्ली. म्हणून ह्या प्रांताचें वेगळायिल्लें रूप गृहीत धरप जमचें ना. जें लोकवेद साहित्य आमकां मेळ्ळां ते खऱ्यांनीच नवीन आनी सामकेंच वेगळेपण आशिल्लें. एकंदरींत मेरी फ्रिअर्साच्या संग्रहा कडेन सारकेपण सामकें उणें दिसता. तांतूंत जाकोब्सान आनी साश्टींत द पिन्यान जांचीं कुटुंबां गोंयांत शंबर वर्सां परस चड काळ राबितो करून आसात अशा क्रिस्तांव आयां कडल्यान आयकल्ल्यो काणयो बरोवन काडल्यात.

म्हजे गोंय भेटेंत म्हाका ज्या लोकांनी भोव बरी वागणूक दिली आनी आदार केलो त्या सगल्यांचे- मिस द कुन्य, द गामा कुटुंब, नॉर्माल कॉलेजीचे प्रोफेसर फिगेरेदु, श्री.ऑक्ताव्हियानो गिल्येर्म फेरेर, डॉ. ब्रागांझ, डॉ.द मेलु, डॉ. द कुन्य, आनी हेरांची हांव उपकारी आसां.

ध फोकलोर फावण्डेशन
व्हॅसार कॉलेज
28 सप्टेंबर, 1933

---

1 See *Influencia do Vocabulario Portugues en Linguas Asiaticus,* (by) S. Rodolfo Dalgado, Coimbra, 1913; Dialecto indo-Portugues de Goa e o do Norte, (by) S. R. Dalgado (22 pages), Lisbon, 1900.

अनुक्रम

जादूच्यो काणयो

1. बकावली फूल 01
2. पिकेन जुवांव 06
3. मोंतस आनी एद्‌आर्द 13
4. राजालो पूत आनी उडटी राणी 17
5. नाल्लो-मनीस आनी सवतीचें चेडूं 21
6. राजकन्या आनी भूत 26
7. सुयांचो राजा 30

अद्‌भूत काणयो

8. दाळंबांची राजकन्या 37
9. चोराची काणी 41
10. गिदान पोशिल्लो भुरगो 44
11. भाव-भयणींचीं भुरगीं 47
12. चली आनी आतेंभाव 49
13. दुसऱ्याचें बरें करता ताचें बरें जाता....................51

जनावरांच्यो काणयो

14. मांनजात आनी चोर....................55
15. जल्लो आनी हुंदीर 58
16. अ- माकांड आनी माकडीण 60
16. ब- कांलो आनी कांली 64

विनोद आनी आडकथा

17. अर्वाचिन्नपणांनी दुड्डू साल्वार 69
18. घोव, बायल आनी चोर 71
19. राजा आनी शिट्टक प्रधान....................72
20. माणकुल्याची चोरी 74
21. बिस्माचे मोचे 76
22. पवित्र वखद 78
23. दरजी आनी भूत 80
24. दरज्याची काणी जिका अखेर ना 81
25. भाव, भयण आनी वाग 82

आख्यायिका

26. रायतळ्याची काणी 87
27. ब्रेनानकीनाचें खडप 89
28. शिमेचो वाद 91

जादूच्यो काणयो



1. बकावली फूल[1]

1. एक आशिल्लो राजा. ताका दोन पूत आशिल्ले. राणी तिसरे फावटीं गुरवार जाली तेन्ना राजान ज्योतिशाक आपयलो. आपल्यागेर जावपी तिसऱ्या भुरग्या विशीं राजान ज्योतिशाक विचारलें. राजाची नदर जेन्ना तिसऱ्या पुताचेर पडटली तेन्ना राजा कुड्डो जातलो अशें ज्योतिशान सांगलें. म्हण्टगीर राजान रानांत एक म्हाल बांदलो आनी राणयेक त्या म्हालांत दवरली. तिसरो कुंवर जल्मलो आनी रानांतूच रावूंक लागलो.

2. एक दीस राजा आपल्या तिसऱ्या पुताक पळोवंक गेलो आनी पुताचेर नदर पडटनाच कुड्डो जालो. तो घरा आयलो. ज्योतिशाक आपोवन हाडलो आनी आपणाक परत नदर येवपा खातीर कितें उपाय आसा तो विचारलो. ज्योतिशान बकावली फूल हाडून दोळ्यांक लायल्यार राजाक परतून दिसूंक लागतलें अशें सांगलें. राजान आपल्या दोनूय पुतांक बकावलीचें फूल सोदून हाडपाक धाडले.

3. रानांतल्या राजपुत्राक ही खबर कळ्ळी. ताणें एका भिकाऱ्याचें रूप घेवन तो बकावलीचें फूल सोद्पाक भायर सरलो.

4. तो एका राज्यांत पावलो. थंयचे राजकन्येन आपणा कडेन लग्न जावंक सोदप्या खातीर एक पण दवरिल्लो. आपणा बराबर इस्पिकांनी खेळून जो आपणाक हारयतलो ताचे लागीं ती लग्न जावपाची आशिल्ली. हारल्यार बंदखणींत रावपाचें. ताचे पयलीं राजपुत्राचे दोगूय व्हडले भाव राणयेचो

दाव हारिल्ले आनी बंदखण भोगताले. तिसरो राजपुत्र भिकाऱ्याच्या रुपांत त्या राज्यांत पावलो. तो एके म्हातारेच्या घरांत गेलो. म्हातारेक थंयच्यो खबरी विचारल्यो. म्हातारेन राजकन्येची अट ताका सांगली.

5. राजपुत्र रानांत गेलो आनी ताणे एक मुंगूस धरून ताका आपल्या बोल्सांतल्यान कशी उडी मारची हें शिकयलें. त्या मुंगुसाक घेवन तो राजकन्येच्या म्हालांत गेलो. पयलो डाव तो हरलो. तेन्ना ताका म्हातारेन सांगिल्लें तें याद जालें. राजकन्येच्या दिव्या खाला एक हुंदीर बसता आनी तो राजकन्येच्यो इस्पिको फावो तश्यो बदलून दिता. खेळटना राजपुत्रान आपल्या बोल्साक हात लायलो. इतले भितर मुंगुसान उडी मारून हुंदराक खावन उडयलो. तो डाव जिखलो. राजकन्ये कडेन लग्न जालो आनी बंदखणींत आशिल्ल्या आपल्या दोनूय भावांक ताणें मेकळे केले.[2]

6. मागीर तो फूल सोदूंक भायर सरलो. वाटेर ताका एक माजर दिसलें. खरें म्हणल्यार माजराचें रूप घेतिल्लो तो एक दैत्य आशिल्लो. पूण राजपुत्राक तें खबर नाशिल्लें. माजराच्या सांगातान तो चलत रावलो. दैत्य आपले सुवातेर पावतगीर राजपुत्राक खावंक सोदूंक लागलो. राजपुत्रान ताका म्हणलें, "म्हाका खावंनाका. तुका हांव बरेंबरें रांदून खावंक घालतां." दैत्याक राजपुत्राक खावपाचें आशिल्ले पूण ताणें आपूण खावचों ना म्हणून उतर दिलें.

7. राजपुत्रान दैत्याक सांगलें, आपणाक बकावली फूल जाय म्हणून. तें मेळप खूब कठीण आसा अशें सांगून दैत्यान ताका दुसऱ्या राकेसा म्हऱ्यांत धाडलो. राजपुत्राक वाटेर कोणेंय राकेसांनी खांवांचो न्हय म्हणून ताणें एक कपडो घेवन ताचे फाटीर दसयलो[3] तो त्या दैत्याचे भयणी घरा गेलो. ती ताका खावंक आयली. पूण भावान राजपुत्राक बरे भशेन वागय म्हणून सांगिल्लें. तिणें ताचें लग्न आपले धुवे कडेन केलें. राजपुत्रान मांय कडेन बकावली फूल मागलें. तिणें आपणाल्या सेनापती वरवीं बकावलीच्या राजाल्या वाड्या मेरेन खणपाक लायलें.[4]

8. भुंयार खणून जातगीर सेनापतीन राजपुत्राक बकावलीच्या राजम्हाला मेरेन व्हेलो. थंय न्हिदिल्ली राजकन्या ताका दिसली. ताणें एक सुपारी चाबडायली आनी ती राजकन्येक चड न्हीद येवंदी म्हण तिच्या तोंडार मारली. ताणें तिच्या बोटाची मुदी काडली आनी आपली मुदी तिका घाली. मागीर तो फूल खुटपाक बागेंत गेलो. बकावली फूल घेवन तो भुंयारांतल्यान

परतो आयलो. थंय बागेंत सगले कडेन काळोख जालो आनी राजकन्या थार न्हिदून पडली.

9. कुंवरांन तें फूल व्हेलें आनी एके तळयेंत दवरलें. थोड्या दिसांनी ताणे ते फूल काडलें आनी आपूण परतो वतां अशें दैत्याचे भयणीक सांगलें. राक्षिणीन म्हणलें, "बायलेकूय व्हर." मागीर बायलेक घेवन तो पयले राजकन्येगेर आयलो.

10. थंय पावतगीर बंदखणींत आशिल्ले तांकां सगल्यांक सोडूंक लायले. आपल्या दोगय भावांक लोखंडाच्यो सरयो तापोवन दाग दिले आनी धाडून दिले. आपल्या दोगूय बायलांक थंय दवरल्यो आनी आपणें परतें भिकाऱ्यांचें सवंग घेवन वांगडा फूल घेवन गेलो.

11. वाटेर ते दोगूय भाव मेळ्ळे. तांणी ताका बरो मारलो. ताची झोळी ओडली. तातूंत तें फूल मेळ्ळें. ताचो झगझगीत उजवाड पडटालो. व्हेलें घरा आनी लायलें बापायच्या दोळ्यांक. बापूय जालो बरो.

12. तिसरो कुंवर मार खावन घरा आयलो. दोगूय बायलांक घेवन आपल्या घरा गेलो. राक्षीण मांयन ताका तीन केंस दिले. सांगलें, "एक केंस लासतगीर जातलें व्हडलें शार." लासलो ताणें पयलो केंस. रोखडीच एक सिदाद जाली. व्हडले राजवाडे, बागो, रस्ते, वाटो.आपणालो राजवाडो पळोवंक येता तांणी निवळ कपडे घालून येवंक जाय, असो ताणें आदेश काडलो. एका घरांत सगलीं न्हेसणां दवरलीं. जो बुरशे कपडे घालून येता ताका कपडे बदलूंक आनी राजवाड्यांत वचूंक म्हण ही तजवीज आशिल्ली.

13. पातशाक कळ्ळें. असलो एक मनीस आयला म्हणून आनी चिंतलें ताका मेळूंक वचपाक. कुंवराक कळ्ळें पातशा भेटेक येता म्हणून. ताणें एक व्हडली बांकेत दिवंक केली. पातशा आपल्या सगल्या मंत्र्यांक आनी दोन पुतांक घेवन गेलो. त्या दागांक लागून ते दोनय पूत सारके बसनाशिल्ले. ताणें पातशाक विचारलें, "ते दोगूय कित्याक सारके बसनात?" ते लजेन ओगी रावले आनी तांणी मानो सकल घाल्यो. तेन्ना ताणें सांगलें आपणेंच ते दाग तांकां दिल्ले म्हणून.[5]

14. हें उलयता आसतना ती बकावलीकान्न (फुलकान्न राजकुंवर) वाऱ्यावयल्यान थंय आयली. तिणें विचारलें- आपली मुदी तुजे लागीं आसा जाल्यार सांग. कुंवरान मुदी दाखयली. मागीर तो काजार जालो. कुंवर ताच्या बायलांक घेवन बापायचे पालासींत रावपाक गेलो.

तळटिपो :-

1- दुमिंगुश बारेंत (पिराय 13 वर्सां) हाणें पुर्तुगेजींत सांगिल्ली. हे काणयेचो पयलो वांटो "रोझ ऑफ बकावली" (क्लाउस्टन, ग्रुप ऑफ इस्टर्न रोमान्सिस, 1889, पृ. 240-288) हे पर्शियी काणयेक लागींचो दिसता. क्लाउस्टन तिचो संदर्भ (xxxv) 1712 वर्साच्या बंगाली लेखका कडेन दाखयता. ते काणयेचेर पर्शियी काणी बेतल्या अशें ताणें पयलीं सांगून दवरला.

सिंहली काणी "कुले-बाका फ्लॉवर्स" (पारकर, क्र.1:173-178) आनी तसलीच संथाळ काणी "फुलझारी राजा" (बॉम्पास, 244-247) आसा. ते काणयेंत "लीता" फुलझारी फूल हाडपाक वता. पूण तातूंत न्हिदिल्ले राजकन्येक मुदी दिवप आनी तिची मुदी काडून घेवप, भावान फूल चोरप, आनी जादवाचो म्हाल ह्यो गजाली आसपावनात. उलट भुंयार खणपाचो प्रसंग पर्शियी काणयेंत ना. पणजेचे काणयेंत हीं तिनूय वेगळेपणां राजाचे दोळे बरे करपाच्या यत्नांचो वांटो म्हणून आयल्यात. हे काणयेच्या एका पाठभेदांत (पारकर, क्र. 2:356-360) दोनूच यत्न आसात; एका राजाचें कुड्डेपण पयस करपा खातीर कुले-बाका फूल हाडप आनी सुरांगनेन राजपुत्रा कडेन लग्न जावप. सालसेतीचे "द प्रिन्स अँड ध कमल फ्लॉवर" (इंडियन एण्टिक्वेरी, सप्टेंबर, 1893, पृ. 243, ऑक्टोबर, 1893, पृ. 276) हे काणयेंत फुलांचे दुसरे जोडये मेरेन पावपा खातीर राजपुत्र दर्यांतल्यान पेंवत जादवाच्या नगरांत वचून न्हिदिल्ली राजकन्या सोदून काडटा. तेन्ना तिच्या दैत्य बापायक तो मारून उडयता. तुळा करात "ना, मी, अँड ब्लू लोटस प्रिन्सेस" (पारकर, क्र. 2: 320-321) ते काणयेंत "म्हासागरांत आशिल्लें नीलकमळ" हाडपाक राजा आपल्या पुताक धाडटा.

एके संथाळ काणयेंत (बॉडिंग, क्र. 2:317-365; बॉम्पास, 26-31), मरणपंथाक लागिल्लो राजा चांदमणी कुसुम (फूल) हाडपाक "लीलाक" धाट्टा. आनी एके बंगाली काणयेंत (डे, 236-256) स दुस्वाशी राणये सातवे राणयेच्या पुताक वाट चुकोव पाखातीर केतकी फुलाकडेन धाट्टात. न्हिदिल्ले राजकन्येक भांगराच्या आनी रुप्याच्या बडयांनी उठोवचें पडटा. तो राक्षसांच्या मर्णाचें गुपीत समजून घेता. त्या राक्षसांनी राजकन्येक बंदी करून दवरिल्लें आसता. तो पूत राक्षसांक मारून उडयता;फूल आनी राजकन्येक घेवन घरा येता.

2- जुगार खेळपा संबंदीं पळयात- पारकर क्र.1, 177, टिपणां. पंजाबची आख्यायिका राजा रसलू आनी राजा सिरिकाप (सिनरर्टन, रोमाँटीक टेल्स फ्रॉम ध पंजाब, 1903, पृ. 245-260). सिरिकापा कडेन शिकयिल्लो हुंदीर आसता. तो ताका खेळांत जिखून दिता. पूण मागीर रसलूचें माजरा पील हुंदराक खेळा कडेन यवंक दिना. पारकर 2 पृ. 138-141, आपलें माजर एका ठरावीक वेळा मेरेन दिवो उखलून धरपाक शकता म्हणून एक गणिका पैंज मारता. तिका हारोवपा खातीर राजकन्या एका फाटल्यान एक सात हुंदीर सोडटा. तेन्ना मांजर दिवो उडोवन हुंदरांक धरपाक धांवता. "आंकवार माजर" हे पोरणे आख्यायिके बराबर तुळा करची. जुगाराच्या अड्ड्याचेर बंद करून दवरपा विशीं पळयात- डे, पृ 190-193, 277, आनी क्र. 3 संग्रह. हो प्रसंग "फातोर लंवडुवपाची चेटकीण" हाचे कडेन लागींचो दिसता. (ग्रीम-60 प्रमाण) "दोन भाव" प्रकारांत हो आसपावता.

3- जुवानाक एक जाणटो मनीस कपड्याचो कुडको दिता. ताचो उद्देश जुवानाक तीर्थयात्रेंत राखण मेळची असो आसता. वाटेर ताका दोन संन्याशी मेळटात आनी तो कपडो पळोवन शांत जातात. हो संदर्भ फिलिपिनच्या काणयांनी दिसता. (फॅसलेर, पृ.159-160).

4- भुंयार खणपी हुंदरा विशीं पळयात-पारकर-क्र.1 : पृ. 61-62, 177; क्र. 2: 81, 305, 322; क्र. 3: 326. भुंयार खणपी मुंगूस- पळयात क्र. .

5- पारकर- क्र. 3: 62-70, आयवांदाक ताच्या सादेपणाक लागून राजकन्येन लग्न जावपाक न्हयकार दिलो. ताका लागून तिच्या लग्ना खातीर आयिल्ल्या उमेदवारांक आनी सोयऱ्यांक सुरी माल्ली. ही घडणूक आनी जुगारी अड्ड्याचो प्रसंग, बंदखणींत आशिल्ल्यांक दाग दिवप हें पणजेंतले काणये कडेन जुळटा. ह्यो काणयो "बंदखणींतले उमेदवार" ह्या काणयांच्या प्रकारा खाला येतात. (पळयात- पेन्झर, ओशन ऑफ स्टोरी- 1 : पृ. 42-44). ह्या काणयांनी युरोपांत जादूगिरीचें मांडण येता. राजकन्ये कडेन लग्न जावपा खातीर आयिल्ले प्रेमवीर हारले उपरांत जादू वरवीं तांचेर चाकू मारतात ते खातीर घरांतले खंयचेय वस्तूचेर जादू चलयतात. एकदां तो जादू चलयलो म्हणटगीर आपलें पूर्ण काम केले बगर तो थांबना.

◆ ◆ ◆

2. पिकेन जुवांव[1]

1. खूब खूब वर्सां पयलीं एका राज्यांत एक राजा आनी राणी रावताली. तांचे वांगडा तांचो प्रधान आनी ताची घरकान्न रावताली. राजाक दोन कुंवऱ्यो आसल्यो. दुसरो कुंवर जल्माक येतगीर राजान राणयेक म्हळें, आतां तुगेर परत कुंवर जल्माक आयल्यार ताका हांव जितो मारतलों! प्रधानानय आपले बायलेक सांगलें, आतां परत कुंवरी जल्माक आयल्यार आपूण तिका जिवानीशीं मारतलों!

2. कांय तेपान राणी आनी प्रधानाची बायल गुरवार जाल्यो. तेन्ना तांकां आपल्या घोवांलीं उतरां याद जालीं. दोगांनींय थारायलें जर राणयेगेर कुंवर आनी प्रधाना बायलेगेर कुंवरी जाली जाल्यार वैजिणी वरवीं तांची अदलबदल करप. दीस भरनाफुडें त्यो बाळांत जावन राणयेगेर कुंवर आनी प्रधाना बायलेक कुंवरी जाली. तांणी आपल्या भुरग्यांची अदलाबदल केली.

3. राजाचीं आनी प्रधानाचीं भुरगीं एका बाराबर भावंडां कशीं त्या राजम्हालांत ल्हानाचीं व्हड जालीं. एक दीस राजाची बाग सामकी बाविल्ली आनी कोणें तरी माडोवन उडयिल्ली ताका दिसली. तो चिंतूंक लागलो-कोणे जायत ही बाग माडोवन उडयल्या! परतून कांय दिसांनी बाग माडयिल्ली दिसतगीर ताणें आपल्या व्हडल्या पुताक आपयलो. राती कडेन बागेचेर पाळत दवरपाक सांगलें.

4. राजाच्या पुतान पडभर कणयों, एक बंदूक आनी एक तलवार मागली. राजान तीं दिवंक फर्मायलें. तें सगलें घेवन तो बागेच्या दारार बसलो. आपणाक न्हीद येवची न्हय म्हणून ताणें एकेक कणी खावंक आरंब केलो. पूण जेन्ना

सगल्यो कणयों सोंपल्यो तेन्ना तो न्हिदून पडलो. दुसऱ्या दिसा सकाळीं पळय जाल्यार सगळी बाग माडोवन बाविल्ली दिसली. दुसऱ्या दिसा दुसऱ्या पुताक राजान फर्मायलें. व्हडल्या भावा भशेन ताणेंय पडभर कणयो, बंदूक आनी तरसाद घेतली आनी तो बाग राखूंक बसलो. कणयो खातां खातां सोंपल्यो आनी तो न्हिदून पडलो आनी बाग माडोवन बावली. आतां कोणाक सांगचें ह्या विचारांत आसतना राजाक प्रधानाचो पूत दिश्टी पडलो. ताचें नांव पिकेन जुवांव. ताणें राजा कडेन बाग राखपाचें काम मागलें.

5. राजान ताका मान्यताय दिली. राजा कडेन ताणें तलवार मागली. ती राजान दिवंक सांगली. मागीर तो रांदचे कुडींत गेलो आनी मिरसांगेचें आळेण वांटून घेतलें. मागीर ताणें तलवारीन आपल्या बोटाक घाय केलो. घायाचेर थोडें आळेण दवरलें आनी तें बांदलें.बोट भगभगपाक लागलें. ताका लागून पिकेन जुवांव रातभर न्हिदूंक पावलो ना.' मध्यानराती उपरांत एक धवो घोडो येवन बाग माडयता ती ताणें पळयली. ताणें घोड्याचे मानेवयले केंस घट्ट धरले आनी तलवारीन ताची मान कापपाक केली.

6. धव्या घोड्यान काकुटेक येवन आपणाक मारूं नाका म्हणून विनयलें. तुका हांव जायतें दितां अशें उत्तर दिलें. पिकेन जुवांवान सांगलें; म्हाका कांय नाका. पूण ही बाग पयलीं आशिल्ली ताचे परस बरी आनी सोबीत कर. ताणें रोखडीच बरी बाग करून दाखयली. मागीर घोड्यान आपले मानेचो एक केंस काडून ताका दिलो. सांगलें- ताची मुदी करून बोटाक घाल. जेन्ना तुजेर कसलोय आकांत येता तेन्ना तूं म्हाका उलो मार- 'धव्या घोड्या म्हाका पाव' अशें म्हण. दुसऱ्या दिसा म्हजो भाव येतलो हांगा अशें सांगून तो गेलो. मागीर पिकेन जुवांव एका रुखा मुळा न्हिदलो.

7. दुसऱ्या दिसा राजान जनेलांतल्यान पळयत जाल्यार बाग पयलीं परस सोबीत आनी सुंदर जाल्या. तेवटेन पिकेन जुवांव न्हिदून पडला. तो जागो जातगीर राजाक मेळूंक गेलो. राजान शाबासकी दिली आनी विचारलें कोण तो बाग पिड्ड्यार करतालो? पिकेन जुवांवान सांगलें हांव नकळं. हांव थार न्हिदिल्लों.

8. पयलीं सारको पिकेन जुवांव गेलो बाग राखपाक. ते रातीं आयलो तांबडो घोडो. पिकेन जुवांवान ताकाय धरलो. माने वयले केंस धरून तुका कातरतां म्हणूंक लागलो. घोडो काकुटेक आयलो. मारूंनाका म्हणूंक लागलो. तुकां जायतें दितां. 'कांय नाका. बाग पयलीं परस बरी सोबीत कर'. ताणें म्हळें. घोड्यान बाग तशी केली. मागीर धव्या घोड्या भशेन एक केंस

पिकेन जुवांवाक दिलो आनी सांगलें, हाची मुदी करून बोटांत घाल. जेन्ना तूं संकटांत आसता तेन्ना तूं म्हाका उलो मार. 'तांबड्या घोड्या पाव म्हाका' म्हण. वतना ताणें सांगलें फाल्यां आपलो तिसरो भाव येतलो.

9. दुसऱ्या दीस सोबीत सुंदर बाग पळोवन राजा चड खोशी जालो. राजान पिकेन जुवांवाक विचारलें. पूण ताणें आपूण न्हिदून पडिल्लों आपूण कांय नकळ म्हणून सांगलें.

10. तिसरे राती पिकेन जुवांव बाग राखूंक लागलो. काळो घोडो आयलो. पयल्या दोन रातीं घडिल्लें तशेंच घडलें. काळ्या घोड्यान बाग आनीक सोबीत आनी पाचवीचार केली. आपलो केंस दिलो. ताची मुदी करून बोटांत घाल आनी त्रासांत पडल्यार आपणाक 'काळ्या घोड्या म्हाका पाव' म्हणून उलो मार. अशें सांगून तो गेलो. त्या दिसा सावन बाग सदांकाळ पाचवीचार सोबीत रंगीत जायत गेली. राजा पिकेन जुवांवाचेर खूब खोशी जालो. आपल्या पुतां परस चड मोग ताचेर करूंक लागलो.

11. दोनूय कुंवरांक पिकेन जुवांवाची जाली नसाय. 'आमी दुसऱ्या गांवांत कामधंदो करून जोडीक वतात म्हणून आमकां एक तारूं घडोवन दी' अशें तांणी राजा लागीं आपल्या बापाय लागीं मागलें. राजान तारूं दिलें. तें घेवन ते दोगूय गेले देशांतराक. खूब वर्सां जालीं तरी तांची कांयच खबर कळ्ळीना. पिकेन जुवांवान राजाक सांगलें आपूण तांचे खबरेक वतां म्हणून. राजा तयार नासलो. पूण पिकेन जुवांवान हट्ट केल्ल्यान ताणें ताका तारूं दिलें आनी वचपाक मान्यताय दिली. वच्चे पयलीं एक सांगलें, 'तूं मेलो जायत जाल्यार तारवाचेर काळो बावटो हुबय.'

12. खूब दिसांच्या प्रवासा उपरांत एक गांव दिसलो. त्या बंदरांत खूबशीं तारवां आसलीं. तातूंत कुंवरांचेंय तारूं आसलें. पिकेन जुवांव खोशी जालो. ताणें आपलें तारूं त्या बंदरांत हाडूंक सांगलें. बंदरार पावतगीर तो देंवलो आनी गांव भोंवूंक गेलो.त्या गांवांत कोणूच दिसलो ना. एक घर लेगीत ताका दिसूंक ना. तो चलत रावलो. मागीर गांवांत चलतां चलतां एक घर दिसलें. ताणें आपली तलवार फाटल्यान धरली आनी घरांत पळयलें. एक म्हातारी उज्याक फूंक मारताली. ताणे म्हळें ''म्हातारे आजये, म्हाका उजो दी.'' तिणें ताका भितर येवंक सांगलें. तो भितर गेलो.

13. म्हातारेन आपल्या बोटांतली मुदी काडून झरयली आनी जुवांवाचेर मारूंक सोदूंक लागली. पिकेन जुवांवान तिच्या कमराक आशिल्लो चांवयां घोंस पळयलो. ती मुदी शेंवटून मारचे पयलीं पिकेन जुवांवान तिचेर तरसाद

उखल्ली आनी तुका जितीच मारतां म्हळें. मागीर ताणें तिचे कडलो चावयां घोंस घेतलो. त्यो चावयो लावन सगल्यो कुडी उकत्यो केल्यो. पळयल्यार तातूंत तरेकवार मनीस, वाग, शींव,वांशेलां, आनी हेर मोनजाती, आसली. ताणें सगल्यो कुडी उकत्यो केल्यो. म्हातारेक धमकायली आनी सगल्यांक मोनीं केल्यांत तीं परत उलोवपा सारकीं कर म्हणून सांगलें. तशें तिणें केलें. मागीर ताणें सगल्या सावजांक सोडून दिलीं. तरसादीन म्हातारेची तकली उडयली आनी येवन तिणें बंदी केल्ल्या दोनूय कुंवरांक घेवन तारवार बसलो.

14. हें पळोवन दोनय भावांची नसाय चडली. उपकार मानचे सोडून तांणी पिकेन जुवांवाचो खड्डो तासलो. ताका बोंतरां न्हेसयलीं आनी कुजनांत धाडून दिलो. तारूं वतां वतां पयस एक गांव दिसलो. तांणी तारूं बंदराक लावपाक सांगलें. बंदरार पावतगीर दोगूय भाव गांव भोंवपाक गेले. पयस एका घरांत म्हातारी दिसली. तांणी गांवांत कसली खबर म्हणून तिका विचारलें; म्हातारेन सांगलें, सात माळ्यांचेर बसल्या एक कुंवरी, तिचेर जो कोण बॉल उडयतलो ताचे कडेन ती लग्न जातली. दोगूय गेले एका पसऱ्यार. खूब बॉल आनी दोन घोडे विकते घेतले. मागीर पिकेन जुवांवाक म्हातारेसरीं दवरलो. तिका सांगलें पिकेन जुवांवाचेर नदर दवरपाक. खंयच वचपाक दिवंनाका म्हणून. तो गेलो जाल्यार म्हातारेक जिवानिशीं मारतले म्हणून. मागीर ते सात माळ्यांच्या म्हाला कडेन येवन कुंवरीच्या जनेलांतल्यान बॉल उडोवंक लागले.

15. ते दोगूय वतगीर जुवांव पिकेनान म्हातारेक सांगलें आपूण भायर भोंवून येतां म्हणून. रोखडोच परतून येतां म्हणून सांगलें. तिणें 'वता जाल्यार वच पुता' म्हळें. पूण कोणाक दिसूंनाका म्हळें. पिकेन जुवांव भायर सरलो. ताणें 'धव्या घोड्या, म्हाका पाव' म्हळें. धवो घोडो आयलो. ताणें ताका रुप्याचो पोशाख दिलो. आनी एक रुप्याचो बॉल दिलो. आपले फाटीर बसयलो आनी कुंवरेच्या जनेला कडेन आयलो. दोगांय भावांनी ताका पळयलो.रुप्याचो भेस केल्लो पळोवन ते आजापले. एका भावान म्हळें. हो पिकेन जुवांवा भशेन दिसता. तो हांगा येवंक ना मूं? दुसरो म्हणटा तो पिकेन जुवांव न्हय. हो म्हणटा हय, तो म्हणटा न्हय. हय-न्हय करतां करतां तांचें झगड्यार पडलें. हेवटेन पिकेन जुवांवान रुप्याचो बॉल जनेलांतल्यान शेंवटिलो तो सारको कुंवरेचेर वचून पडलो. पिकेन जुवांवान दाव जिखलो. जालें. शिपाय धांवत आयले ताका धरूंक. ताणें रोखडेच आपले रुप्याचे कपडे काडले, घोड्याचे फाटीर उडयले आनी ताका वच म्हळें. तो नाच्च जालो. पिकेन जुवांव एक काश्टी न्हेशिल्लो भुरगो जावन चलूंक लागलो.

शिपाय अजाप-घोडो अकस्मात अदृश्य जालो म्हण आनी परतले. पिकेन जुवांव म्हातारेसरीं आयलो. तिका सांगलें, एक मनीस रुप्याचो भेस करून कुंवरेचेर रुप्याचो बॉल उडोवन गेलो म्हणून. दोगूय भाव येवन तांणी म्हातारेक विचारलें. पिकेन जुवांव भायर गेल्लो ? तिणें ना म्हळें.

16. दुसऱ्या दिसा राजान जाहीर केलें की, जो कोण सातवे माळये वेल्ल्या जनेलांतल्यान कुंवरेचेर बॉल उडयतलो आनी मुखावेल्या म्हांलांतल्यान वतलो ताचे कडेन राजा कुंवरेचें लग्न लायतलो. तें आयकून पयलीं भशेन दोगूय कुंवर येवन बॉल उडोवपाक लागले. पूण तांचो एकूय बॉल कुंवरे मेरेन पावलो ना. पिकेन जुवांव म्हातारेक सांगून, परतो येवपाचें उतर दिवन भायर सरलो. ताणें तांबड्या घोड्याक उलो मारलो. 'तांबड्या घोड्या, म्हाका पाव' म्हळें. तांबडो घोडो भांगराचो भेस आनी भांगराचो बॉल घेवन आयलो. पिकेन जुवांवान तो भांगरा भेस चडयलो, हातांत भांगरा बॉल घेतलो आनी तांबड्या घोड्यार बसून कुंवरेच्या म्हाला सरीं पावलो. ताका पळोवन पयल्या दिसा भशेन दोगूय कुंवरहय-न्हय म्हण झगडपाक लागले. मजगतीं पिकेन जुवांवान भांगराचो बॉल कुंवरेच्या जनेलांतल्यान कुंवरेचेर उडयलो आनी जोगलावणेच्या वेगान तो त्या फुडल्या म्हालांतल्यान पासार जावन गेलो. सगलो म्हाल शिपायांनी भरिल्लो. ते ताका धरूंक रावताले. पूण तो इतले वेगान गेलो, तो तांकां दिसलोच ना. तो म्हालांतच आसा अशें धरून तांणी म्हालाचीं मुखेल दारां बंद केलीं. राजा त्या बॉल उडोवपी मनशाक मेळपाक आयलो. शिपायांनी सांगलें तो म्हालांतूच आसा. ताका सोदलो. पूण तो खंयच मेळ्ळो ना. राजाक शिपायांचो राग आयलो. ताणें तिडकी सरशीं सगल्या शिपायांक मरणाची ख्यास्त दिली. पिकेन जुवांव घरा येवन घडिल्ली सगली गजाल म्हातारेक सांगली. मात तो मनीस आपूण आसलों हें सांगलें ना. दोगूय कुंवर घरा आयले आनी तिका विचारलें, पिकेन जुवांव भायर गेल्लो काय म्हणून. तिणें सांगलें ना म्हणून.

17. तिसऱ्या दिसा पयलीं भशेन बॉल उडोवपाक दोगय कुंवर गेले. ते गेले उपरांत पिकेन जुवांव म्हातारेक सांगून भायर सरलो. ताणें काळ्या घोड्याक उलो घालो. 'काळ्या घोड्या, म्हाका पाव'. काळो घोडो वज्रांचो भेस आनी वज्रांचो बॉल घेवन आयलो. पिकेन जुवांवान तो घालो. हातांत बॉल घेवन तो वेगीं कुंवरेच्या म्हालांतल्या जनेलांतल्यान उडयलो. ताणें सदां भशेन धांव मारली पूण राजान सगल्या मार्गांचेर आपले शिपाय दवरिल्ले. तांणीं ताका धरलो आनी राजासरीं व्हेलो. राजान ताच्या माथ्यार राजमुकूट दवरलो आनी तो आपलो जांवय म्हणून जाहीर केलें. मागीर

पिकेन जुवांवान म्हातारेक रेकाद धाडून आपयली. रुप्याचो आनी भांगराचो भेस घालून बॉल उडांवपी आपुणूच आशिल्लों हें ताणें तिका सांगलें. मागीर तिका राजवाड्याची मुखेली बायल म्हणून नेमली आनी आपलें बायलेक घेवन परत घरा वचपाची तयारी करूंक लागलो. तो आपले राणयेक घेवन तारवार बसलो. दोगूय कुंवर आपल्या तारवांतल्या घरा वचूंक भायर सरले. तारूं सोडटगीर पिकेन जुवांवान आपलें बायलेक सांगलें की दोगूय कुंवर वाटेर आपणाक जिवांनिशी मारतले म्हणून. आपणाक मरण आयल्यार तूं तारवाचेर काळो बावटो हुबय.दोगूय कुंवर आपल्या तारवांतल्यान देवून गांवांत वतगीर तुज्या बोटांतली मुदी झरय आनी म्हज्या आंगार उडय. (हांव जितो जातलों). आपल्या तारवांत बसून दोगय भाव पिकेन जुवांवाक कसो सोंपोवपाचो हाची मांडणी करूंक लागले. आपूण राजा जातलों म्हणून दोगूय झगडूंक लागले. मागीर तांणी दोनूय तारवां एकठांय हाडलीं. पिकेन जुवांवाक खेळ खेळुंया म्हणून सांगलें. पयलीं ते कार्तांनी खेळ्ळे. त्या खेळांत पिकेन जुवांव जिखलो. मागीर ताबुलफळ्यांनी खेळ्ळे. तातुंतूय पिकेन जुवांव जिखलो. मागीर तांणी तलवारींचो खेळ काडलो. तलवारींनी खेळटां खेळटां पिकेन जुवांव मेलो.

18. जुवांव मरतगीर ते दोगूय कुंवर खोशी जावन आपल्या तारवान परते गांवांत गेले. जुवांवाचे बायलेन तिका सांगिल्लें तशें केलें. काळो बावटो तारवार लावपाक सांगलो. तारूं राजाच्या बंदरांत पावतगीर काळो बावटो पळोवन पातशा दुख्खी जालो. ताणें आपली पालास काळ्या रंगान रंगोवपाक सांगली सगलें प्रजेक काळो भेस घालपाक सांगलें. ते दोगूय भाव खोशी जावन बेगीं बेगीं घरा गेले. ते वतगीर पिकेन जुवांवान सांगिल्लें तशें ताचे राणयेन केलें. आपली मुदी झरोवन ताचेर उडयली. जुवांव पिकेन जितो जालो. मागीर ताणें आपल्या तारवार तांबडो बावटो हुबयलो.

तांबडो बावटो पळोवन पातशा खुशालभरीत जालो. ताणें आपली पालास पयलीं भशेन पिंतारपाक सांगलें आनी राज्यांतल्या व्हड व्हड लोकां खातीर एक बांकेत दिवपाचें थारावन सगल्यांक आपयलें. जेवण दिलें. त्या दिसा राणयेन पातशा कडेन मागलें कीं, आनी एक व्हडली बॅंक्वेट दिवपा खातीर. राजान दुसरी बॅंक्वेट दिली. त्या दिसा राणयेन पिकेन जुवांव हो आपणालोच धाकलो पूत म्हणून जाहीर केलें. राजाक तिसरो पूत नाका आसलो म्हणून आपणें आपल्या पुताक प्रधानाचे बायलेसरीं धाडून वाडयलो. तें आयकून राजा भोव खोशी जालो. आनी आपणा फाटल्यान तो राजा जातलो अशें जाहीर केलें.

पिकेन जुवांवान राजा कडेन आनीक एक जेवणावळ घालपाक मागलें. ते जेवणावळी दिसा पिकेन जुवांवान आपल्या भावांनी आपणाक कसो त्रास दिलो, जितो मारलो आनी आपूण कसो वाटावलों, (जितो जालों) तें समस्तांक सांगलें. राजान आपल्या दोनूय पुतांक जिवानिशीं मारपाची ख्यास्त फर्मायली. पूण जुवांवान तशें जावंक दिलें ना. राजाक सांगलें तांचो वांटो तांकां दी. तांका बरे भशेन रावूंदी. राजान तशें केलें. मागीर ते आपलो वांटो घेवन गेले. राजा मरतगीर पिकेन जुवांव राजा जालो आनी ताणें सुखान राज्य केलें.

तळटिपो :-

1- आल्बर्ट रिबेलो (13 वर्सां) हाणें कोंकणींतल्यान सांगली आनी कोंकणी तेचें प्रमाण पुर्तुगेजींत मीस गोमिश हिणें बरोवन काडली.

हे काणयेंतले दोन प्रसंग हेर काणयांतले भशेन आसात. बाग राखप आनी राजकन्ये कडेन लग्न जावपा खातीरची अट हे ते दोन प्रसंग. हे नॉर्स काणयांशीं साम्य दाखयतात. "प्रिंसेस ऑफ ध ग्लास हिल" (डेसण्ट, पॉप्युलर टेल्स फ्रॉम द नॉर्स, 1859, पृ. 89-103). बॉल उडोवप आनी भावांची नसाय ही घडणूक कोलकाताचे काणयेंत मेळटा. (स्टोक्स, "ध मंकी प्रिन्स"- पृ. 41-50) सिंहली काणयेंत (पारकर क्र. 3: 365-366) "कोंटा" (वा "मोटवो") राजाचीं फुलां खुटपी राजकन्येची चोरी धरता.ते खातीर तांचे फाटोफाट तांच्या राज्या मेरेन वता आनी तिच्या बापायच्यो अटी वांगडच्या जनावरांच्या पालवान पूर्ण करता. काबु वेर्दाचे काणयेंत (पार्सन्स पृ. 164-170) नायक उलोवपी घोड्याचेर अदृश्यपणीं बसता, ताच्या मोगांत पडिल्ले राजकन्येक तो आपली वळख दाखयता. राजाचें कुड्डेपण पयस करता, अदृश्यपणान राजा खातीर लडाय करता आनी निमाणें आपली वळख दाखयता. थोडे फरक आशिल्ले काणयेंत (167-169), तो स्वता राजाचे तीन सलग कुडींतलें फर्निचर मोडून उडयता, मागीर तीन उलोवपी घोड्यांचेर जैत मेळयता, राजकन्येचें मन जिखता आनी थंय आशिल्ल्या तांब्याच्या, रुप्याच्या आनी भांगराच्या घोड्यांचेर बसून वता. "द ग्लास प्रिंसेस" हे सिंहली काणयेंत (पारकर क्र. 1, पृ. 57-66) धाकलो राजपुत्र राजकन्ये वांगडा तिचे म्हालांत तीन राती घालयता. तिसरे रातीं जागी रावपा खातीर आपल्या बोटाक तोपून घेता. ती राजपुत्राचो मोग करता. आपलो हात मेळोवपा खातीर आशिल्ल्यो अटी कश्यो पूर्ण करच्यो तें ती राजपुत्राक शिकयता. तो एका नागाक बरो करता आनी ताचे इश्टागतीन गिरेस्त जाता. दुस्वाशी भाव आनी राजा ताका जितो मारूंक सोदतात. राजकन्या एके घोडयेचें रूप घेवन राजपुत्राची सुटका करता. पळयात "लिटल जॉन" इंडियन एण्टिक्वेरी, भाग-16 (1887), पृ. 327.

2. बोट कापून रात जागोवप ह्या प्रसंगा खातीर पळयात - स्टोक्स, 174; पारकर क्र. 163;फॅसलर, 163.

◆ ◆ ◆

3. मोतेस आनी एदुआर्द[1]

1. मोतेस आनी एदुआर्द हे दोग जाण इश्ट आसले. तांणी एक दीस देशांतराक वचपाचें थारायलें. खंय वचपाचें तें थारल्लें नाशिल्लें. पूण आपल्या गांवां भायर देशांतराक वचप अशें थारावन ते दोगूय भायर सरले. चलतां चलतां रात जाली. थंय तांकां एक खोंप दिसली. ते खोंपींत ते दोगूय जाण न्हिदले. एदुआर्द रोखडोच न्हिदून पडलो. मोतेसाक न्हीद येना म्हणून तो तळमळूंक लागलो. बरे रातीं थंय एक सोबीत चेडूं आयलें आनी तांकां दोगांकूय बारीकसाणीन पळोवंक लागलें. मोतेस हांसऱ्या तोंडाचो आनी एदुआर्द रागीट मुखामळाचो ताका दिसलो. त्या चेडवान आपल्या बोटाची मुदी काडून मोतेसाच्या बोटाक घाली आनी भायर सरुन गेलें. सकाळीं उठून मोतेसान आपल्या बोटांत मुदी पळयली. ते मुदयेर कितें बरयिल्लेंशें दिसलें, म्हणून तो तें वाचपाचो यत्न करूंक लागलो. एदुआर्दान मोतेसाक विचारलें, "तें कितें?". मोतेसान म्हळें "हांव नकळ." मागीर दोगूय जाणांनी यत्न करून करून मुदयेर बरयिल्लें तें वाचलें, "म्हाका सोदूंक यो."
2. ते फुडें चलूंक लागले. वाटेर एक म्हातारो मेळ्ळो. ताका तांणीं विचारलें, "तूं हांगा कितें करता?" तो म्हणूंक लागलो, "बसलां." त्या म्हाताऱ्याचे केंस वाडिल्ले. लांब जाल्ले. तांणी म्हाताऱ्याक म्हळें, "आमी तुजे केंस कातरतां."'ताणें म्हळें "कातरात."
3. म्हाताऱ्यान तांकां सांगलें, "तुमी हे वाटेन वचूंनाकात." तांणी विचारलें, "कित्याक?" "तुमकां रात जातगीर एक घर मेळटलें. त्या घरांत खूबशे

लोक रावतात. ते जुगार खेळटात आनी संगिताच्या तालार नाच करतात. त्या घरांत गेल्लो मनीस परत भायर सरना." ते म्हणूंक लागले, "आमी तेच वाटेन वतले." म्हाताऱ्यान सांगलें, "वतात जाल्यार चलात. पूण त्या घरांत भितर सरूं नाकात. त्या घराचे कुशीक एक गोबरान भरिल्ली खोंप आसा. ते खोंपींत वचून न्हिदात."

4. मोतेसान आनी एदुआर्दान त्या म्हाताऱ्याक थोडे दुडू दिले आनी ते फुडें चलूंक लागले. रात जातगीर म्हाताऱ्यान सांगिल्लें तशें तांणी एक व्हडलें घर पळयलें. त्या घरांत दिव्यांचो झगझग आशिल्लो आनी खूब लोक थंय वावुरताले. ते दोगूय जाण लागींचे खोंपींत गेले. एदुआर्द म्हणूंक लागलो, "हांव नाच पळोवंक त्या घरांत वतां आनी रोखडोच येतां." मोतेसान सांगलें, "तूं वचूंनाका एदुआर्द. याद कर त्या म्हाताऱ्याचीं उतरां." ताणें आयकलें ना. एदुआर्द भितर वचून कितलोसो वेळ नाचलो. मागीर खेळूंक लागलो. खेळांत सगले दुडू काबार केले आनी उदारी जाल्ल्यान प्रेजांवात पडलो.

5. मोतेस खोंपींत न्हिदलो खरो, पूण ताका न्हीद येना जाली. बरे रातीर थंय एक राकेस आयलो आनी सगले कडेन कितें तरी सोदूंक लागलो. मोतेसाचो हात ताच्या हाताक लागलो. पूण राकेसाक तें कळ्ळेंना. तो सोदून थांबलो आनी ताणें थंयची एक बडी काडून थंयच्या फातरार मारली. तेन्ना थंय एक सोबीत कुंवरी प्रगट जाली. ती ताची धूव आसली. राकेसान कुंवरेक म्हळें, "हांगा म्हाका मनशाचो वास येता. कोण पावलो हांगा?" कुंवरेन मोतेसाक पळयिल्लो. पूण बापायक तिणें सांगलें "तुका म्हज्या तोंडाचो वास येता." मागीर राकेसान परतून एके फावटीं बडी फातरार आपटिली आनी ती कुंवरी अदृश्य जाली.मागीर राकेस थंयच्यान गेलो.

6. राकेसान केल्लें तें मोतेसान पळयिल्लें. ताणें तशीच बडी काडून फातरार आपटिली. थंय रोखडीच कुंवरी प्रगट जाली. तिका ताणें आपल्या बोटांतली मुदी दाखयली आनी वाटे वयल्या खोंपींत घडिल्ली सोबीत चेडवाची गजाल सांगली. मागीर ताणें त्या सोबीत चेडवा कडेन कशें वचपाचें तें तिका विचारलें. तिणें ताका सांगलें, "फुडल्या गांवांत एक व्हडलो राजम्हाल आसा. त्या राजम्हालाक आसात सात दारां. तीं दारां राकेस राखतात. त्या राकेसां मदीं त्या चेडवाचोय बापूय आसा. तो आसा एक बाळिश्ट राकेस. तें चेडूं म्हळ्यार एक सुंदर कुंवरी. तें आसा सात दरवट्यां भितर. तिचेसरीं वचप भोव कठीण. "मागीर थंय कशें वचप तर? कांयच उपाय ना?" मोतेसान तिका विचारलें. "तूं वतलोच जाल्यार अशें

कर. सात साक कणयो आनी खूबशीं तांतयां घे. दर एक दरवट्याचेर एक साक कणयो आनी तांतयां उडय. ते राकेस त्यो कणयो आनी तांतयां खावंक लागतले. तुका पळोवचे लेगीत ना. तेन्ना तूं भितर वच.ताणें हातांतली बडी फातरार मारली आनी ती कुंवरी अदृश्य जाली. ताणें सात साक तांतयां आनी कणयो घेतल्यो. एक घोडो घेतलो. ताचे फाटीर सगलें घालें आनी लागलो चलूंक.

7. दीस उजवाडटना मोतेस त्या गांवांत पावलो. ताणें व्हडलो राजम्हाल पळयलो. तो एकेका दरवट्याचेर साक उडयत गेलो. भियेलो ना. राकेस तातयां-कणयो खावंक पडले आनी तो भितर गेल्लो तांकां दिसलो ना. तो भितर पावलो तेन्ना ताका ती सोबीत कुंवरी दिसली. ताणें तिका आपली मुदी दाखयली. तीणें मुदी वळखली आनी मोतेसाक आपणासरीं बसपाक लायलो. तातयां-कणयो खावन जातगीर तांणी मोतेसाक कुंवरी लागीं खेट्रून बशिल्लो पळयलो आनी ते सगले जाण ताका खावंक येवंक लागले. कुंवरीक सांगूक लागले ताका भायर धाडून दी म्हणून. कुंवरेन म्हळें, "ना धाडिना हांव ताका भायर. तो भितर आयलो तेन्ना तुमी सगले खंय आसले?"

8. मागीर कुंवरेचो बापूय राकेस थंय आयलो. ताणें मोतेसाक विचारलें, "तूं कुंवरे कडेन लग्न जातलो?" मोतेसान म्हळें, "हय." राकेस मोतेसाक सांगूंक लागलो, "म्हजे कुंवरेक पांचशीं कुंवऱ्यां मदीं दवरतलों. तिका तुवें सारकें सोदून काडली जाल्यार तुका तिचे कडेन लग्न जावंक मेळटलें. ना जाल्यार आमी राकेस तुका खातले. हें मान्य आसल्यार तीन दिसांनी परतो यो." अशें सांगलें आनी राकेस गेलो. राकेस वतगीर कुंवरीन मोतेसाक सांगलें, "हांव त्या दिसा म्हज्या तोंडांत एक पीन दवरतलें. म्हाका सारकें पळय आनी मागीर खांदार हात घाल." मोतेस गेलो आनी तीन दिसांनी परतो आयलो. राकेसान एक सारक्यो दिसपी पांचशीं कुंवऱ्यो हाडल्यो आनी मोतेसाक आपले कुंवरेक वेंचून काडूंक सांगलें. मोतेसान बारीकसाणीन सगल्या कुंवऱ्यांक पळयल्यो आनी तोंडांत पीन दवरिल्ले कुवरेच्या खांदार हात घालून तिका भायर हाडली.

9. मागीर तांचें लग्न जालें. लग्न जातगीर ताणें सगल्या राकेसांक वावराक धाडले. उपरांत ताका एदुआर्दाचो उगडास जालो. ताणें आपले बायलेक सांगलें, आपले वांगडा एक इश्ट आयिल्लो. तो फाटल्यान उरलो. ताचे खबरेक आपूण वतां. तिणें ताका खूब पयशे दिवन इश्टाच्या सोदाक

धाडलो. तो घोड्यार बसलो आनी एदुआर्दाक सोदीत त्या गांवांत पावलो तेन्ना रात जाली. तो त्या घरांत भितर सरलो आनी ताणें एदुआर्द खंय आसा अशें थंयच्या लोकांक विचारलें. ताणीं सांगलें, तो आसा पूण दुडू फारीक केले बगर ताका भायर सरूंक मेळचेंना. ताणें कितले पयशे दिवपाक जाय तें विचारलें. तांणी सांगिल्ले तितले पयशे मोतेसान फारीक केले आनी एदुआर्दाक भायर काडलो. दोगूय एकाच घोड्यार बसून परते कुंवरे लागीं येवपाक भायर सरले.

10. वाटेर मोतेसान आपणा विशीं घडिल्ल्यो सगल्यो गजाली मुदयेची, कुंवरेची, बी, एदुआर्दाक सांगल्यो. एदुआर्दाक मोतेसाची सामकी नसाय जाली- आनी ताणें थंयच ताका मारून उडयलो. मागीर मोतेसाची मुस्तायकी आपणें चडयली आनी आपले कपडे ताच्या आंगार उडोवन तो कुंवरेशीं पावलो. ताका दिशिल्लें कुंवरेक कळचेंना आपूण एदुआर्द म्हणून. तिणें एदुआर्दाक पळयना फुडें विचारलें, ''मोतेस खंय आसा?'' ''येता फाटी तो'' एदुआर्दान म्हळें. तिणें वाट पळय पळय पळयली आनी दोग राकेसांक घेवन ती ताका सोदीत गेली. खूब वेळ ते चलत गेले तेन्ना तांकां मोतेसाचें प्रेत मेळ्ळें. तिणें एक मुदी झरयली आनी ताचेर उडयली. तो जितो जालो. तिणें ताका घडिल्ली खबर विचारली. मोतेस सांगिना जालो. तिणें परतून परतून विचारतगीर ताणें घडिल्लें तें सगलें सांगलें. तीं दोगांय घरा आयलीं. तिणें एदुआर्दाक आपयलो आनी थंयच ताका मारून उडयलो. मागीर तीं सुखान जीण जियेलीं.

तळटिपो :-

1- ही काणी दुमिंगुश बार्रेत (पिराय 14 वर्सां) हाणें कोंकणींत सांगली. ती कोंकणींत आनी पुर्तुगेजींत मिस गोमिश हिणें बरोवन काडली. ही पूर्व कडली काणी. ग्रीम- 60 मदले ''द टू ब्रदर्स'' हे काणये कडेन तिचो सामको पयसुल्लो संबंद दिसता. काणयेचो पयलो वांटो बंगाली काणये भशेन (डे, 187-194) दिसता; आनी ''बकावली फूल'' काणयेंतलो जुगार खेळपाचो प्रसंग लेगीत पळयात. फातराचेर बडी मारून राजकन्या प्रकट जावपाचो प्रकार डे, 81-86, 224-225, 251-254 पळयात. खूब बायलां मदल्यान राजकन्येक ज्युस्त वळखून काडपा संबंदान ह्या संग्रहांतली चौवथी काणी पळयात आनी पार्सन्स, 145; थॉम्सन्साचें टायप्स, 554 (ग्रेटफुल एनिमल्स) खख. इंडियन नुडल स्टॉरीस (पारकर, क्र. 3: 272-284, 285-291) चो आरंब हेंच काणये भशेन जाता.

◆ ◆ ◆

4. राजालो पूत आनी उडटी राणी[1]

एक राजा आशिल्लो. ताका सात पूत आशिल्ले. तांकां राजा शाळेंत शिकूंक धाडटालो. पूण ते शाळेंत वचून शिकप करपाचें सोडून वाटेर खेळत रावताले. जेन्ना शाळा सुट्टाली तेन्ना ते घरा येताले. राजाच्या कानार ही गजाल पावली. एक दीस ताणें आपल्या हातांत आठ सरपळ्यो आनी एक चाबूक घेतलें. ताणें आपल्या व्हडल्या पुताक आपयलो आनी विचारलें, "तूं सगळ्यां परस चड कोणाक भियेता?" पुतान सांगलें, "तुका, हांव म्हज्या बापायक चड भियेतां." ताणें एका फाटोफाट एक करीत सात पुतांक तशेंच विचारलें. स पुतांनी जाप दिली, आपूण सगल्यां परस चड भियेतां तो आपल्या बापायक म्हणून. सातव्या पुताक ताणें तो प्रस्न विचारलो तेन्ना ताणें सांगलें, आपूण पयलीं देवाक भियेतां, मागीर आपल्या बापायक आनी उपरांत आपले आवयक. तें आयतगीर राजा रागार जालो. ताका तो आपलो अपमान दिसलो. रागासरशीं ताणें सातव्या पुताक आठखेंपे चाबकान मारलो. मागीर आपल्या स पुतांक घेवन तो घरा गेलो. सातवो पूत घरा कसो वतलो? तो वाट चलूंक लागलो. चलतां चलतां रात जाली. तेन्ना तो एका म्हातारेच्या घरा कडेन पावलो. तिणें ताका जेवण वाडलें. तो तें जेवलो आनी थंय न्हिदलो. सकाळीं उठना फुडें म्हातारेन ताका आपलीं बोकडां चरोवंक घेवन वच म्हणून सांगलें. तिणें ताका आपलीं बोकडां आपले बागेच्या भायर वचूंक दिवंनाक म्हणून शिटकायलो. पयल्या दिसा बोकडां बागेंत सवकासायेन चरलीं. दुसऱ्या दिसा ताणें आपणाकूच प्रस्न केलो, हांवें म्हातारेचें कित्याक आयकूंक जाय? मागीर तो बोकडांक घेवन बागे भायर गेलो. बाग हुपून वतगीर बोकडां

जळामळा धांवली. एकूय बोकड ताच्या हाताक सापडलेंना. आतां कितें करतोलो म्हणून तो एका रुखा पोंदा आडवो जालो.

थंय लागीच एक तळें आशिल्लें. थंय दोगी सुंदर कुंवऱ्यो न्हावंक आयिल्ल्यो. तांचो पोशाक म्हळ्यार तांकां उडून वचपा सारकीं पांखां आशिल्लीं. जेन्ना तीं तो पोशाक घालतालीं तेन्ना तांकां उडत वचपाक जमतालें. राजाचो तो सातवो पूत हळूच उठलो आनी तांणी दवरिल्लो पोशाक घेवन धांव मारली. तो धांवता तें पळोवन तळ्यांत न्हावपी दोगांनीय ताका उलो मारलो. म्हळें, "फाटल्यान पळय, फाटल्यान पळय." ताणें फाटल्यान पळयलें. मात त्याच खिणाक तांचो पोशाक ताच्या हातांतल्यान सुटून परत तांचेसरीं पावलो. तो पळयत रावलो. अशें कशें जालें म्हणून तो अजापलो. मागीर ताका कळ्ळें की त्यो सुंदर कुंवरी म्हळ्यार दोन चेटकिणी. तांच्या हातांत पोशाक पडलो मात, तीं दोगांय उडत गेलीं. तो घरा आयलो. घडिल्ली गजाल म्हातारेक सांगली. तिका सांगलें,"तूं भियेवं नाका. तुजीं सगलीं बोकडां हांव फाल्यां दिसा तुजे कडेन हाडून रुजू करतलों."

दुसऱ्या दिसा सकाळीं उठून तो कालच्या तळ्या कडेन गेलो आनी रुखा मुळा न्हिदलो. थोड्या वेळान त्यो राजकुंवऱ्यो कश्यो दिसपी कालच्यो दोगीय जाणी उडतउडत थंय आयल्यो. तांणी आपलो पोशाक देंवयलो. आनी तीं तळ्यांत न्हावपाक लागलीं. ती संद घेवन राजाल्या सातव्या पुतान तांचे पोशाक उखल्ले आनी लागलो धांवूक. दोगीय कुंवऱ्यांनी ताका धांवता तो पळयलो. ताका सांगलें "रावराव, फाटल्यान पळय." पूण तो रावलो ना. ताणें फाटल्यान पळयलें ना. धांवत धांवत घरा कडेन आयलो. भितरले कुडीची जमीन शेण काडिल्ली आशिल्ली. ती खणून ताणें एक फोंडकूल मारलें. एका ल्हान पेटाऱ्यांत ते पोशाक घाले. पेटारो बंद करून ताणें त्या फोंडकुलांत पुरून सोडलो. दुबाव येवंचो न्हय म्हणून ताणें थंय परत शेण काडून जमीन आशिल्ली तशी केली. ताचे फाटीक लागिल्ली एक कुंवरी वाट काडीत काडीत म्हातारेच्या घरा पावली. तिणें म्हातारेक उलो मारलो. ते कुंवरीच्या आंगार वस्त्र ना हें पळोवन म्हातारेन तिका थंय जमनीर पडिल्लें वस्त्र न्हेसपाक सांगलें. ती तें न्हेसली. मागीर तिणें ताका पळयलो. ती लजली. दोगांयची दृश्टभेट जाली आनी तीं दोगांय लग्न जालीं.

त्या राज्यांतल्या राजाक मर्ण आयलें. मागीर नव्या राजाचो सोद घेवपा खातीर हतयाक राजमुकुट घेवन धाडलो. हती आयलो आनी ह्या सातव्या पुताच्या माथ्यार मुकुट घालो. पूण थंय आशिल्ले लोक म्हणूंक लागले, तो राजा जावंक पात्र ना. मागीर त्या हतयाक मारून उडयलो.[2] दुसरो हती फुडल्या राजाच्या सोदाक धाडलो. येवन ताणेंय त्याच पुताच्या माथ्याक मुकुट घालो. लोकांक मानवलें ना. रागान तांणी

दुसऱ्या हतयाकय मारून उडयलो. तिसरो हती सोद घेवपाक सोडलो. पूण त्या तिसऱ्या हतयान पुता लार्गीच येवन ताच्याच माथ्यार मुकूट घालो. आतां ताचें राजेपण कोणाच्यान न्हयकारूं नजं जालें. तो राजा जालो. ते खोसये खातीर राजान सगल्या लोकां खातीर जेवणावळ घाली.हे जेवणावळींत एक थरावीक मनीस आयल्यार ताका आपणा कडेन धाडून दिवचो असो आदेश ताणें दिलो. निमाणें तो मनीस आयलो. पळयल्यार तो त्या सातव्या पुताचो म्हळ्यार आतां जाल्ल्या राजाचो बापूय, पयलींचो दुसऱ्या राज्याचो राजा आसलो. ताणें त्या आयिल्ल्या मनशाक विचारलें, ''तुजे पूत कितले जाण?'' ताणें जाप दिली, ''सात जाण. पूण तांतल्या एकल्याक हांवें धांवडायलो.'' मागीर ताचें फाटलें कारणूय ताणें सांगलें.

जेवणावळ सोपले उपरांत ते शतपावली करपाक भायर सरले. वाड्यांत राणी एकलीच आशिल्ली. म्हातारी अकस्मात मेली. ती संद सादून राणयेन आपल्या घोवान लिपोवन दवरिल्लो आपलो पोशाक सोदून काडलो. आंगार चडयलो आनी ती उडत गेली. वच्चे पयलीं तिणें दाराचेर बरोवन दवरलें, ''तूं जर म्हजो खरो घोव आसशी जाल्यार म्हाका सोदूंक येतलो आनी सोदून काडटलो.'' तो घरा येतगीर ताणें तें वाचलें आनी सामको बेजार जालो. आपल्या घोड्यार बसलो, वांगडा खूब दुडू घेतले आनी घोडो धांवडायलो. वाटेर आशिल्ले शेतोडेंत कांय कामगार बेब्यांक मारताले. ताणें तांकां दुडू वांटले आनी बेब्यांचेर आयिल्लें संकट थांबयलें. मागीर सगले बेबे ताचे फाटल्यान वचपाक लागले. कांय वाट हुपले उपरांत वाटेर कांय लोक मुंगुसांक मारतात तें ताणें पळयलें. ताणे लोकांक जाय तितले पयशे दिले आनी मुंगुसांक मारप थांबयलें. मागीर सगलीं मुंगुसां ताचे फाटोफाट चलूंक लागलीं. फुडें वतगीर तो खारव्यांच्या वाड्यार पावलो. थंय सुक्या नुस्त्याचेर बसपी मुसांक सगले लोक मेळून मारताले तें ताणें पळयलें. ताणें तांकां फावो ते दुडू दिवन मुसांची सुटका केली. मुसांक ताणें सांगलें, आपूण उलो मारतलों तेन्ना येयात.

निमाणें तो ते पळून गेल्ले राणयेच्या राजवाड्यांत पावलो. रात जाल्ली. ताणें वचून पळयल्यार दार बंद आशिल्लें. सकाळीं फुडें थंयच्या नोकरांनी ताका एका म्हालांत व्हेलो. थंय दोग राजकुंवऱ्यो बशिल्ल्यो. दोगूय सामक्यो एकसारक्यो दिसताल्यो. तांणी सांगलें ''ह्या दोन भयणींतल्यान तुजी खरी राणी कोण, ती तूं सोदून काड.'' तेच बाराबर तांणी ताका कांय अटी घाल्यो. तांणी सांगलें राणयांच्या शेजारची कूड उदकान पूर्ण भरूंक जाय. ती लेगीत एका दिसा भितर. ताणें रोखडेंच आपल्या वांगडच्या बेब्यांक सांगलें, कूड पाणयान भरात म्हणून. मागीर ताची खरी राणी कोण तें वळख म्हणून सांगलें. ताणें मुसांक उलो घालो. ते आयले आनी खरे राणये भोवंतणीं नाचूंक लागले. मागीर त्या लोकांनी सांगलें,

तुज्या घरा मेरेन वचपा खातीर भुंयार खण म्हणून. तेन्ना तांणें मुंगुसांक विनयलें. तांणी भुयार खणलें. मागीर त्या भुंयारांतल्यान भायर सरून राजा आनी राणी विमानांत बसून वचूंक लागलीं. तिणें आपले भयणीक सादो निरोप लेगीत दिलो ना. तें येवजून तिचे भयणीक संताप भरलो. त्या संतापा सरशीं तिणें एकाच फटक्यान राजा-राणयेक मारून उडयलीं.

तळटिपो :-

1- ही काणी एका नोकरान आर्नोल्ड दुश रेयश क्रूज हाका कोंकणींतल्यान सांगली. मिस गोमिशान ती पुर्तुगेजींत बरोवन काडली आनी मिस द कुन्यान इंग्लीशींत अणकारली.

ही हंस सुकण्या भशेन उडपी कन्येची काणी कोलकाताच्या ''फॅन प्रिन्स'' (स्टोक्स, 193-200) हे काणये भशेन मातशी दिसता. ते काणयेंत तीन भयणीं मदले धाकले कन्येक राजाक दिवपा बदला देवा खातीर सोडिल्ली आसता. पूण तिका तिचो बापूय जेवणखाण दिता आनी तिचे स्वतंत्र इत्साशक्ती विशीं तिच्या मनात आत्मविस्वास निर्माण करता. जेन्ना ती जादवाचो आयणो हालयता तिका मेळूंक राजपुत्र येता. ताचे लागीं ती लग्न जाता. तिच्यो मत्सरी भयणी ताच्या पलंगार कंवच्यो घालून ताका जखमी करतात. तिका सवण्यांची भास कळटा. ताका लागून आपल्या जखमी घोवाक कसो बरो करप तें तिका कळटा. मागीर ती एका जोगयाचें रूप घेवन त्या राजपुत्राच्या पयसुल्ल्या राज्यांत पावता. जखमी राजपुत्राक निवळायता आनी मागीर जादवाच्या आयण्या वरवीं ताका आपणाल्या म्हालांत परत हाडटा.

''ना, मी, अँड ब्लू लोटस प्रिन्सेस'' (पारकर क्र. 2:309-329) हे सिंहली काणयेंतले तीन पाठभेद पणजेंतले हे काणयेंत दिसतात. पूण सामके संदिग्ध. सिंहली काणयेंत धाकल्या राजपुत्राची जाप आयकून राजा सामको संतापता आनी तो पुताक मारपाचो आदेश दिता. ताका मारून उडोवपा खातीर धाडिल्ल्या त्या मनशाचे दयेक लागून तो जिवो उरता. भोंव भोंव भोंवता. तीन राजकन्या मेळयता. घाल्ल्यो अटी पूर्ण करता. युक्ती करून आपल्या राज्याच्या शत्रूक मारून उडयता. मागीर हती येवन ताचे मुखार दिमी मारता आनी तो सार्वभौम राजा जाता.

व्रत पुराय करपा खतीर चिली, 53-57 तुळा करची. तातूंत एक व्हडली गाठायिल्ली काणी आस्मा. ते काणयेंत सात राजपुत्रां मदलो एकलो माकड-परीकडेन लग्न जाता. तिची कात लास्ता. तिचे फाटल्यान तिच्या बापायच्या नगरा मेरेन वता. थंयच्यान मागीर एके ''उडते गाडयेंत'' बसून तीं परत येतात.पारकर, क्र. 1: 291-296 आनी क्र. 3: 359-362. एका प्रसंगात एक अनवळखी बायल आपल्या आंगावेले कपडे काडून व्हंकलेक भायर काडटा. त्यावेळार तिका तिचो इश्ट काजुल्याची मदत मेळटा. स्टोक्स, 6; शिपनर, 53-74, आनी हंसकन्ये विशींच्यो खूबश्यो भारतीय देखी पळोवच्यो.

2- हतयाच्या प्रसंगा संदर्भांत पळयात- डे, 99, स्टील, 131-133; बॉम्पास, 184, 239; पारकर क्र. 1: 65, 81 ; क्र. 2: 48-49, 52-53, 59, 225; क्र. 3: 381. तिबेटचें फोकलोर 42: 457-458 पळोवचें. जल्मा विशींच्या बौद्ध काणयांनी राजान धाडिल्ले वाहन उत्तराधिकारी जावपी मनशा मुखार येवन थांबता. कॉवेलाच्या इंग्लीश अणकारांतल्यो जातककथा पळयात-378, 445,539.

5. ताल्लो-मनीस आनी सवतीचें चेडूं[1]

एक चेडूं आसलें. तें ल्हान आसतनाच ताची आवय मेली. मागीर बापूय दुसरे खेपे लग्न जालो. तांगेर आनीक एक चेडूं जालें. दोगीय भयणी वांगडाच ल्हानाच्यो व्हड जाल्यो. पूण आवय नाशिल्ल्या चेडवाक सवती आवय खूब वायट वागयताली. तें पळोवन तिची धूव लेगीत आपले आवय भशेनूच त्या चेडवाक वागयताली. चेडवाक खूब काम करूंक लायताली. भुरग्यांनी करूंक फावोना तसलीं कामां करूंक लायताली. तें चेडूं मनांतल्यान खंती जातालें. दरेक दीस ताचे खातीर नवें कठीण काम घेवन उदेतालो.

एक दीस सवती आवयन चेडवाच्या हातांत एक पेलो दिलो. तो पेलो भरून समुद्राचो फेणर घेवन यो अशें तिणें फरमायलें.[2] दर्याचो फेस हातांत मेळप कठीण. मेळ्ळोच जाल्यार तिगून रावप कठीण. चेडूं तो पेलो घेवन वेळेर गेलें. थंय पळय जाल्यार एक मनीस फडफडीत ताल्ले घेवन वतालो. ताचे कडेन त्या चेडवान एक ताल्लो मागलो. ताणें तो भोव खोसयेन ताका दिलो. तो घेवन तें घरा आयलें. तो भाजून खावपाची मांडणी करीत आयलें. पूण घरा येतगीर ताका आवयन खूब कामां सांगलीं. तातूं मदीं तें ताल्लो भाजपाचें विसल्लें. मागीर याद जातगीर तें ताल्लो घेवन बांयचेर गेलें. थंय ताल्लो धुयतां धुयतां हातांतल्यान निसरलो आनी बांयंत पडलो. तें रडूंक लागलें. आपणाल्या नशिबाक दोश दिवंक लागलें. इतले भितर ते बांयंतल्यान एक ऊंच मनीस भायर आयलो. ताणें त्या चेडवाक कित्याक रडटा काय म्हणून विचारलें. त्या चेडवान आपली जिविताची काणी ताका सांगली. त्या मनशान चेडवाक समजायलें. ताका शांत केलें. मागीर ताणें आपूण

ताल्ल्याचो मनीस जालां म्हणून सांगलें. "तुवें बांयंत उडयिल्ल्या ताल्ल्याचो मनीस हांव. तुजे म्हजेर उपकार जाले. आतां तुका कसलीय अडचण आसत जाल्यार म्हाका उलो मार. हांव तुजे सेवेक धांवून येतलों." ताणें म्हळें आनी तो बांयंत उडी मारून गेलो.[3]

कांय दिसां उपरांत आवयन चेडवाक आपयलें. तिणें ताका सांगलें, थंयच्या राजकुंवरा खातीर व्हंकल सोदपाचें काम सुरू जालां. व्हंकलेक वेंचून काडपा खातीर एक संगीत - नाचाची कार्यावळ पालाशींत दवरल्या. ते कार्यावळीक आपूण आनी आपली धूव वतलीं. पूण ह्या चेडवान आपल्या बापायक घेवन थंय वचपाचें ना.आयकून तें चेडूं खूब दुख्खी जालें. थारिल्ले प्रमाण आवय आनी धूव कार्यावळीक गेलीं.चेडूं बायचे लागीं गेलें आनी ताणें ताल्ल्या मनशाक उलो मारलो. खिणाभितर तो आयलो. आपणाक व्हंकल वेंचणुकेचे कार्यावळीक वचपाची इत्सा आसा हें चेडवान ताका सांगलें. ताल्ल्या मनशान ताका बेगोबेग एक भांगरान भरिल्लो पोशाक आनी रत्नांचो हार दिलो. कार्यावळीक वचून दीस उजवाडचे पयलीं परतें घरा येवपाक सांगलें. जेन्ना तें हॉलांत पावलें तेन्ना ताची सुंदरकाय आनी भांगरान शिरंगारिल्लो पोशाक पळोवन सगले अजापले. सगल्यो नदरो ताचे कडेन थिरावल्यो. राजकुंवर ताच्या मोगांत पडलो. रातभर तो ताचेच वांगडा नाच करीत रावलो. आतां फांतोड जायत आयली. तरी कुंवर ताका सोडपाक तयार नासलो. मागीर चेडवान आपल्या गळ्यांतलो रत्नहार तोडलो. सगलीं रत्नां जळामळा फाफसलीं. हॉलभर जालीं. सगलो बोवाळ जालो. ती संद पळोवन तें राजकुंवराचे वेंगेंतल्यान सुटलें आनी घरा पावलें. ते गडबडींत त्या चेडवाची एक भांगराची व्हाण राजकुंवराक सापडली. तिसऱ्या दिसा तांणें आपल्या शिपायांक ते सुंदर कुंवरीक सोदून हाडपाक सांगलें. जोखा खातीर म्हणून आपणाक मेळिल्ली ती भांगराची व्हाण तांचे कडेन दिली. शिपायांनी सगलीं घरां सोदलीं. सोदतां सोदतां त्या चेडवाच्या घरा शिपाय पावले. तें पळोवन बेगि-बेगीन आवयन चेडवाक लिपोवन दवरलें. व्हाण ल्हान आशिल्ली. ती आपले धुवेच्या पांयांत वच्ची म्हण तिणें धुवेच्या पांयांचीं बोटां कापलीं. पूण व्हाण पांयांत वचना जाली. मागीर शिपायांनी घरांत आनीक कोण आसा काय विचारलें. ती म्हणूंक लागली, आसा एक वावराडी. पूण ती कांयच कोंताक येना. तिका कितेंच जमना. शिपायांनी चेडवाक आपयलें. व्हाण पायांचेर चडयली. पळयल्यार ती व्हाण सामकी वेवस्थीत बसली. मागीर तांणी त्या चेडवाक उंची कपडे दिले. ते घालून शिपायांनी त्या चेडवाक राजकुंवरा लागीं पावयलें. राजकुंवर खोशी जावन ताचे कडेन दुसऱ्या दिसा लग्न जालो.

कांय तेंपान राजकुंवराची बायल गुरवार जाली. रिती प्रमाण तिका बाळंटेरा खातीर कुळारा व्हरूंक जाय म्हणून सवती आवयन आपल्या घोवाक तिका हाडूंक धाडलो. राजकुंवर तिका धाडूंक तयार नासलो. पूण मांवाच्या आगऱ्याक लागून तो तयार जालो. कांय दिसांनी राजकुंवरी बाळांत जाली. तिगेर एक सोबीत कुंवर जल्मलो. सवती आवयन घरा फाटल्यान एक अघड बांय खणून घेतली. तिचेर बरगीं फळकुटां उडयलीं. आठव्या दिसा तिणें राजकुंवरीक न्हाण घालपा खातीर म्हणून त्या फळकुटांचेर वचून बसपाक सांगलें. फळकुटांचेर पांय दवरिना फुडें तीं मोडलीं आनी राजकुंवरी अघड बांयंत पडली. आवयन बेगोबेग ती बांय पुरयली. मांयन हेविशीं आपल्या जांवयाक कांयच कळूंक दिलेंना. जेन्ना बाळक म्हयन्याचें जालें तेन्ना आपले धुवेक राजकुंवरे भशेन न्हेसोवन बाळका सयत राजकुंवरा लागीं धाडून दिली. राजकुंवरान तिका पळयनाच फुडें ताडलें की, ती खरी ताची बायल न्हय. ती कितली सुंदर सोबीत आनी ही कितली कुरूप! ती रडून राजकुंवराक सांगूंक लागली, आपणें बाळंटेराक लागून सुंदरताय व्हगडायली म्हणून. राजकुंवराक विश्वास दवरपा बगर गत्यंतर नाशिल्लें. पूण तो बायल कडेन पयलीं मारको वागनाशिल्लो. दिसान दीस वायट वागूंक लागलो. पूण आपले बायले भशेन सुंदर सोबीत दिसपी पुताचेर मात तो खूब खूब मोग करतालो.

बांयंत पडिल्ली राजकुंवरी मेली ना. तिका ताल्ल्या मनशान अळंग उबारून आपल्या म्हालांत व्हेली. एक दीस तिणेंरडून आकांत केलो. आपणाक आपणाल्या पुताक पळोवंक जाय म्हणून तिणें हट्ट धरलो. ताल्ल्या मनशान तिका राती कडेन वचपाक सांगलें. ती दुसरे राती कडेन राजकुंवराचे न्हिदचे कुडी लागीं पावली. तिणें द्वारपालाक विचारलें बाळक खंय न्हिदलां तें. आपूण पुताचेर नदर घालून येतां अशें सांगून आपणाक भितर सोडपा विशीं तिणें द्वारपालाक विनयलें. ताका तिची काकूट आयली. ताणें तिका भितर सोडली. तिणें भितर वचून आपल्या पुताचो उमो घेतलो. ताच्या माथ्या वयल्यान मायेन हात भोंवडायलो.मागीर भायर येवन द्वारपालाक बक्षिसी दिली. आपूण आयिल्लें हें कोणाक कळूंक दिवंनाका म्हणून सांगलें आनी परत आयली. ती वतगीर द्वारपालान घडिल्ली गजाल राजकुंवराक सांगली. राजकुंवर खूब खोशी जालो. आपली खरी बायल जिती आसा हें आयकून ताका व्हडलें समाधान जालें. दुसरे राती कडेन ती परत आपल्या पुताक पळोवंक आयली. आदले राती भशेंनूच सगलें जालें आनी ती परत वच्च्या वेळार थंय लिपून राविल्ल्या राजकुंवरान तिच्या हाताक धरली. मागीर तिणें घडिल्ली सगली खबर आपल्या घोवाक सांगली. राजकुंवर रागान तांबडो जालो. ताणें सवती आवयचे धुवेक मारपाचो आदेश दिलो. तिचें मास सागवाद म्हणून

तिचे आवयक धाडून दिलें. तिणे तें शिजोवन खालें. पूण जेन्ना तिका कळ्ळें आपणें आपलेच धुवेचें मास खालें म्हणून तेन्ना तिणें जीव दिलो.[4]

तळटिपो :-

1- ही काणी आंतोनेत गोमश (पिराय 14 वर्सां) हिणें पुर्तुगेजींत सांगली आनी मिस द कुन्य हांणी इंग्लीशींत बरोवन काडली.ही सिंड्रेला काणी मदत करपी नुस्त्या साकून सुरू जाता आनी नकली बायल कोण ती कळटा. खरे बायलेक दुस्वाशी भयण बांयंत उडयता. तिच्या माणकुल्याची अपुरबाय करता.

एके पुर्तुगेज काणयेंत (पेद्रोस, 97-100). ''हर्थ-कॅट'', जेवणा खातीर धरिल्लें नुस्तें घेवन तीन भयणींतली धाकली भयण बांय कडेन येता. तें नुस्तें म्हणल्यार एक राजकुंवर आसता. पूण ताचेर जाद् केल्लो आसता. व्हाणो पांयांक सारक्यो जातगीर ती राजाची व्हंकल म्हणून थारता. (चडकरून कॅटस्कीन हेतू), तो तिका तिच्या बापायच्या घरा व्हरून तिचे कडेन लग्न जाता.

फिलिपिनचे सिंड्रेला काणयेंत (फॅन्सलर, 314-316), आपले सवती आवयन सांगिल्ले प्रमाण ती कुल्ली चाबून खावपाक न्हयकारता. पुरून दवरिल्ल्या कुल्लेच्या कट्ट्यांत तिका राजकुंवराच्या लग्नाक वचपा खातीर जाय आशिल्ले कपडे आनी राजकुंवराची खूण आशिल्ल्यो व्हाणो मेळटात.

बसीलच्या पेंटामेरोनांत (णव्वी काणी-दुसऱ्या दिसाची), लुसिएला उदक हाडपाक बांयचेर वता. थंय तिका एक सुंदर दिसपी गुलाम मेळटा. तो तिका जमनी सकयल्यान आपल्या म्हालांत व्हरता आनी रातचो राजकुंवर जाता. दुस्वास करपी तिच्यो भयणी तिका उजवाड घालपाक सांगतात आनी राजकुंवर अदृश्य जाता. ती राजकुंवराक सोदीत-सोदीत पयसुल्ल्या शारांत पावता. तिका घोडवळींत (तबेल्यांत) भुरगें जाता. मागीर त्या भुरग्याक घेवन ती राजवाड्या भायर आशिल्ले घोडवळींत (तबेल्यांत) रावता. सदांच राती कडेन राजकुंवर येवन तिचे वांगडा न्हिदता. आपल्या पुताक वेंगेंत घेता.पेंटामेरोनांतली आनीक एक काणी आसा (धावी काणी, तिसऱ्या दिसाची), सवती आवय सिसीलाक कांयराचो पांटलो घेवन धाडटा. ती पांटल्या सयत एका व्हडल्या फोंडांत निसरून पडटा. थंय नरभक्षक राकेसाक ती पळयता. ताचे कडेन ती सवकसायेन आनी नमळायेन उलयता. तो तिका राजवाड्यांत आपयता. थंय तिका जाय तितली धनदौलत मेळटा. तिची सवती भयण सिसीलाचेर जळटा. सिसिलान केल्लें तशेंच करपाक वता आनी ताच्या कुसड्या सभावाक लागून सामकें भयंकर रूप घेवन ताका येवचें पडटा. सिसिलाक दुकरां पोसपाचें काम करचें पडटा. थंय एक राजपुत्र मेळून तिचो मोग करता. तें पळोवन सवती आवय सिसिलाक एका दोणांत लिपयता आनी राजपुत्रा कडेन आपले चलयेक धाडटा. तिका घेवन तो परत येता. सिसिलाक दोणांतल्यान सोदून काडटा. तिचे सवती भयणीक एक कुरूप बायल करून सोडटा. जेन्ना सवती आवयक कळटा आपणें खतखतीत उदक आंगार रकोवन मारिल्ली ती तिचीच चली आशिल्ली, तेन्ना ती जीव दिता. पिंपांत बंद करून खतखतीत उदकान आपल्याच भुरग्याक शिजोवन मारपाचो प्रसंग पेंटामेरोनांतले आनीक एके काणयेंत (धावी काणी, तिसऱ्या दिसाची) आसा. तांतल्या तपशिला प्रमाण

ती पयली संदर्भ दिल्ले काणयेंचे चड लागींची दिसता पेंटामेंगेनांतली तशीच एक चवथी काणी आस्मा (सातवी काणी- चवथो दीस) तातूंत एकें मायाळू चलयेंक बायकडेन उदक हाडूंक गेल्ली तेन्ना एक जाणटी अस्तुरी एक वस्तू भेंट दिता. ते वस्तूंतल्यान गोडशीं खाणां आनी हिरेमाणका शिवरतात. पूण तिचे उद्धट सवती भयणीक किडें मेळटात. राजपुत्र पयले चलयेंच्या मोगांत पडटा. तिच्या लग्न सुवाळ्यांत गेल्ली सवती भयण तिका दर्यांत धुकलून उडयता. थंय तिका एक मत्स्यकन्या वांचयता. ती राजवाड्याच्या पटांगणांत येता. थंय ती सदांच हंस पक्षांक पोटभर खावयता. ते खांशी जावन तिचें स्तुतीगायन करतात. राजपुत्र ते गायन आयकता आनी ताका खरी व्हंकल कोण ते कळटा. ग्रीम 135 असलीच ही काणी.

भारतात ही काणी मातशी वेगळे तरेन सुरू जाता. दख्खन देशांत (फ्रिअर, 238-248). एकें काणयेंत राजा आनी राणयेंक जल्माक आयिल्लो मासो आपणाक व्हंकल जाय म्हणून सांगता. हावरट सवती आवय ताका आपले सोबीत अशे सवती-चलयें कडेन धाडटा. ती रडटा ते पळोवन एक नाग येवन तिका एक जादवाची कांडी दिता. ती त्या माशा वयल्यान धुवडायतकीर तो एक सुंदर मनशाच्या रुपांत दिसता. तिची सवती भयण, तिचेर हिर्‍यांचो परिणाम करपाच्या निमतान तिका न्हयेंत धुकलून उडयता. थंय नाग तिका आनी तिच्या पुताक पोसकी घेता. हेवटेन तिच्या घोवाक आपले बायलेचो तिच्या बदलिल्ल्या स्वभावा वयल्यान दुबाव येता. मागीर आपली खरी बायल कोण हे तो सोदून काडटा.

मार्श्टोचे काणयेंत (इंडियन एण्टिक्वेरी, नोव्हेंबर 1893 पृ. 315) पाठभेद दिसता. तिचें राजपुत्रा बरोबर लग्न जाता. मागीर ती कुळार आयिल्ले कडेन तिची भयण तिका धुकलून बायंत उडयता. मागीर ती भयण आपुणूच राजपुत्राची बायल जावन वता. ती बायंत उडयिल्ली(पडिल्ली) बायल राजवाड्यांत रातची पावता. आपली वळख पटयता. मागीर राजपुत्र ते नकली राणयेक मारून उडयता.

2- फिलिपिन्सांत (फॅन्सलर, 62) ''कॅचिंग वेव्स ऑफ ध सी'' म्हणल्यार ल्हान चलयेंक अशक्य आशिल्ली रजाल.

3- एकें पुर्तुगेज काणयेंत (पेद्रोसो, 72-74), एक मासो आपणाक जिवदान मेळपा खातीर एका आळशी भुरग्याक मागता तें दिता.

4- मिस गोझेबाकच्या म्हणण्या प्रमाण आपल्या भुरग्यांचें रगत मास खावप हें चडशा काणयानी दिसना. ते सिसिलियन काणयानी (स्टोक्स 253 टिपणी- 5), मेळटा, आनी भारतीय लोककाणयांनी मेळटा. पारकराच्या क्र. 2 संग्रहांत (273, 275-276, 279) एक भुरगो यक्षिणीचें चलयेक मारून उडयता आनी तिचें रगत एका आयदनात घालून यक्षिणीक पियेपाक दवरता. ती ते रगत आपले चलयेन हाडिल्ल्या सोयऱ्याचें समजून पियेता. तिका रस्तार बसून तो थांमणे मार्गांत आसता. स्टोक्स 12 काणयेंत ''दाळंबाचो राजा'' व्हंकलेचें निरदूर आवयक नकली व्हंकलेची हाडां धाडून दिता. तिका तीं हाडां म्हणल्यार आपणाक खावपा खातीर भेंट धाडल्या अशें दिसता पेंटामेंगेनांत (पाचवी काणी, पांचवो दीस). सहनुभूतीन वावुरतलो एक राटपी दुस्वाशी राणयेंन राजाक धाडिल्ले ताच्या भुरग्याचें मास खावपा पसून वांचयता. पळयात- ग्रीम 47.

◆ ◆ ◆

6. राजकन्या आनी भूत[1]

एक आशिल्लो राजा. ताका तीन कुंवऱ्यो आशिल्ल्यो. सगल्यांत धाकली आशिल्ली तिचें नांव बेला. ती सभावान खूब गुणेस्त आनी बरी आशिल्ली. बेला दिसूंक सामकें सुंदर आशिल्लें. ताचो आपल्या बापायचेर खूब जीव आशिल्लो. राजाक मोहिमेचेर वच असो सम्राटाचो आदेश आयलो. तेन्ना ताणें आपल्या तिनूय कुवऱ्यांक आपयल्यो आनी आपणें परत येतना तांचे खातीर कितें हाडचें तें विचारलें. व्हडलेन सांगलें आपणाक माणकांचो हार हाड, जाल्यार मदलेन सांगलें आपणाक रत्नांचो हार जाय. बेलाक विचारलें तेन्ना आपणाक कांयच नाका, आपणाक आपलो बापूय बेगिनांत बेगीन घरा परत आयिल्लो जाय अशें सांगलें. पूण राजा म्हणूंक लागलो, जर आपूण आपल्या दोनूय धुवांक वस्ती हाडटलों जाल्यार म्हजे अपुरबायेचे धाकले धुवेकूय म्हाका कितेंय तरी हाडूंक जाय. "बेला, बाय सांग गो तुका कितें हाडूं?" राजान विचारलें. "तूं इतलें म्हणटा जाल्यार म्हज खातीर एक गुलाबाचें फूल हाड. म्हाका तितलेंच पुरो." बेलान सांगलें.

राजा मोहिमेचेर गेलो. येतना ताणें दोगीय धुवांनी सांगिल्ल्यो वस्ती विकत्यो घेतल्यो. पूण बेलान मागिल्लें तें गुलाबाचें फूल हाडपाक विसरलो. राजा परतून तारवार चडलो. तें तारूं एका मुसलमान धनयाचें आसलें. तें तारूं कशेंच हालना जालें. तारवाच्या धनयान विचारलें, "म्हाराज, कितेंय विसरलो काय?" "हय, म्हज्या बेलान सांगिल्लें तें गुलाबाचें फूल हाडपाक हांव विसरलों" राजान म्हळें. राजा तारवा वेल्यान सकल देंवलो. लागीं आशिल्ले पोरणे पालाशीचे वण्टीं

मर्दी जाल्ल्या गुलाबाच्या झाडा कडेन ताची नदर गेली. थंय फुलिल्लीं खूबशीं गुलाब-फुलां. ताणें पालाशीच्या दारार मारलें. एकदां, दोनदां, तीनदां. पूण कोणूच आयलो ना. मागीर ताणें तांतलें एक गुलाब खुंटलें. ताणें गुलाब खुटलां मात, थंय एक व्हडलें भूत आयलें. तें रागान ताचे कडेन पळोवन सांगूंक लागलें, "आतांच्या आतां तोडिल्लें गुलाब झाडाक दसय." राजान सांगलें, "हांवें दाराचेर तीनदां मारुनूय कोणूच आयलो ना. हांगा कोणूच दिसलो ना. म्हणून हांव निमाणें गुलाबाचें फूल तोडलें. आतां ताचे खातीर तूं जे दुड्डू मागता ते हांव दिवंक तयार आसां. कितले ते सांग."तें भूत आपल्या म्हण्ण्याचेर ठाम आशिल्लें. "गुलाब परत झाडाक दसय." तें मोट्या आवाजांत सांगूंक लागलें. राजान म्हळें, "तें कशें शक्य आसा? ताच्या वांट्याचें तूं जें कितें मागता तें हांव दितां. ना जाल्यार हें फूल घेवन हांव वतलों. म्हाका बेगीन परतो पावंक जाय." "तूं जर गुलाब परतून झाडाचेर दसोवंक शकना जाल्यार तुवें तुज्या तीन धुवां मदली जी धूव आज तुका पयलीं नदरेक पडटली तिका म्हजे सुवादीन करची पडटली." भुतान अट घाली. राजाक हय म्हणपा बगर कांयच पर्याय नाशिल्लो. खंती मनान राजा गुलाब घेवन आपल्या म्हाला कडेन परतलो. तेन्ना आपल्या बापायची वाट पळयत भायर बशिल्लें बेला ताचे नदरेक पडलें.

राजा भितर सरलो. आपले न्हिदचे कुडींत वचून पलंगार घालून घेतलें आनी घसघशांनी रडूंक लागलो. बेलान ताका वेंग मारली आनी ताच्या रडपाचें कारण विचारलें. आपूण उतराक सांपडलां आनी बेलाक व्हरून एका नरपशू भशेन भुताचे सुवादीन करपाची पाळी आयल्या हें राजान आकांत करीत सांगलें. बेला सांगूंक लागलें, "म्हाका कांयच नाका आशिल्लें. पूण परतून परतून विचारलें म्हणून हांवें गुलाबाच्या फुलाची मागणी केल्ली. पूण आतां तेंच गुलाबाचें फूल ह्या संकश्टाचें कारण थरलें. तूं रडूं नाका बाबा. हांव आपखोशेन वचून त्या भुतचे सुवादीन जातां." "आमी तीन दिसांभितर ताची मागणी पूर्ण करूंक जाय. ना जाल्यार तें भूत आमच्या घराब्याक शाप दितलें." राजान म्हळें. बेला आपल्या बापायक थातारतालें, तेन्ना दोगूय कुंवऱ्यो बापायन हाडिल्ले वस्तींक पळोवन तोखेताल्यो.

तिसऱ्या दिसा राजा आनी बेला ते दर्यादिगेर पावलीं. थंय तें भूत तांची वाट पळयतालें. तांकां पळोवन भूत खोशी जालें. राजाक आनी बेलाक घेवन तें भूत पालाशींत गेलें. ताणें थंय आशिल्ले मोलादीक हिरे, माणकां, मोतयां आनी भरजरी पोशाक ह्या बापायक आनी धुवेक दाखयले. थंय आशिल्लो पियानो वाजयलो. मागीर राजाक आनी बेलाक घेवन तें भूत जेवणाच्या हॉलांत गेलें. थंय पंचपक्वान्नांचें जेवण अदृश्य लोक वाडटाले.

राजा बेला वांगडा थंय आठ दीस रावलो. मागीर बेलाक भुताचे सुवादी
करून परत गेलो. मागीर बेला आनी भूत ते पालाशींत रावूंक लागलीं. तीं सद
भोंवपाक वतालीं, गजाली करतालीं, गायतालीं, नाचतालीं, खेळटालीं. अशे दो
म्हयने गेले. एक दीस भोंवंक गेल्ले कडेन तीं दोगांय एका रुखा मुळा गजाल
करीत बसलीं. बसले उपरांत भुतान आपली तकली बेलाचे मांडयेर दवरली. तेन्न
ताका झेम आयिल्ले वरी जाली. भूत न्हिदलें उपरांत बेलाक आपल्या आवय
बापायची याद जावन रडूंक आयलें. तें रडत रावलें. ताच्या दोळ्यांतलें एक दृ
भुताच्या हातार पडलें. भूत जागें जावन पळय जाल्यार बेला रडटा. ताणें विचारलें
"बेला, तूं कित्याक रडटा?" बेलान सांगलें, "हांव म्हज्या आवय-बापाय
चिंतून रडटां." "तुका तुज्या आवयक-बापायक मेळूंक जाय? जाल्यार ही मुद
घे. रात जातगीर ती बोटांत घाल. दुसऱ्या दिसा तूं तुज्या आवय-बापाय म्हऱ्यां
आसतलें. एक मतींत घट्ट धर. रातयां मुदी काडून दवर. तिसऱ्या रातीं बोटां
घाल. तूं हांगा परत पावतलें. तिसरे रातीं तूं परतलें ना जाल्यार हांव मरतलों आन
हें सगलें ऐश्वर्य नानपयात जातलें." अशें सांगून भुतान बेलाक एक मुदी दिली.

बेलाच्या भयणीं खातीर भुतान तरातरांच्यो वस्ती दिल्यो. तें सगलें बेला
बरोबर घेतलें. आनी रातची ती मुदी आपल्या बोटाक घाली. बेलान दोळे उक्ते
केले तेन्ना तें आपल्या आवय-बापाय लागीं आशिल्लें. तें भोव खोशी जालें. ता
हाडिल्ल्यो वस्ती पळोवन दोगांय भयणींक बेलाची नसाय जाली. "तुका भुता
खालें ना?" भयणीं विचारपाक लागल्यो. मागीर एकली दुसरेक म्हणटा, "बेलागे
भांगरां शिंगरां आनी गिरेस्तकाय भरून रकता. खरें म्हळ्यार आमच्या दोग
मदल्या एकल्यान बेला वांट्याचें भुता कडेन वचूंक जाय आशिल्लें." तिसरो दीस
सोंपतां सोंपतां बेला आपली मुदी सोदूंक लागलें. सगले कडेन सोदून लेगीत मुद
सापडना जातगीर बेला भियेवन रडपाक लागलें. बेलाचे नसायेन भरिल्ले दोगी
भयणांनी तिची मुदी लिपयिल्ली. बेलाचें घट्टाण जावं अशें तांकां दिसतालें
चवथ्या दिसा बेलाक मुदी मेळ्ळी. ताणें राती कडेन आपल्या बोटाक मुदी घाल
आनी तें परत भुताच्या घरा पावलें.

जिवा वयल्या आकांतान बेलान सगलें घर सोदलें. पूण ताका भूत दिसलें ना
तें खूब भियेलें. सोदतां सोदतां एका रुखा मुळा भूत दिसलें. पूण ताची भलायक
सामकी इबाडिल्ली.ताणें ताची तकली आपले मांडयेर घेतली. वखद सारयलें
तकली दामली, आंग पोशेलें आनी ताका सावचीत केलें. ताणें केल्लें वखद ताच्य
माथ्याक सारयतना भुताचे तकलेक तोपिल्ली एक सूय सांपडली. बेलान ती सू
ओडून काडली. ती सूय काडली मात, तें भूत म्हळ्यार एक तेजस्वी राजकुंव

जालो. त्या राजकुंवरान बेलाक खोशेन वेंगेंत घेतले. खिणा भितर राजकुंवराचे पालार्शीतली भुताटकी सोंपली आनी थंय शिपाय आनी सैनीक दिसूंक लागले. राजकुंवरान बेगोबेग एक आदेश दिलो. त्या आदेशा वरवीं राजकुंवराची पालास आनी बेलाच्या बापायचें घर हांचेमदीं पूल बांदून तयार जालो. ताणें बेलाच्या आवय-बापायक आपोवन आपलो लग्नसुवाळो मनयलो आनी तीं सगलीं सुखान रावूंक लागलीं.

तळटिपो :-

1- ही काणी दोना फ्रांसिका वास्कोन्सेलुश हिणें पुर्तुगेजींत सांगिल्ली. मिस द कुन्य हांणी ती इंग्लीशींत अणकारीत केली. ही काणी दोनान 1850च्या अदमासाक लिस्बना साकून आंगोलाक वतना आयकल्ली.

"मॉन्स्टर हजबण्ड" काणयेचें हें सवंकळीचें रूप आयकतना कसलोच गोंदळ मनांत येना. एके नमुनेच पुर्तुगेज लोककाणयेंत (पेद्रोसो, 41-45) हेंच घटक दिसतात. भुताटकेच्या प्रभावा खाला आशिल्ल्या वाड्यांत राजपुत्राक भूत जावन वावुरचें पडटा. ताची सेवा करपी मनीस दिसनात. पूण हात कामां करतना दिसतात. मुद्दी चोरप आनी जादूटोणो जाल्ल्या त्या भुताच्या रूपांतल्या राजकुमाराक मरण येवप, हें सगलें पुर्तुगेज लोककाणयेंत मेळटा. हेर भारतीय काणयांचीं रुपां खूब विस्तारान आयिल्लीं दिसतात.

ग्रीम 88.

2- हालना-धोलनाशिल्लें (घट्ट जाल्लें) तारूं पळयात- स्टोक्स, 193-200, डे.124-137. पेंटामेरोनांत (आठवी काणी, दुसरो दीस) "लिजा"क मनांतल्यान दिसता आपणें दिल्ली भेटवस्त जर तो अधिकारी विसरलो जाल्यार ताच्यान घडये न्हंय पार करून येवंक जावचेंना.

3- पारकरच्या म्हणण्या प्रमाण (पारकर, क्र. 1:168), सूर्याचें प्रतीक हें जादूटोण्याचे पददर्तीतल्यान घेतलां. "सूर्यांचो राजा" ही ह्या संग्रहांतली काणी पळयात. हेर काणयो वॉम्यास, 281-283; फ्रिअर, 91-92, पारकर क्र. 1:163, 376; पार्सन्स, 351; पेद्रोसो, 8-9, 11-13; बर्सील (णव्वी काणी, पांचवो दीस); स्टोक्स, 12-14; आनी "स्लिपिंग ब्युटी" प्रकारांतली काणी- ग्रीम 50.

◆ ◆ ◆

7. सुयांचो राजा[1]

एका राज्यांत राजा आनी राणी रावतालीं. तांकां एक कन्या आशिल्ली. दिसपाक भोव सुंदर आनी सभावान सदगुणी. दारांत आयिल्ल्यांक हात उखलून दिवपा खातीर ती प्रसिद्ध आशिल्ली. तिच्या ह्या दानशूर पणाची तोखणाय सगले कडेन जाताली.थंय सदांच भीक मागपाक एक बायल येताली. तिका भिक्षा दिवपाक ती राजकन्या केन्नाच चुकली ना. तिणें भिक्षा दिली म्हणटगीर ती बायल तिका सदांच आशिर्वाद दिताली. 'तुका सुयांचो राजा मेळूं, तुजें त्या राजा कडेन लग्न जाल्यार पुरो.' राजकन्या हीं तिचीं आशिर्वादाचीं उतरां सदांच आयकताली. एक दीस कन्येन ते बायलेक विचारलें, "हो सुयांचो राजा कोण? तो खंय रावता?" ते बायलेन राजाच्या राज्यांत कशें वचपाचें तें राजकन्येक सांगलें. राज्यांचे शिमेर तिका एक अप्सरा मेळटली. तिका विचारतगीर ती राजा कडेन वचपाची समसारकी वाट दाखयतली.

एक दीस राजकन्येन त्या सुयांच्या राजा कडेन वचपाचें थारायलें.पूण कोणाकूच सांगलेंना. सकाळीं उठली आनी ते बायलेन सांगिल्ले दिकेन चलत रावली. राज्याची शीम सोंपता थंय एक अप्सरा आपल्या पुता बाराबर रावताली. तिचो पूत दीसभर रानांत रावतालो आनी रातचो जेवपा खातीर घरा येतालो. ते सुंदर राजकन्येक अप्सरेन मोटे खोशेन येवकार दिलो. तिणें आपल्या पुताची खबर कन्येक सांगली.'आपलो पूत घरा येतना खूब रागार जावन येता. तेन्ना ताच कडेन कोणेंच एक उतर लेगीत उलोवंक फावो ना. तो जेवतगीर शांत जाता. मागीर ताचे कडेन कोणेंय उलयल्यार तो आयकून घेवन जाप दिता.' तिणें ताचे मुखार कांयच

उलोवचें न्हय म्हणून ते अप्सरेन राजकन्येचो फातर केलो. पूत घरा येतगीर अप्सरेन ताका पोटभर वाडलो. जेवन जातगीर तो शांत जालो. मागीर अप्सरेन फातराची परत सुंदर राजकन्या केली. ती सुंदर राजकन्या पळोवन अप्सरेचो पूत अजापलो. राजकन्येन सुयांच्या राजाचो राजवाडो खंय आसा, आपणाक थंय वचपाचें आसा अशें ताका सांगलें. तो म्हणूंक लागलो, आपलो बापोलभावूच ती वाट जाणा. तोच तिका वाट दाखयतलो. ताणें राजकन्येक एक भांगराचो चरखो, एक कोंबी आनी भांगराचीं कोंबये पिलां भेट म्हणून दिलीं. मागीर तिची आपल्या बापोलभावा कडेन वळख करून दिली आनी तो आपल्या कामाक लागलो. बापोलभावान तिका राजा कडेन वचपाची वाट सांगली.

ती राजकन्या भांगराचो चरखो, भांगराची कोंबी आनी तिचीं पिलां वांगडा घेवन सुयांच्या राजाच्या राजवाड्या कडेन पावली. राजवाडो खूब व्हडलो आशिल्लो.ती राजवाड्यांत भितर सरली आनी चलत रावली. तिणें हेवटेनतेवटेन पळयलें ना. ती निमाण्या म्हाला कडेन पावली. थंय एका पलंगार एक मनीस आपलें आंग मातशेंमातशें हालयतना तिका दिसलो. पयलीं राजकन्येक दिसलें पलंगाचेर एक प्रेत पातळिल्लें आसा. लागीं गेली तेन्ना तिका खरी गजाल कळ्ळी. राजाक आंगभर लांब लांब सुयो तोपून पलंगाक खिळावन दवरिल्लो. त्या असंख्य सुयांक लागून राजाच्यान आंग हालोवंक जायनाशिल्लें.

राजकन्येन ताच्या आंगाच्यो सुयो काडपाक आरंब केलो. तिणें पांयां पासून सुरवात केली. पांयांच्यो सुयो काडटगीर राजा पांयांचीं बोटां हालोवपाक लागलो. एकएक करून सुयो काडटां काडटां रात जाली. राजकन्येन राजाच्या आंगा वयल्यो सुयो काडून सोंपयल्यो. ती ताच्या तोंडा वयल्यो आनी तकलेच्यो सुयो काडटांकाडटां न्हिदून पडली. तेन्ना त्या जादवाच्या म्हालांतल्यान एक काळी किट्टचेटकीण वताली. तिणें न्हिदून पडिल्ले राजकन्येक पळयली. ती संद घेवन तिणें राजाच्या तोंडा वयल्यो आनी तकलेच्यो उरिल्ल्यो सुयो काडल्यो. राजान दोळे उक्ते केले तेन्ना ताचे नदरेक ती चेटकीण दिसली. तिणेंच आपणाचेर उपकार केल्यात आनी आपल्या आंगाच्यो सगल्यो सुयो तिणेंच काडून आपणाक मेकळो केला अशें ताचे मतीन घेतलें. बेगोबेग ताणें ते चेटकिणी कडेन लग्न जावपाचें थारायलें. थोड्या वेळान राजकन्या जागी जाली.तिणें राजा उठून बसला तें पळयलें आनी घडिल्ली सगळी गजाल राजाक सांगली. पूण राजान आपल्या दोळ्यांनी पळयिल्ली ती काळीकिट्ट चेटकीण आपणाचेर उपकार करपी अशें राजान थारायलें आनी चेटकिणी कडेन लग्न जालो. ते राजकन्येची तळमजल्याचेर रावपाची वेवस्था केली. तिका जाय त्यो सगल्यो गजाली राजान मेळोवन दिल्यो.

दुख्खी जाल्ले राजकन्येन आपल्या नशिबाक दोश दिलो. आतां वेळ कसो काडपाचो हो प्रस्न तिचे मुखार आशिल्लो. अप्सरेच्या पुतान दिल्लो भांगराचो चरखो काडून ती सूत कांतपाक लागली. चेटकिणीन तो चरखो पळयलो आनी राजा कडेन तो आपणाक दिवपा खातीर हट्ट धरलो. राजा कडेन दुसरो उपाय नाशिल्लो. ताणें राजकन्ये कडेन भांगराचो चरखो दिवपाची विनवणी केली. राजकन्या एके अटीचेर चरखो दिवपाक तयार जाली. राजान सद्दां सांजे एक तास राजकन्ये खातीर दिवप. राजान मानून घेतलें. आनी चरखो चेटकिणीक मेळ्ळो. पूण तिका दुबाव आयलो. म्हण चेटकिणीन दनपराच्या जेवणा उपरांत राजाक कितेंतरी पिवपाक दिलें. राजा थार न्हिदून पडलो. राजकन्या दिल्ल्या उतरा प्रमाण राजाक मेळपाक म्हालांत गेली. थंय राजा न्हिदिल्लो पळोवन ती थंयच्यान रडत परत आयली. दुसऱ्या दिसा राजकन्येन भांगराची कोंबी आनी भांगराचीं पिलां भायर काडलीं. आनी तांचे कडेन खेळत वेळ सारूंक लागली. तें चेटकिणीन पळयलें. तिणें परत राजा कडेन ते भांगरा कोंबीयेची आनी पिलांची मागणी केली. राजान राजकन्ये कडेन तीं मागलीं. राजकन्या दिवंक तयार जाली. ती पयलींचे अटीचेर आनी ते अटीक जोडिल्ली आनीक एक अट आशिल्ली. राजान जेवले उपरांत राजकन्ये कडेन उलोवन सोंप मेरेन कांयच खावप पिवप ना. राजान अट मान्य केली. त्यो भांगराच्यो वस्ती चेटकिणीक दिल्यो आनी वरभर राजकन्ये कडेन गजाली केल्यो. राजकन्येन घडिल्ली सगली गजाल राजाक सांगली. राजाक खरें कितें घडलें तें कळ्ळें. मागीर राजान ते चेटकिणीक फांसार चडयली. कारण ती चेटकीण म्हळ्यार राजकन्येच्या दारांत येवन सदांच भीक मागपाचें नाटक करपी आनी 'सुयांचो राजा' आसा म्हणून राजकन्येक सांगपी बायल आशिल्ली.2 तिका फांसार दिल्या उपरांत राजा राजकन्ये कडेन लग्न जालो आनी तीं सुखान रावलीं.

तळटिपो :-

1- ही काणी मादाम शाव्हिएर हिणें कोंकणींतल्यान सांगली. ती मिस द गामा हांची आजी. मिस द गामान ती कोंकणींत बरोवन काडली. मागीर आल्फ्रेड द गामा हांणी ती पुर्तुगेजींत अणकारली. उप्रांत मिस द कुन्यान ती इंग्लीशींत अणकारीत केली.

बसीलाच्या पेंटामेरोनांत सुरवातिकूच एक जोजोची काणी आसा. तिका एके म्हातारे अस्तुरेचो शाप आसता. जोजोक राजकुंवर मेळचो पूण तो जादवाच्या प्रभावा खाला आसतलो. सदांच न्हिदिल्लो. ताका जागो करतलो जाल्यार थंय आशिल्लें आयदन जोजोच्या दुकांनी भरूंक जाय. जोजो रडत बसल्या तें पळोवन म्हातारी न्हिदपाक वता. तेन्ना एक काळी गुलाम बायल येवन जोजोक फाटीं घालता आनी राजकुंवर जागो जातगीर

ते काळे बायले कडेन लग्न जाता. परीन दिल्ल्या तीन वस्तूंच्या मालवजार जोजो आपलो घोव परत मेळयता. पूण हे काणयेंतल्या सारक्यो राती विकत्यो घेवन न्हय. असलो प्रसंगपेंटामेरोनांतले एके काणयेंत घडटा- (तिसरी काणी, पांचवो दीस), पुर्तुगेज लोककाणयेंत (पेद्रोसो, 81-85) आनी हेर खूबश्या काणयांनीय घडटा. त्यो कामदेवाच्यो आनी चेतनेंच्या प्रकारांत आसपावतात. पळयात ग्रीम-88.

कोलकाताचे काणयेंत (स्टोक्स, 164-172), शिमे भायर घालून दिल्ली राजकन्या एका पडींग राजवाड्यांत भोंवता. थंय एका पलंगार तिका एक राजा मेल्ले भशेन पडिल्लो दिसता. ताच्या पुराय आंगाक सुयो तोपिल्ल्यो आसतात. ती त्यो सगल्यो सुयो ओडून काडटा. पूण दोळ्यां कडल्यो दोन सुयो तश्योच उरतात. मागीर आपले दासीक ती ताचेर लक्ष दवरपाक सांगून न्हिदपाक वता. तेन्ना राजाच्या दोळ्यांकुशीक आशिल्ल्यो दोन सुयो ती दासी ओडून काडटा. आपणें सुयो काडल्यो अशें राजाक सांगून ताचे कडेन लग्न जाता आनी राजकन्येक आपली गुलाम करता. राजा भोंवपाक वचपाचो आसता. तो आपले राणयेक आनी तिचे गुलाम दासीक आपणें तांकां कितें हाडूंक जाय तें विचारता. राजकन्या ताचे लागीं 'सूर्यखड्याची पेटी' हाड म्हणून मागता. राजा तिका ती पेटी हाडटा. रातीन ते पेटयेंतलीं माणकां नाचतात, गायतात आनी राजकन्या रडटा. राजा तें लिपून पळयता, आयकता आनी ताका खरी राजाल कळटा.

2- राजान चेटकिणीक कित्याक फांसार चडयली तें स्पश्ट जायना. खरें म्हणल्यार तिकाच लागून तो जितो जावंक पावलो. ही कल्पना हेर काणयांतल्यान घेतिल्ली आसूंक फावता. (जशें ''बकावली फूल'' वा हेर रुपांतली काणी) मांगाची मोहिनी नायकाचेर वा नायिकेचेर घालून ताका मरण हाडटा.

◆ ◆ ◆

अद्‌भूत काणयो



८. दाळंबांची राजकन्या[1]

एका राज्यांत एक सुंदर राजकन्या आशिल्ली. रुपान सुंदर आसली तरी स्वभावान सामकी गर्विश्ट. तिच्या रुपाक लागून खूब राजकुंवर तिचेर भाळिल्ले. तिचे कडेन आपलें लग्न जावचें म्हणून सामके झुरताले. लग्न जावपाक तिची सामकी सादी अट आशिल्ली. जो दाळंबाची बी सकल उडयनासतना संपूर्ण दाळींब खाता ताचे कडेन ती लग्न जातली. कितलेशे राजकुंवर तिची अटपूर्ण करपा खातीर आयले. पूण हारले. तिच्या मोगांत पडिल्लो एक राजकुंवर हारतगीर सामको पिकार जालो. आपली हार जाली हो आपलो मोटो अपमान अशें ताणें धरलें. मागीर मतींत थारायलें, हे राजकन्येचो गर्व ना करपाक तिका बुद्ध शिकोवप. तिचो बदलो घेवप.

ताणें आपल्या आंगाक कोळसो सारयलो आनी आफ्रिकी मनशा भशेन सामको काळोकिट्ट जालो. मागीर राती कडेन ते राजकन्येच्या जनेला सकयल उबो रावून तो मोगाचीं गितां गावंक लागलो. ताच्या काळजांत तिचेविशीं खरो मोग आशिल्लो. म्हणटगीर गितांतल्यानय तो खरो मोग उक्तावंक लागलो. तो सुरेल आनी लयबद्ध गायतालो. सदांच रातचो येवन तो काळो मनीस जनेला सकयल गायता तें राजकन्या आयकताली. आपणा चेर इतलो मोग करपी मनशा विशीं तिच्या काळजांत मोग फुल्लो. तिका ताचें गायन आवडूंक लागलें.तो केन्ना येता आनी गायता हाची वाट तिचे दोळे आनी कान पळोवंक लागले. ती केन्ना काळ्या जुवान मनशाच्या मोगांत पडली तें तिका कळ्ळेंच ना. एके रातीं ती आपल्या म्हालांतल्यान देंवून सकयल ताका मेळपाक आयली. तिणें ताचे

विशींचो आपलो मोग उक्तायलो. ताणें म्हळें, आपूण एक काळोकिट्ट आफ्रिकी मनीस-खापरी. राजकन्येन ताचेर मोग करप सोबना. पूण राजकन्या सामकी ताचे फाटीक लागली, आपणाक तुजे वांगडा व्हर म्हणून. ताणें सांगलें, तो राजवाड्यांत चाकरी करता आनी राजवाड्याच्या शेजारा आशिल्ले एके खोंपटेंत रावता. आपणा बराबर येतली जाल्यार तिका ते खोंपटेंत रावचें पडटलें. राजकन्येन मानून घेतलें. दुसऱ्या दिसा ती त्या खापऱ्या बराबर खोंपटेंत रावपाक गेली. सकाळीं फुडें तो उठून राजवाड्यांत वचपाचें नाटक करून राजवाड्यांत पावलो. न्हावनधुवन निवळ जालो. आपले भोव बरे राकुंवराचे कपडे आंगार चडोवन जनेलांत येवन उबो रावलो. त्या जनेलांतल्यान ताका ते खोंपटेंत काम करपी राजकन्या दिसताली. तिका पळोवन हो तिची तुस्त तोखणाय करपाक लागलो. राजकन्या आपल्या कामांत गुंग आशिल्ली. तरी पूण राजकुंवर जनेलांतल्यान तिची तुस्त करीत रावलो. रातचो परत ताणें आपल्या आंगाक कोळसो फासलो आनी खापरी जावन खोंपटेंत गेलो.

हे तरेन खूब म्हयने गेले. मजगतीं राजकन्या बाळांत जावन तिगेर एक मदना भशेन सुंदर पूत जल्मलो. ताचें मुखामळ त्या राजकुंवरा वरीच दिसतालें. जनेलांतल्यान सदांच तिची तुस्त करपी राजकुंवरा भशेन दिसपी आपल्या पुताक पळोवन तो राजकन्येक मनांतल्यान थोमणे मारून सतायतालो. तिका नाना तरांनी खेपतालो. तिचो आनी जनेलांतल्या राजकुंवराचो संबंद लावन तिका न्हयन्हय तें उलयतालो. पयलींची सामकी गर्विशट अशी ती राजकन्या खापऱ्यान केल्लो सगलो अन्याय आनी दुबावान केल्ले आरोप भोन्यांनी सोंसताली.ती केन्नाच हेविशीं एक उतर उलयली ना.

एक दीस राजकुंवराचें लग्न थरलें. ताच्या लग्नसुवाळ्याची तयारी सुरू जाली. हजारांनी लोक काम करूंक लागले. मेळत ते लोक तांकां उणेच आशिल्ले. एक दीस खापऱ्यान राजकन्येक सांगलें, आतां पयसो जोडपाची संद आयल्या. राजकन्येन राजवाड्यांत कपडे शिंवपाचें काम करपाक वच्चें. थंयच्या दरज्यांक तिणें मदत करची. राजकुंवराचे आवयक खबर आशिल्लें, आपलो पूत ते राजकन्येची मिजास देंवोवपा खातीर तिका ही तरांतरांची ख्यास्त दिता म्हणून. राजकुंवरान आपले आवयक सांगलें, ती कामाक येवन वतना तिचे पोतयेंत नव्या कपड्यांचे कांय कुडके लिपोवन दवरपाक. ते प्रमाण वेवस्था जाली. ती कामाची सुट्रन वतना राणयेन तिची पोती तपासली. तातूंत गुठली करून लिपयिल्ले नवे कपडे मेळ्ळे! म्हळ्यार राजकन्या चोरी करताली! कित्याक तर आपल्या पुताक

खोमशी शिंवपाक! हो आरोप थारायिल्ले प्रमाण जालो. ती बावडी रडत आपले खोंपटेंत आयली.

दुसऱ्या दिसा राजकन्येक मोतयां गुंथपाचें काम दिलें. मोतयां गुंथून हार करपाची जबाबदारी तिचेर आशिल्ली. खंती मनान ती मोतयां गुथ्थाना तिचे पोतयेंत मोतयां लिपोवन दवरपाची वेवस्था राणयेन केली. सांजवेळा घरा वच्च्या वेळार तिची पोती सांसपिली. तातूंत चोरयेचीं मोतयां सांपडलीं. तिणें मोतयां चोरलीं म्हणून सगळ्यांक सांगलें. तेन्ना राजकुंवर थंय पावलो. ताचे मुखार तिची रुजवात जाली. हें सगळें गांवभर जालें. राजकन्या न्हिन्नळिल्ले वरी जाली. तिच्यान हें अपमानाचें दुख्ख सोंसूं नजं जालें. दुखेस्त मनान ती आपले खोंपटेंत आयली. राती कडेन खापऱ्यान तिचेर फोग काडलो. ती राजवाड्यांत चोरुंक वता आनी नांवाक उजो लायता म्हणून तो फडफडत रावलो.

मनांतल्यान राजकन्येचेर मोग करपी त्या राजकुंवराक आतां दिसलेंकीं, आपणें राजकन्येचो फावो तो बदलो घेतलो. जाय तसो सूड उगयलो. आतां पुरो करुया हें सगळें. अशें येवजून ते राती कडेन तो खापरी जावन खोंपटेंत गेलो. ज्या दिसा राजकुंवराचें लग्न जाता त्याच दिसा आमी दोगांय लग्न जावया. तशें करतगीर हो पूत आमचो दोगांचो पूत म्हण कायदेशीर जातलें अशें ताणें तिका सांगलें.ते प्रमाण लग्न जावपा खातीर ताणें राजकुंवराची मान्यताय मेळयली. ताचे न्हवऱ्या खातीरचे कपडे उश्णे घेतले. हेवटेन राजकन्या व्हंकलेचो पोशाक करून इगर्जेत पावली. थंय राज्यांतल्या सगळ्या लोकांची गर्दी जमिल्ली. सगळेजाण न्हवऱ्याव्हंकलेची वाट पळयताले. राजकन्याय बी आपल्या न्हवऱ्याची उमळशिकेन वाट पळयताली. न्हवरो आयलो. राजकन्येचो आपल्या दोळ्यांचेर विस्वास बसना जालो. तिचे मुखार प्रत्यक्ष राजकुंवर उबो आशिल्लो. तो तिका वेंगेंत घेत सांगतालो, ''हांवूच तो खोंपटेंतलो खापरी. तुजो मोगी. खापरीय बी आनी राजकुंवरुय बी.'' तांचें थाटामाटांत लग्न जालें. सगळ्यांचे आशिर्वाद तांकां मेळ्ळे आनी तीं सुखान रावंक लागलीं.

तळटिपो :-

1- मिस गोंमिशाक ही काणी तिचे मावशेभयणीन सांगली.

ही ''किंग क्न्युव्रश बिअर्ड'' काणी (थॉम्सन टायप्स, क्र. 900) म्हणल्यार तिका पेंटामेरोन काणी (धावी काणी, चौवथो दीस) एक सारके घटक आसात. ताचे वयल्यान तांचें थेट सारकेंपण कळटा.

काबु वेर्दे बेट प्रकारांतलें रूप (पार्सन्स, 103-105) पेंटामेरोनांतले ''पेरिओंतु'' (तिसरी काणी, पयलो दीस) काणयेक सामकें लागींचें दिसता. एक अडाणी मनीस मत्स्यकन्ये कडल्यान जादूकला मेळयता. ते कले वरवीं तो ताचो तिरस्कार करपी राजकन्ये कडल्यान आपल्याक भुरगें मेळयता. ताचो पूत तो (अडाणी मनीस) आपलो बापूय म्हणून जाहीर करता आनी जल्माक येतना हातांत घेवन आयिल्लें भांगराचें दाळींब ताका दिता. राजकन्ये खातीर पयलीं सामकें ल्हान आनी मागीर राजकन्येक फावोशें घर बांदतात. तिच्या बापायक मात आपल्या जांवयान बोल्सांत कुलेर लिपयलें म्हणून दुख्ख जाता

◆ ◆ ◆

9. चोराची काणी [1]

एक राजा आशिल्लो. ताका आशिल्ल्यो तीन कुंवऱ्यो. एकदां राजाक लडायेर वच्चें पडलें. कुंवऱ्यांक दासीं आनी सेवकांचेर सोंपोवन तो गेलो. एक दीस एक मनीस भिकाऱ्याचो भेस करून आयलो आनी आपणाक एके राती खातीर न्हिदपाक कुडींत जागो मागपाक लागलो. व्हडल्या दोगींनीय ताका राव म्हणून सांगलें. पूण धाकले कुंवरेक तांणी मान्यताय दिली तें आवडूंक ना. तिणें आपल्या दोनूय भयणींक चुकीचें करतात म्हणून सांगून सोडलें. रात जातगीर सगले लोक न्हिदून पडले. धाकटी कुंवरी मात न्हिदली ना. तो परकी मनीस पालाशींत न्हिदला हाचे विशीं तिका दुबाव आशिल्लो. सगलीं जाणां न्हिदून पडिल्ल्याचो अदमास घेवन भिकाऱ्याचो भेस घालून आयिल्लो मनीस उठलो. ताणें एक सूय घेतली आनी जण एकल्याक तोपून सगले जाण थार न्हिदल्यात हाची खात्री केली. धाकटी कुंवरी जागी आशिल्ली. पूण तिणें सूय तोपली तेन्ना न्हिदेचें नाटक केलें.भिकारी जनेला कडेन वचून शिळोणी घालूंक लागलो. तेन्ना भायल्यानूय शिळोण्यो आयकूंक येवपाक लागल्यो. मागीर भिकाऱ्यान जनेलांतल्यान एक राजू सकयल सोडलो. मागीर तो भिकारी राजू वयर ओडपाक लागलो. इतल्यांत धाकटी कुंवरी जनेला कडेन वचून तिणें त्या भिकाऱ्याक जनेलांतल्यान सकयल धुकलून वयर उडयलो. भिकाऱ्याचो पांय मोडलो पूण तो सांगात्यांचे मदतीन पळून गेलो. सकाळ जातगीर तिणें ही खबर आपल्या भयणीक सांगली. तें आयकून तीं दोगांय खूश जालीं आनी तांणी आपले धाकले भयणीच्या धाडसाची तोखणाय केली.

भिकाऱ्याचें सवंग घेवन आयिल्लो चोर खूब रागार जालो. धाकले कुंवरेक लागून आपलो चोरयेचो बेत फसलो म्हणून तो तिचेर चड रागार जालो. परतून एक दीस तो चोर भिकाऱ्याचें सवंग घेवन राजवाड्यांत भीक मागपाक गेलो. ताणे भिक्षा घेवपा खातीर एका हातांत आयदन आनी दुसऱ्या हातांत एक तलवार घेतली. ते तलवारीन भिक्षा घालतल्याचो हात ताका कापपाचो आशिल्लो. धाकले कुंवरेन ताणें हातांत धरिल्ली तलवार दाराच्या बुराकांतल्यान पळयली. वेळ करिनासतना तिणें आपले सुरयेन चोराच्या हातक घाय घालो.

कांय काळा उपरांत लडायेर गेल्लो राजा परत घरा आयलो. तें कळ्ळे उपरांत तो चोर एका राजकुंवराचो भेस घालून राजा कडेन गेलो आनी ताचे व्हडले धुवेक मागणी घाली. राजान भोव खोशयेन लग्नाक मान्यताय दिली. राजान तिचें लग्न त्या नकली राजपुत्रा कडेन करून दिलें. ताणें राजकन्येक आपलें कुडींत व्हरून मारून उडयली. तिचें प्रेत लागींचे एके कुडींत उडयलें. थंय खूबश्या लोकांच्यो कुडी पातळिल्ल्यो आशिल्ल्यो. मागीर तो राजा सरेन परत गेलो आनी ताणें आपली बायल खूब दुयेंत आसा अशें सांगून दुसरे कन्येक मागणीं घाली. राजाचे मान्यतायेन दुसरी कन्या चोराच्या घरांत पावली. थंय तिका आपली व्हडली भयण दिसली ना. ताणें आपले नवे बायलेक जेवणा खातीर रोस करपाक सांगून तो भायर सरलो. जेन्ना तो परतून घरा आयलो तेन्ना तिका मारून तिका पयलींचे कुडींत उडयली. उपरांत तो राजाकडेन तिसरे चलयेचो हात मागूंक गेलो. कारण विचारल्यार आपली दुसरीय बायल दुयेंत पडल्या म्हणून ताणें राजाक सांगलें. राजान आपली तिसरी कन्या त्या चोराचे सुवादीन केली. घरा पावतगीर चोरान धाकले कन्येक रोस रांदपाक सांगलें आनी तो भायर सरलो. तिणें खूब रोस रांदलो आनी ते कुडींत मरपाक पडिल्ल्या दुयेंत लोकांक पियेवपाक दिलो. त्या सगल्या लोकांक भायर काडलें आनी एके गाडयेंत बसोवन तांचेर सुकें तण घालून तांकां लिपयलें आनी ती गाडी पयस व्हरपाक सांगलें. मागीर आपूण एके खास गाडयेंत बसली आनी दोनूय गाडयो घेवन ती आपल्या आवडट्या राजकुंवरा लागीं गेली. तिचे आवय-बापूय सामके खोशी जाले. तांणी तिका राजकुंवरा कडेन लग्न जावपाक सांगलें.

चोर आपल्या घरा आयलो. राजकन्या थंय ना हें पळोवन सामको रागार जालो. मागीर तो एका जादुगारा कडेन गेलो आनी आपणाक एके बाटलेंत बंद करून ती बाटली राजकुंवराक उत्तम सोऱ्याची बाटली म्हणून ताच्या लग्नसुवाळ्यांत भेट म्हणून धाडून दी अशें ताणें जादुगाराक सांगलें. जादुगारान तशें केलें. राजकुंवरी ती सोऱ्याची बाटली पळोवन खोशी जाली. ते बाटलेचें तोंड

समसारकें बंद करून ती बाटली आपणाल्या पलंगा मुळा दवरपाचो तिणें आदेश दिलो. राती कडेन तिणें घडिल्ली सगली गजाल राजकुंवराक सांगली. बाटलेंतल्या चोरान भायर येवपाचो हरप्रयत्न केलो. पूण ताचे यत्न फुकट गेले. दुसऱ्या दिसा राजकुंवर आनी राजकुंवरी हांचें लग्न जालें. रात जातगीर तिणें एक कळसुलीभर उदक खतखतावपाक सांगलें आनी त्या शिजिल्ल्या उदकांत ती सोऱ्याची बाटली बुडोवपाक सांगली. मागीर बाटली फोडली तेन्ना तांतल्यान मेल्ल्या चोराची कूड भायर पडली. सगल्यांनी राजकन्येक शाबासकी आनी आशिर्वाद दिले.

तळटिपो :-

1- ही काणी आंतोनेन गोमिश (पिराय 14 वर्सां) हिणें पुर्तुगेजींत बरयली. ती मिस द कुन्य हांणी इंग्लीशींत अणकारली.

हे काणयेंत हुशार आनी शिट्रुक आशिल्ले धाकटे भयणीन चोराच्या तोंडाक पानां पुसलीं. ही ''ब्लू बिअर्ड'' काणी. ह्या संदर्भांत ''फोरबिडन चेम्बर'' (फोकलोर जर्नल भाग-3, पृ. 204-211), प्रकार दोन, ''डॅड हॅंड'' (गेल पिवपा विशींची सुचोवणी) आनी ''रॉबर चिफ'' (जानूंत चोर सूड घेवपा खातीर परतो येता आनी राणयेच्या म्हालांतले आरमारींत बंद जावन पडटा), ह्या काणयां विशींची हार्टलॅंडाची चर्चा पळोवची.

वायड अवेक स्टोरीस (स्टील अँड टॅंपल, 238) मदीं ''बार्बर्स क्लॅव्हर वायफ'' ही चोरांचें नाक कापता. कारण ते तिचे कुडींत जनेलातल्यान तकली घालून पळयतात (फॅन्सलर, 215 आनी टिपणां) हातूंत फिलिपीनी काणयो आस्सात. तातूंत अलीबाबाच्या प्रसंगांत चोराक बाटलेंत बंद करपाची घडणूक आस्सा. ते भायर सैतानाक बाटलेंत बंद करपाचे प्रसंग आस्सात. ह्या सगल्या काणयांनी पणजेच्या काणयांतले प्रमाणें सैतान आपूण जावन बाटल्यांनी बंद करून घेता वा बाटलेंत वता.

◆ ◆ ◆

10. गिदान पोशिल्लो भुरगो[1]

एका संस्थानांत एक श्रीमंत जोडपें रावतालें. खावन पियेवन सुखांत दीस सारतालीं. घोवाक आपल्या कामा खातीर पयसुल्ल्या गांवांत वच्चें पडलें.हेवटेन बायल गुरवार आशिल्ली. थोड्याच दिसांनी बाळांत जावपाची आशिल्ली. पूण आपूण आपल्या कामाक गेल्या बगर जावचेंना हें येवजून घोव दुसऱ्या गांवांत वचपाक भायर सरलो. वतना ताणें आपले बायलेक सांगलें, तिगेर पूत जल्माक आयलो जाल्यार हिरे आनी मोतयांचो पावस पडटलो. आनी धूव जल्मली जाल्यार सदांचेवरी पावस म्हळ्यार निखटें उदक पडटलें. अशें सांगून तो आपल्या प्रवासाक भायर सरलो.

थोड्याच दिसां भितर बायलेन पुताक जल्म दिलो. तिच्या बाळंटेरांत तिका मदत करपाक तिची भयण आयिल्ली. ती दुस्वाशी आशिल्ली. सुखांत नंदपी आपले हे भयणीची तिका सामकी नसाय आशिल्ली.बाळंटेरांत ती सामकी अशक्त जाल्ली.ते भायर तिचो घोव म्हऱ्यांत नाशिल्लो. म्हणून ती थतरवितर जाल्ली. ते परिस्थितीचो फायदो हे दुस्वाशी भयणीन घेतलो. तिगेर जाल्ल्या पुताक एका केळीच्या पानांत गुठलायलो आनी घराभायले वणटीचेर व्हरून दवरलो. आपले बाळांत भयणीक तिगेर सुण्यापेटो जल्माक आयिल्लो म्हणून आपणेंत्या पेट्याक भायर व्हरून उडयलो अशें सांगलें. निकतीच आवय जाल्ली ती खूब खंतावली. तिका खबर आशिल्लें, तिणें पुताक जल्म दिला म्हणून. पूण तिच्या दुर्दैवाक लागून वांट्याक आयिल्लें हें दुख्ख भोगपा बगर गत्यंतर नाशिल्लें.

हेवटेन केळीच्या पानांत गुठलावन वणटीचेर दवरिल्लें बाळक एका गिदाचे नदरेक पडलें. गिदान ताका आपल्या चपक्यांत घेतलें आनी हाडून आपल्या घोंटेरांत दवरलें. गिदान त्या पुताची एके आवय भशेन कुयदाद केली. मडवळण

ल्हान भुरग्यांच्या आंगा वयल्यो खोमश्यो धुवन सुकत घालताली. थंय वचून गीद ह्या माणकुल्या खातीर त्यो खोमश्यो उखलून हाडटालें. पदेर उंडें विकूंक वता तेन्ना ताच्या पांटल्यांतल्यान झोंपय मारून उंडें हाडटालें. त्या पुताक जाय आशिल्लें खाणें पीणें आनी कपडे हें गीद आवयचे मायेन सोदून हाडून ताची गरज भागयतालें. तो जेन्ना बारा वर्सांचे पिरायेचो जालो तेन्ना गिदान ताका एक गीत म्हणपाक शिकयलें. तें गीत पुतान रस्त्यांचेर भोंवतना म्हणप आनी भिक्षा मागप अशें गिदान पुताक सांगलें. भायर रखरखीत वतां पडटालीं. पूण भिक्षा मागले बगर पोट कशें भरतलें? म्हणून गीद ताका भिक्षा मागपाक धाडटालें. जेन्ना तो रखरखीत वतांतल्यान भोंवतालो तें वयल्यान उडत रावतालें आनी आपले पांखाटे सत्रे भशेन फुलोवन ताचेर सावळी धरतालें. आवयच्या काळजाची कितली ही माया! भिक्षा मागपा खातीर गिदान एक नाल्ली सोदून हाडली आनी ती पुताच्या हातांत दिली. ती हातांत घेवन पूत गिदान शिकयिल्लें तें गीत म्हणटालो -

केळीच्या खोल्यांत
गुठलायलो म्हाका
शेंवटिलो न्ही गा
वणटीचेर
गीद मावशेन म्हजेर
केली गा किरपा
बारा तीं वर्सां
सांबाळिलो
आजो म्हजो तो
नौ-सेनापती
आवय मायेस्त
रुपावंत
बाराबारा वर्सां
देशांतरा भोंवपी
श्रीमंत बाप्पा
राखण दी

हें ताचें गीत आयकतगीर सगल्यांक ताची भोव काकूट दिसताली आनी लोक ताचे कट्टेंत घसघशीत दुडू घालताले. तो पूत गीत गायतां गायतां भिक्षा मागीत गजाल्या वाड्या भायर पावलो. तेन्ना तो संस्थानीक म्हळ्यार ह्या पुताचो बापूय घरा पाविल्लो. ताणें पयलीं सांगिल्लें तशें जाल्लें. बारा वर्सां पयलीं एक दीस हिऱ्यांचो आनी मोतयांचो पावस पडिल्लो तेन्ना तो खोशी जाल्लो. आपल्यागेर पूत जाला म्हण समाधानी जाल्लो. आपूण घरा केन्ना वतलों आनी आपल्या

कुंवराक केन्ना पळयतलों अशें ताका जाल्लें. पूण घरा येतगीर खंयचे कडेन कांय ना. पूत जल्माक आयलो हें ताका खबर आशिल्लें. पूण आज मेरेन ताच्यान ताका सोदून काडूंक जमलें ना हाची ताका खंत आसली. जेन्ना ताणें हो गीत गायत भिक्षा मागपी पूत पळयलो, तेन्ना ताका हो आपलो पूत म्हण कळ्ळें. ताणें त्या पुताक खोदून-खोदून विचारलें. पुतान ताका खबर आशिल्लें तें सांगलें. गिदान आपणाक ल्हानाचो व्हड केलो. तें गीद हेंच आपलें सर्वस्व. ताचे भायर ताचो जल्म खंय जालो, तो गिदाच्या घोटेरांत कसो पावलो, तें ताका खबर नासलें.म्हणटगीर तो तें सांगूक शकलो ना.

मागीर बापायन पुराय चवकशी केली. सगल्या नोकरांक, शिपायांक आनी दासींक आपोवन हाडलें. सगल्यांक बारीकसाणीन विचारून घेतलें. तेन्ना एके दासीन घडिल्ली गजाल बापायक सांगली. आवयचे दुस्वाशी भयणीचें कर्तुब दासी कडल्यान कळटगीर बापायक तो आपलोच पूत हाची खात्री पटली. बापायन पुताक वेंग मारली. ताका आपले आवय म्हऱ्यांत व्हरून ताची अर्थअपुर्बाय केली. ताणी गिदाक सोदून काडलें. ताचे उपकार मानले. तीं सगलीं जाणां सुखान रावलीं आनी गिदाकय ताणीं केन्नाच अंतर दिलें ना.

तळटिपो :-

1- तीस वर्सांचे एके दायीन, साठ वर्सांचे दायीन आनी वीस वर्सांचे एके चलयेन ही काणी सांगली. ती मिस गोमिश हिणें बरोवन काडली.

बंगालचे एके काणयेंत (डे, 236), एक घोव आपले बायलेक एक भांगराची घांट दिता. भुरगें जावच्या वेळार ती घांट तिणें वाजोवपाची आसता. दुस्वाशी बायलो तिचे फाटल्यान लागून तिका पयलींच ती घांट वाजोवपाक सांगतात. मागीर घोव येवन तिका वायट उतरां दिवन सतायता. जेन्ना तिगेर जुंळीं भुरगीं जातात तेन्ना तो थंय येवंक पावना. त्यो बायलो त्या जुंळ्यांक व्हरून कुमाराच्या हांड्यांत दवरतात. रोखडोच, तो हांडो भाजपा खातीर कुमार उजो घालपाचो आसता. कुमार आनी ताची घरकान्न त्या जुंळ्यांक पळयता आनी तांकां आपलीं भुरगीं कशीं वाडयता. पारकर (क्र. 1,131) काणयेंत जर पूत जालो जाल्यार रुप्याची सरपळी हालोवपाची आनी धूव जल्माक आयल्यार लोखंडाची सरपळी हालोवपाची आसता. जातकाच्या जल्माच्या काणयांनी हिऱ्यांचो पावस पडप हें दैवी विभुतीचो जल्म जाल्याचें लक्षण मानपाची रीत आसा.

फ्रिअर, (87-102), काणयेंत गरूड निकतेंच जल्माक आयिल्ल्या भुरग्यांक चोरून व्हरता. बॉम्पासाच्या काणयांनी (289-292) गिदां भुरग्यांक रानांत रातभर सांबाळटात.तीं भुरगीं व्हड जातात तेन्ना तांच्या जिविता विशींचें गीत गायत गांवांतल्या घराघरांनी तांकां भोंवपाक लायतात.तीं आपली आवय-बापूय आशिल्ल्या गांवांत वचून गायतना तांकां ते वळखतात आनी स्विकारतात. गिदां आनी आवय-बापूय हांच्या झगड्यांत भुरग्यांच्यो तिस्त्यो जातात. आवय-बापूय शोक करतात. भुरगो मरतगीर ताचें प्रेत सरणार दवरतात. असलें मास केन्नाच खाल्लें नाशिल्लें भशेन सरणा वयलें भाजतें मडें गिदां मोटे रुचीन खातात. पारकराचे काणयेंत (क्र. 1:120-127) काळो पक्षी शेंणिल्ले चलयेक आपली चली मानून वाडयता आनी तिचे खातीर म्हारग्यो वस्ती चोरून हाडटा.

11. भाव-भयणीचीं भुरगीं [1]

एक आशिल्लो राजा आनी एक आशिल्ली राणी. तांकां एक पूत आनी एक धूव आशिल्ली. राजकुंवर आनी राजकुंवरी हांचीं लग्नां जावन बरोच तेंप जाल्लो. तरी तांगेर भुरगेंबाळ जालें ना. म्हणून सगलेच जाण मातशे चिंतेंत आशिल्ले. एक दीस राजकुंवर एके अप्सरे कडेन गेलो.ताणें आपलो भुरगें जावपा विशींचो हुसको तें अप्सरे लागीं उक्तायलो. अप्सरेन ताका एक सोरोप दिलो. तिणें राजकुंवराक सांगलें- तो सोरोप आशिल्ली दाली रातीं न्हिदतना ताचे बायलेच्या पलंगा पोंदा दवरपाची. सोरपाचो पयलो फोंसकारो ती आयकतली तेन्ना तिगेर पूत जल्माक येतलो. मागीर तो सोरोप ताचे भयणी कडेन पावोवपाचो. भयणीन दुसरो फोंसकारो आयकतगीर तिगेर धूव जल्माक येतली. राजकुंवर ती सोरपाची दाली घेवन घरा आयलो आनी आपले बायलेक सोरपाचो पयलो फोंसकारो लक्ष दिवन आयकुपाक सांगलें. तें ताचे भयणीन लिपयां आयकलें. भयण राती कडेन सामकी सादृर रावली आनी सोरपाचो पयलो फोंसकारो तिणें आयकलो. राजकुंवराचे बायलेच्या कानांत दुसरो फोंसकारो पडलो.

कांय दिसांनी राजपुत्राक लडायेचेर वच्चें पडलें. लडाय खूब वर्सां चल्ली. ताका लागून तो घरा येवंक पावलो ना. सुमारा भायर तेंप लडाय चल्ली. पूण राजपुत्राक घरचो हुसको आशिल्लो. म्हणून तो मर्दीच घरा आयलो. तेन्ना आपणाले बायलेगेर चली जाली आनी भयणीगेर चलो जालो हें ताका कळ्ळें. इतलेंच न्हय तर ती पिरायेन वाडिल्ल्यान आतेभावाचें मामेभयणी कडेन लग्न लेगीत जालें. आपले भयणीन आपणाक दगो दिलो अशें मानून राजपुत्र

मनांतल्यान खूब रागार जालो. आपल्या जावंयाक आतां सोंपयले बगर रावप ना अशें ताणें मनांत थारायलें. मागीर ताणें आपल्या जावंयाक आपणा बरोबर लडायेक वचुया म्हणून सांगलें. तेन्ना ताचे धुवेक आपल्या बापायचो दुबाव आयलो. बापूय आपल्या घोवाचें कितें तरी बरें वायट करतलो असो दुबाव तिच्या मनांत घोळूंक लागलो. म्हणून तिणें म्हणलें, "सांबाळ, सांबाळ, माथ्या वयलें फूल सांबाळ."बापायन जाप दिली, "मेलो जाल्यार मेलो. हेरां वांगडा गेलो. आडसर खावप सोंपें. सुको नाल्ल खावप म्हाकठीण." धूव म्हणूक लागली, "सांबाळ, सांबाळ, हातांतलें कांकण सांबाळ." बापायन परत जाप दिली, "मेलो जाल्यार मेलो. हेरां वांगडा गेलो."

राजपुत्र आनी ताचो जांवय लडायेर गेले. थंय पावतगीर राजपुत्रान तलवारीच्या एकाच घायान जावंयाची गोमटी कातरली. जेन्ना राजपुत्र परत आयलो तेन्ना ताणें आपलो जांवय लडायेंत मेलो अशें आपले बायलेक सांगलें. तें आयकून ताचे धुवेन सती वचपाची तयारी केली. तिणें सारी दाळ्ळी आनी पेटयली. राजपुत्राक आपले धुवेक वांचोवपाची इत्सा आशिल्ली. म्हणून राजपुत्रान एका गिदाचें रूप घेतलें. धुवेक आपल्या बापायचो बेत कळिल्लो. म्हणून सरण पेट्टगीर तिणे पयसुल्ल्यान एक व्हडलें फळकूट त्या उज्यांत शेंवटून दिलें. राजपुत्राक आपले धुवेनूच उज्यांत उडी घेतली अशें दिसलें. म्हणून गिदाच्या रुपांत आशिल्ल्या राजपुत्रान झोंपय मारून तें फळकूट आपल्या चबक्यांत घेवन तो पयस उडून गेलो. तें पळोवन ताचे चलयेन उज्यांत उडकी घेतली आनी आपणाक सोंपयली.

तळटिपो :-

1- ही काणी आंतोनेत झेमिता गोमिश (पिराय 14 वर्सां) हिणें सांगली.

एकनिश्ठ घोव-बायलां वा मोगी हीं लोकप्रीय अशा गायनांचे विशय आसात हें भारतांतल्या चडशा काणयांनी दिसता. पूण चड करून त्या काणयांचो शेवट हो शोकात्म आसता. संथाळ काणयांनी मात तिका वांचोवपाचो यत्न करतल्यांचें मन वळोवपाचो यत्नूय दिसता. (बॉम्पास, 128-129, 113). तळ्याकडेन घोव-बायल वतात आनी ती घोवा बाराबर तळ्यांत जीव दिता.

◆◆◆

12. धूव आनी आतेभाव[1]

एका श्रीमंत बापायची एक चली आशिल्ली. ती लग्नाची जातगीर तिका फावोशा श्रीमंत घराब्यांत लग्न करून दिवची अशें बापायक दिसतालें. पूण तिका आपल्या आतेभावा कडेन लग्न जावपाचें आशिल्लें. तो व्हड मनाचो पूण गरीब आशिल्लो. जेन्ना हें बापायक कळ्ळें तेन्ना ताणें आपले भयणीच्या ह्या पुताक देशांतराक धाडून दिवपाचें थारायलें. आनी तशी वेवस्था केली. कांय दिसांनी ताचे धुवेन वर्तमानपत्रांत वाचलें की, बापायन तिच्या मोग्याक ज्या तारवा वयल्यान देशांतराक धाडिल्लो तें तारूं दर्यांत बुडून सगलें लोक मेले. तिणे हे घडणुकेचो धसको घेतलो आनी ती सामकी दुख्खी जाली. दुयेंत पडली. जेन्ना तारूं दर्यांत बुड्चे पयलीं फुटलें तेन्ना ताची एक फळी घट्ट धरून हो मोगी दर्याच्या पाळां बाराबर देगेक पावलो. ताचो जीव वांचलो. पूण खातलो कितें? म्हणून तो लागींच्या गांवांत भोंवून भिक्षा मागूंक लागलो. घरा परत येवपा खातीर खर्च करपाक ताचेलागीं कांयच नाशिल्लें. म्हणून तो हाचेताचे कडेन मागून पयशे एकठांय करूंक लागलो. हेवटेन ही धूव दुयेंत आशिल्ल्यान एक दायी तिची सेवा करताली.तांचो एक आवडटो सुणो आशिल्लो.

वाटखर्चाक पुरो इतले पयशे जमतगीर दर्यांतल्यान जीव वाटावल्लो मोगी परत घरा आयलो. तेन्ना आपली जावपी व्हंकल दुयेंत पडून मेली अशें ताका कळ्ळें. दोंगरायेदें दुख्ख ताच्या वांट्याक आयलें. तो तारवार वच्चे पयलीं व्हंकलेन ताका कार्मेल सायबिणीचें एक पदक दिल्लें. ती कार्मेल सायबिणीची भक्त आशिल्ली. दर शुक्राराक ती गरिबांक दान करताली. ती बिरेस्ताराक मेली.

ताका लागून तिची दाया गरिबांक दान दिताली. तिचे फटोफाट तांचो तो आवडटो सुणो आशिल्लो. सगल्या घरांत मर्णाची किण्णाट पडिल्ली. तो मोगी थंय पावलो तेन्ना ताणें हें सगलें पळयलें. ती दायी ताका वळखली ना. पूण तो सुणो वास घेवन जातगीर ताका वळखलो. ताणें आपली व्हंकल खंय आसा अशें ते दायीक विचारलें. ताची व्हंकल संवसार सोडून गेली आनी तिका शिमितेरींत पुरल्या अशें तिणें सांगलें. थतरवितर जावन तो धांवतधांवत शिमितेरींत गेलो. ताचे फाटोफाट तो सुणोय गेलो. दोगांनीय मेळून फोंड उस्तिलो. मागीर तो फोंडांत देंवलो. व्हंकलेचो उमो घेतलो आनी ताणें थंयच जीव सोडलो. सुण्यान फोंड पुरयलो. मागीर त्या फोंडार बसून सुण्यानूय जीव सोडलो.

तळटिपो :-

1. ही काणी हेलेन एदुआर्द लोपिश पेरैर हे 11 वर्सां पिरायेचे चलयेक तिचे आवयन पुर्तुगेजींत सांगिल्ली. ती मिस द कुन्य हांणी इंग्लीशींत अणकारली.

◆ ◆ ◆

13. दुसऱ्याचें बरें करता ताचें बरें जाता

एका राज्यांत एक राजा आनी राणी रावतालीं. तांकां एक अपुरबायेचो पूत आशिल्लो. राणी गरजेवंतांक भिक्षा दिताली. ती भिक्षा व्हरपाक एक गरीब म्हातारी सदांच येताली. तिगेली एक सुंदर चली आशिल्ली. ते चलयेचे सुंदरकायेक लागून राजपुत्र तिचे कडेन आकर्शीत जाल्लो. म्हणून तो सदांच ते चलयेक मेळपाक वतालो. आपलो राजपुत्र ते गरीब म्हातारेचे चलयेक सदांच मेळटा हें राणयेक खबर नाशिल्लें. म्हातारी मात सदांच येवन राणये कडल्यान भिक्षा घेवन वताली. तेन्ना ती राणयेक म्हणटाली, "दुसऱ्याचें बरें करता ताचें आपसुकूच बरें जाता." राणी ते म्हातारेच्या म्हणण्याचो अर्थ सदांच सोदताली.

राणयेन एक दीस पदेराक आपयलो आनी एक व्हडलो केक तयार करपाक सांगलें. पूण त्या केकाच्या मदोमद वीख कालोवपाक सांगलें. पदेरान तसलो केक करून राणये कडेन हाडून दिलो. दुसऱ्या दिसा जेन्ना ती म्हातारी भिक्षा मागूंक आयली तेन्ना राणयेन तो विखारी केक म्हातारेक दिलो. म्हातारेन सदां भशेन राणयेक म्हणलें, "दुसऱ्याचें बरें करता ताचें आपसुकूच बरें जाता." ती केक घेवन गेली. चलतां चलतां पुरो जालें म्हणून म्हातारी एका रुखा पोंदा बसली. बांगडा आशिल्लो केक उशा कडेन दवरून ती आड पडली. केन्ना दोळो लागलो तें तिका कयळेंच ना. जेन्ना ती न्हिदली तेन्ना एका सुण्यान तिचो केक फारायलो. जेन्ना ती जागी जाली तेन्ना तो केक कोणें तरी व्हेलो हें तिका समजलें.

दुसऱ्या दिसा सदचे प्रमाण ती राणयेच्या दारांत भिक्षा मागपाक उबी रावली. आपणें दिल्लो तो विखारी केक खावन लेगीत ही म्हातारी जिती कशी

उरली हें येवजून राणी अजापली. तिणें म्हातारेक भिक्षा घाली तेन्ना म्हातारेन सदचें पालुपद म्हणलें, ''दुसऱ्याचें बरें करता ताचें आपसुकूच बरें जाता.'' राणयेन पदेराक आपयलो आनी चड वीख घालून दुसरो केक करपाक सांगलें. ताणें तसो केक करून राणये कडेन पावयलो. दुसऱ्या दिसा जेन्ना म्हातारी भिक्षे खातीर आयली तेन्ना तो केक तिका दिवन राणी मेकळी जाली. म्हातारेन म्हणलें, ''दुसऱ्याचें बरें करता ताचें आपसूकूच बरें जाता.'' राणी तें आयकून परत चिंतूंक लागली. म्हतारी केक घेवन घरा आयली. पळय जाल्यार थंय राजपुत्र तिचे चलयेक मेळपाक आयिल्लो आशिल्लो. येतनाच म्हातारेन म्हणलें, ''हांवें तुमचे खातीर गोडशें खाण हाडलां'' अशें सांगून तिणें त्या केकाचो एक कुडको कापून घरांत आयिल्ल्या सोयऱ्याक -राजपुत्राक दिलो. राजपुत्रान तो खालो आनी खिणा भितर तो मेलो. म्हातारी सामकी भियेली. हें आनीक कसलें अरिश्ट आयलें आपणाचेर अशें येवजून तिणें बेगोबेग राजाच्या शिपायांक कळयलें.

शिपाय आयले. म्हातारेच्या घराची झडटी घेतली. म्हातारेन घडिल्ली संपूर्ण गजाल शिपायांक सांगली. शिपायांनी राजपुत्राची कूड राजवाड्यांत हाडली तेन्ना राणी आकांत करूंक लगली. तेन्ना म्हातारेन तिका सांगलें, जालें तें सगलें राणयेक लागून जालें. म्हातारेन आपलीं उतरां परतून राणयेक आयकलीं, 'दुसऱ्याचें बरें करता ताचें आपसुकूच बरें जाता. दुसऱ्याक दुख्ख दिता तो स्वताच दुख्ख भोगता. आतां मरण कोणाच्या वांट्याक आयलें? तुज्या पुताच्या. म्हजे धुवेच्या वांट्याक न्हय.''

तळटिपो :-

1- ही काणी मिस आमेलिया लॉरेना हे नांवाजते घराब्यांतले पुर्तुगेज बायलेन सांगली आनी मिस द कुन्य हांणी अणकारीत केली.

ही काणी अपूर्ण आसा. राणी केकांत वीख कित्याक कालयता ताचें कारण सांगूंकना. तरीकय वाचतल्याक तें कळटा. ते गरीब भिक्षा मागपी बायलेचे धुवेचेर राजपुत्र मोग करता म्हणून राणी तें कर्तूब करता. ग्रीम-22 कडेन तुळा करची. पूर्वे कडल्या ह्या काणयांचें तात्पर्य एकसारकेंच आसता. ''जेन्ना कोणूय दुसऱ्यांक मारून उडोवपाक वता तेन्ना तेवूय बी मरतात'' हो सारांश सिंहली काणयेचो आसा. (पारकर, क्र. 1;196)

◆◆◆

जनावरांच्यो काणयो

14. मोनजात आनी चोर[1]

राजान आनी राणयेन सोयऱ्यांक जेवणावळ घालपाची थारायली. मागीर रांदप्याक आपोवन तांणी पोशिल्लें व्हडलें हांयस (बदक) मारपाक सांगलें. ताची शागोती जेवणावळीचें मुखेल आकर्शण आशिल्लें. राणयेन रांदप्याक दिल्लो हो आदेश त्या हांयसान पयलींच आयकलो आनी ताणें वाट मेळटा तेवटेन धांवपाक सुरवात केली. हांयसाक वाटेर कोंबो मेळ्ळो. कोंब्यान हांयसाक विचारलें, "तूं कित्याक धांवता?" ताणें सांगलें, "राणयेन म्हाका मारपाचो आदेश दिला. म्हणून तातूंल्यान सुटपा खातीर हांव धांवतां." कोंब्यान सांगलें, "म्हजोय धनी म्हाका मारपा विशीं अशेंच कितें तरी उलयतालो तें हांवें आयकलां. हांवूय तुजे वांगडा येतां. ना जाल्यार धडगत ना."अशें म्हणून कोंबो हांयसा वांगडा धांवूंक लागलो. वाटेर तांकां धांवपी एक गाढव मेळ्ळें. ताणें हांयसाक आनी कोंब्याक धांवपाचें कारण विचारलें. तिणे खरी गजाल सांगली. मागीर गाढवान आपली तक्रार सांगली. "म्हजी मालकीण व्हडलें वजें घेवन बाजाराक वचपाची आसा. म्हजे फाटीर घालपाचें हें व्हडलें वजें पळोवन हांव भियेलां. तें चुकयतलो जाल्यार पळून वचपा बगर गत्यंतर ना. चला हांवूय येतां तुमचे वांगडा." अशें म्हणून तोय लागलो तांच्या वांगडा धांवपाक. धांवतां धांवतां फुडें मेळ्ळें एक माजर. ताणें हांकां धांवपाचें कारण विचारलें. तांणीं खरें तें सांगलें. माजर म्हणपाक लागलें, "मालकिणीन उजरावन दवरिल्लें नुस्तें हांवें खावन उडयलें. त्या रागान तिणें म्हाका मारून उडय म्हणून आपल्या घोवाक सांगलां. तांच्या तोंडांतल्यान

सुट्टलों जाल्यार तुमचे बाराबर गेल्लें बरें." इतलें सांगून तेंय तांचें भितर सामील जालें. हांयस, कोंबो, गाढव, आनी माजर अशी ही इलामत धांवत सुटली.

धांवतां धांवतां रात जाली. मुखार एका घरांत तांकां उजवाड दिसलो. म्हणून तीं सगलीं जाणां घरा कडेन आयलीं. भितर कितें चल्लां हाचो अदमास घेतगीर, तें घर म्हळ्यार चोरांचो अड्डो म्हणून तांकां कळ्ळें. घरांत कितें आसा तें पळोवपाची तांकां उमळशीक आशिल्ली. पूण जनेल खूब वयर आशिल्लें. म्हणटगीर तांणी जनेला मेरेन नदर पावपा खातीर गाढवाक जनेला सकयल उबें रावपाक सांगलें. ताचेर उबें रावलें माजर. माजराचेर हांयस आनी हांयसाचेर कोंबो. मान लांब करून कोंब्यान भितर पळय जाल्यार थंय मेजार तरेकवार खावपाचे जिनस मांडून दवरल्यात. कोंब्यान आपल्या तिनूय इश्टांक भितर कितें चल्लां तें सांगलें. खावपाचे जिनस आसात पूण थंय कितलेशेच चोर गजाली करतात. ते चोर खंयच्याय खिणाक भायर येवन हांचेर घुरी घालीत ह्या भंयान चारूय जाणांनी वरड मारपाक आरंब केलो. गाढवान हीं-होंऽऽ अश्यो आड्ड्यो मारल्यो. माजर म्यांवम्यांव करपाक लागलें, हांयस क्व्यँकऽक्व्यँकऽ करून बोवाळ करूंक लागलें आनी कोंब्यान तर काँकाँचकाँऽऽ असो व्हडाव्हडान साद घालून वाठार गाजयलो. घरा भायल्यान अकस्मात जाल्ल्या ह्या आवाजान चोर भियेले आनी तांणी फुज्यो काडल्यो. काळखांत ते पळून गेले.

ते गेले उपरांत हे चौगूय इश्ट घरांत भितर गेले आनी मेजा वयल्या खाणांचेर तांणी बरो ताव मारलो. पोटभर खाण जातगीर तांणी आतां ताणून दिवपाचें थारायलें. माजर गेलें रांन्नीपोल्लांत, गाढव दारांत आडवें जालें, कोंबो दुर्गार बसलो आनी हांयस पोरसांत पातळ्ळें. खूब वेळान चोर परत त्या घरा लागीं आयले. पळोवया तरी भितर कोण आसात तें अशें येवजून तांणीं एकल्या चोराक भितर धाडलो. तो चोर दरवट्यांत पावतना गाढवान ताचेर सडक लाथ मारली. मागीर तो चोर रांदचे कुडींत गेलो. थंय ताका माजरांचे दोन दोळे लिकलिकतना दिसले. रांदनी पोल्लांतले इंगळे अशें समजून ताणें इंगळे पेटोवपाक म्हणून माजराच्या दोळ्यांक हात घालो. माजरान दावखुलां मारून चोराचो हात फोडून उडयलो. मागीर तो धांवत पोरसांत गेल्ले कडेन हांयसान ताका कोंचाय कोंचाय कोंचायलो. ती संद सादून कोंबो ताचे तकलेर बसलो आनी तकलेक चोंची मारीत साद घालूंक लागलो. सोसूं नजं जावन तो चोर धांवत आपल्या सांगात्यां लागीं आयलो. त्या घरांत गेल्ले कडेन आपणाची कशी दुर्दशा जाली ती ताणें सांगली. तें घर भुतांनी

भरलां म्हणून आपणाली अशी आवतिकाय जाली अशें ताणें हेर सांगात्यांक पटोवन दिलें. त्या भंयान चोरांनी तें घर सोडून दुसरें घर सोदूंक गेले. मागीर हांयस, कोंबो, गाढव आनी माजर त्या घरांत इश्टागतीन रावले.

तळटिपो :-

1- मिसेस द गामा हिणें ही काणी सांगली. मिस द कुन्य हांणी इंग्लीशींत अणकारली.

ही काणी म्हणल्यार ब्रिमेन टावन म्युझिशियन (ग्रीम-27) चें एक रूप पार्सन, 187, 188 कडेन तुळा करात.

◆ ◆ ◆

15. जल्लो आनी हुंदीर[1]

एक आशिल्लो जल्लो. ताका लग्न जावची उमळशीक आशिल्ली. म्हणून ताणें दरज्या कडेन वचून भोव बरे कपडे शिंवून घेतले. ते कपडे आंगार चडोवन ती जल्लो व्हंकल सदांच आपल्या जनेला कडेन बसताली. ज्या जनावराचो आवाज मधूर आसा ताचे कडेन ती लग्न जावंक सोदी. एकदां तेवटेन एक सुणो वतालो. ताणें हे जल्लो व्हंकलेक शिरंगारून जनेलांत बशिल्ली पळयली. जनेलांत बसून कितें करता? अशें सुण्यान व्हंकलेक विचारलें. "हांव लग्न जावपाक घोव सोदतां. तूं म्हजे लागीं लग्न जावशी?" व्हंकलेन विचारलें. सुण्यान भोव खोसयेन सांगलें, "हय." "तुका गावपाक येता?" व्हंकलेन सुण्याक विचारलें. ताणें भोंकपाक आरंब केलो. भोंक - भोंक - भोंक." सुण्याच्या भोंकपान जल्लो-व्हंकलेची भियेवन गुळी जाली. आपणाक असल्या आवाजाच्या घोवा बाराबर रावंक जमचें ना अशें सांगून तिणें सुण्याक मेकळो केलो.

मागीर व्हंकलेक मेळ्ळें एक हांयस. त्या बदकाक व्हंकलेन लग्ना विशीं विचारतगीर ताणें हयकार दिलो. मागीर व्हंकलेन सांगतगीर ताणें आपलो आवाज "क्वॅक-क्वॅक-क्वॅक" करून आयकयलो. व्हंकलेक तो आवाज मानवलो ना. मागीर व्हंकलेन हांयसाक वाटेक लायलो. ताचे उपरांत मेळ्ळें एक माजर. ताणें व्हंकलेक "म्यांव-म्यांव-म्यांव" करून दाखयलें. तेंय व्हंकलेक पसंत पडलें ना. इतलें मजगतीं थंय एक हुंदीर येवन व्हंकलेक विचारपाक लागलो. "तूं म्हजे कडेन लग्न जाता?"तिणें म्हणलें, "तुजो आवाज पयलीं म्हाका आयकूंक दी. पसंत पडल्यार

जावया लग्न.''हुंदरान केल्लो आवाज व्हंकलेक मानवलो आनी तीं दोगांय लग्न जावन मेकळीं जालीं.

जल्लो -व्हंकलेन लग्न सुवाळो मनोवपा खातीर बरें रांदलें. रांदिल्लें तव्यार दवरून ती उंडो हाडपाक भायर गेली. हेवटेन हुंदराक जेवणाच्या वासान तळमळे सुटले.केन्ना एकदांचें तें रांदिल्लें खातां अशें ताका जालें. ताणें तें सगलें खालें आनी निमणे कडेन त्या तापिल्ल्या तव्यार पडून भाजून मेलो. व्हंकल उंडो घेवन तार्कतिकेन घरा आयली. पूण तिका हुंदीर खयंच दिसलो ना. ती ताका सोदूंक लागली. तेन्ना तिका तव्यार भाजून मेल्लो हुंदीर दिसलो. ती दुकांनी रड रड रडली. तेन्ना तिणें थारायलें-परत केन्नाच लग्न जावप ना. असली काणी, तोंडाक घाणी.

तळटिपो :-

1- मिसेस द गामा हिणें ही काणी कोंकणींत सांगली आनी मिस द गामा हिणें इंग्लीशींत अणकारली.

काबु वेर्दे बेटां वयल्या काणयेंत (पार्मन, 205) सर बिग जॉन रॅट आनी सुझान घोव-बायलां मेळून शेतांत वावराक वच्चें पयलीं रांदतात. शेतांत गेल्लो घोव आंगीच घरा येता आनी आयदनांतलें रांदप पुसून खावपाचे गडबडींत त्या आयदनांत पडून मरता. ती घरा येता तेन्ना तो मेल्लो पळोवन शोक करता.

अशेंच एकें काणयेंत राजकन्या लग्नूच जावची ना म्हणटा. पूण जो बरो आवाज काडटा ताचे कडेन जातली म्हणटा. ती माकोड, घोडो आनी हुंदीर हांचो आवाज आयकता. हुंदराचो आवाज तिका आवडटा. मागीर ती ताचेकडेन लग्न जाता. नॉर्वेजियी काणयेंत कोलो धनगरा कडेन आवाजाची परिक्षा करपा खातीर वेळ मागून घेता. (नॉर्वेजियी फॅरीटेल्स. अस्बझॉर्संन-मो, अणकार: गडे, अमेरिकन स्कॅंडिनेव्हियन सोसायटी 1924, पृ. 16-17).

◆ ◆ ◆

16अ. माकोड आनी माकडीण[1]

एक आशिल्लो राजा. ताची एक राणी आशिल्ली. तांगेर भुरगेंबाळ नाशिल्लें. तीं देवा कडेन आपणाक भुरगें दी म्हणून मागतालीं. राणी भुरग्या खातीर आशेल्ली. पूत, धूव नासल्यार माकड कांय जायना, घाल आपल्या पदरांत म्हणून देवाक पराथ्थाली. आनी तशेंच जालें. राणयेगेर माकोड जल्माक आयलो. तो माकोड सगल्यांक त्रास दितालो. म्हणून राजाक सदांच ताचो राग येतालो. राजाचो राग सोसूंक जायना जालो. मागीर राजान एक दीस आपल्या शिपायांक आपयलें आनी त्या माकडाक मारून उडोवपाक सांगलें. आपलो बापूय आपणाक मारून उडोवपाक सोदता हें माकडाक कळ्ळें. म्हणून एक दीस माकडान मेल्ल्याचें सवंग केलें. राजान आपल्या शिपायांक आपयलें आनी माकडाक पुरून उडोवपाक सांगलें. माकोड सामको अवचिन्न आशिल्लो. राजाचे शिपाय माकडाक घेवन गेले. तांणी फोंड खणलो आनी ते माकडाक फोंडांत घालतले, इतल्यांत माकडान व्हडली उडकी मारली आनी तो रानांत पळून गेलो.

थंय माकडाक एक माकडीण मेळ्ळी.ताणें तिका आपणा कडेन लग्न जावपा विशीं विचारलें. तिणें हयकार दिलो आनी तीं दोगांय लग्न जालीं. मागीर तीं दोगांय हातांत हात घालून चलूंक लागलीं. वतां वतां तांकां एक बोरांचें झाड दसलें. झाडार कितलींशींच बोरां पिकिल्लीं. माकडान तें पिकिल्ल्या बोरांनी भरिल्लें झाड माकडिणीक दाखयलें. ''गोड बोरांचें झाड तुवें केन्ना पळयलां?'' माकडान आपले बायलेक विचारलें. ती म्हणपाक लागली आपणें आंबट बोरांचें झाड पळयलां. ताणें माकडिणीक सकयलूच रावपाक सांगलें. म्हुणूंक लागलो,

आपूण झाडार चडटां आनी माकडिणी खातीर बरीं गोड बोरां उडयतां. ती बसली सकयल आनी तो चडलो झाडाचेर. तो पिकिल्लीं बोरां वेंचून वेंचून खाता आनी गुठयो सकयल उडयता. तिका माकडाच्या ह्या कर्तुबाचो खूब राग आयलो. माकडान उडयिल्ल्यो सगल्यो गुठयो तिणें पुंजायल्यो आनी आपणा बाराबर घेतल्यो. बोरां खावन जातगीर माकोड सकयल देंवलो आनी तीं दोगांय वाट चलूंक लागलीं.

वतां वतां माकडिणीन माकडाक म्हणलें, "हांवे एक भोव मौजेची गजाल पळयल्या पूण हांव ती तुका सांगचीं ना". "सांग मुगो, सांग मुगो, म्हजी मोगाची बायल ती" माकडान फुसलायली. "तूं द्वाडपणां करता, मस्कऱ्यो करता. हांव तुका सांगचींच ना." मार्कडिणीन म्हणलें. तो सामकोच फाटीक लागलो तेन्ना तिणें माकडाक रोसाळ म्हुट्ट्यांनी भरिल्लो एक रूख दाखयलो. माकडान वेळ केलो ना. तो सपसप करून रुखार चडलो आनी म्हुट्टे खावंक लागलो.म्हुट्टे खाता आनी चुंमळां सकयल उडयता. मार्कडिणीक ताचो खूब राग आयलो. तिणें सकयल उडयिल्लीं सगलीं चुंमळां एकठांय करून वांगडा घेतलीं आनी दोगांय वाट चलूंक लागलीं.

चलतां चलतां माकडिणीन रुखार आशिल्लें म्हींवा पोळें पळयलें. तिणें माकडाक म्हणलें, "आतां म्हाका आनीक एक कितें दिसलां. पूण हांव तें कोणाकूच सांगचीं ना." पूण माकोड तिची फाट सोडीना जालो. मागीर तिणें रुखा वयलें म्हींवा पोळें ताका दाखयलें. आपूण वयर चडून म्हींवा पोळ्याचे कुडके सकयल उडयतां, मागीर तिणें पोटभर म्हींव पियेन घेवचें, अशें सांगून तो तुरुतुरू करून रुखा वयल्या म्हींवा पोळ्याकडेन पावलो. पोळ्याचे कुडके काडटा आनी बेगोबेग म्हींव चोखता. मागीर उरिल्लें मेण सकयल उडयता. माकडीण बावडी आपणाक म्हींवापोळ्या कुडको मेळटलो म्हणून वाट पळयता. पूण तिच्या वांट्याक आयलें तें माकडान उडयिल्लें मेण. तें तिणें एकठांय करून घेतलें आनी रागान ती चलूंक लागली. तिका माकडा लागीं उलोवपाचें नाशिल्लें आनी ताचें कांयच आयकुपाचें नाशिल्लें.

ती गेली आनी वांगडा हाडिल्ल्यो गुठयो, चुमळां आनी मेण वापरून तिणें एक फावोशें घर बांदलें. माकडान घर बांदलें शेणाचें. थोड्या दिसांनी घोग्यांनी पावस रकलो. त्या पावसांत माकडाचें शेणाचें घर गेलें व्हवून. मार्कडिणीन बांदिल्लें मेणाचें घर मात तश्शें उरलें. माकोड पावसांत कुडकुडलो. धांवत धांवत मार्कडिणीच्या घरा मुखार आयलो आनी मार्कडिणीक विनोवपाक लागलो. आपणाक तिच्या घरांत घे म्हणून काकुटेक आयलो. मार्कडिणीक ताका घरांत

घेवपाचो नासलो. पूण आपूण माकडिणीचो नोकर जावन सगलीं कामां करतलों अशें ताणें उतर दितगीर माकडिणीन ताका दार काडलें आनी घरांत घेतलो.

तीं त्या घरांत सुखान रावतालीं. एक दीस माकोड माकडिणीक म्हणूंक लागलो "आमी आमच्या सगल्या इश्टां खातीर एक भूस घालुया." माकडिणीन घरांत रांदचें आनी आपूण सगल्या इश्टांक आपयतां अशें सांगून माकोड भायर सरलो. तांकां जेवपाक आपोवपा बदला तो बोवाळ मारीत गेलो "धांवात धांवात रे चोर येतले."

ते मेरेन माकडिणीन घरांत बरीं रांदपां करून दवरलीं. माकोड येवन सांगपाक लागलो- आपणें सगल्यांक आपयलें, पूण ते सगले पळून गेले. हें आयकून तिका माकडाचो खुबूच राग आयलो. आपूण वचून सगल्यांक घेवन येतां अशें सांगून ती भायर सरली. माकडाक घरा दवरलो रांदपां राखपाक आनी ती गेली. तिणें सगल्यांक सांगलें, "धांवनाकात, पळनाकात. हांवें भोव बरें रांदलां तुमचे खातीर. आमगेर येयात. पोटभर जेवात." सगल्यांक एकठांय करून घेवन ती घरा आयली. पळय जल्यार मकडान सगलें रांदप खावन फस्त केल्लें आनी तो घराच्या पाडसार वचून न्हिदला. ताची शेंपडी मात अळंग लांबता. माकडाच्या ह्या कर्तुबाक लागून चाळवल्ले माकडिणीन कांकाडो पेटयलो आनी माकडाचे लांबते शेंपडेक लायलो. माकोड भाजून मेलो.

तळटिपो :-

1- पणजी शारांतलें जण एक भुरगें ही लोकप्रीय काणी तांच्या आवय-बापाय कडल्यान ना जाल्यार आयां कडल्यान आयकता. हे काणयेंचें पयलें रूप (अ) मिस आमेलिया लोरेना हिणें पुर्तुगेजींत सांगिल्लें आनी ती काणी मिस द कुन्यन इंग्लीशींत अणकारली. ते काणयेचें दुसरें रूप (ब) मिसेस शाव्हिएर हिणें कोंकणींत सांगलें तें मिस द गामान पुर्तुगेजींत बरोवन काडलें.

पेंटामेगेन काणयेंत (दुसरी काणी, पयलो दीस) भुरग्या खातीर आशेल्ली बायल "भुरगें म्हण म्हाका फुलझाडाची ताळी लेगीत चलता" अशें म्हणटा. पुर्तुगेज काणयेंत (पेद्रोसो, 105) "म्हजो पूत घोंड्याची तकली आशिल्लो जाल्यार लेगीत जाता" अशें म्हणटा. फिलिपिनी काणयेंत (फॅन्सलर, 178-179) भुरगें नाशिल्लें जोडपें आपणाक "माकोड जरी म्हज्या पोटांत जल्माक आयलो तरी आमकां चलता" अशें म्हणटा. संदर्भ स्टोक्स, 41, बॉम्पास, 56-60, 201-206.

तिबेटी काणयेंत (वॉन शिफनर, 177-181) एक बापूय आपले धुवेचें लग्न एका कुरूप ब्राम्हणा कडेन करता. तांचें कारण म्हणल्यार ताचें गिन्यान आनी कांटेकोरपणा. घरा वतना वाटेर तो मांडा वयल्यान थोडें उदक, जेवण आनी मास घेता. पूण तांतलें कांयच तो आपले

बायलेक दिना. कारण संहिता थारावपी गुरुंनी आनी ऋर्षीनी बायलांक तें खावपाक बंदी घाल्या, अशें ताचें म्हणणें. तो रुखार चडटा. पिकिल्लीं फळां आपूण खाता आनी सकल आशिल्ले बायलेक हरवीं फळां उडयता. जेन्ना तीय रुखार चडटा तेन्ना तिचे वाटेर कांटे दवरता आनी तिका थंयच सोडून येता. राजा जनकाक ती मेळटा तेन्ना तिचे कडेन तो लग्न जाता. मागीर तिचो पयलो घोव तिचेर हक्क सांगपाक राजवाड्यांत येता. पूण ताचे यत्न फुकट वतात.

संथाळ काणयेंत (बॉम्पास, 212-214), माकोड झाडार चडटा आनी फळां सकयल आशिल्ले बायलेख्रानीर उडयता. त्या फळांक माकडान दांत लायिल्ले आशिल्ल्यान ती फळां खायना. कारण ताणें सांडिल्लें तें तिका खावपाचें नासता.

काबु वेर्दे जुंव्यां वयले काणयेंत (पार्सन्स, 125) तीन पूत एका शिंवा बागबर भोंवडेक वतात. दोग जाण मास खावन शिंवाक हाडां घालतात. मावो खावन वाली शिंवा मुखार उडयतात. बटाट आपूण खातात आनी शिंवांक साली दितात. पिकीं अंजिरां खातात आनी हरवीं शिंवा मुखार खावपाक उडयतात. धाकलो भाव मात शिंवा बागबर खाता-जेवता. आपूण खाता तीं बरीं बरीं खाणां शिंवाकूय दिता. उपकार मानपी शींव धाकल्या भावाक कठीण प्रसंगार वांचयता.

फिलिपिनो काणयेंत (फॅन्सलर, 366) माकोड रुखार चडटा. ताचो इश्ट कांसव मुळांत रावता. माकडान ताका अर्दी फळां दिवपाचें थारायिल्लें आसता. पूण माकोड वयर चडून फळां खाता आनी साली कांसवाक सकयल उडयता. अशाच रुपांत ही फसोवपाची काणी आफ्रो-अमेरिकी लोककाणयेंतल्यान जनावरांचें काणयेंत पावल्या.

◆ ◆ ◆

16ब. कोलो आनी कोली

एक आशिल्लो कोलो आनी एक आशिल्ली कोली. कोली कोल्याक सांगूंक लागली, तिका एक रूख दिसला. पूण ती नांव सांगूंक नकळं. तिणें रुखाकूच नांव विचारलें. रुखान आपली वळख सांगी मेरेन ती विचारीत रावली. रुखान सांगलें आपलें नांव भिरंड म्हणून. मागीर कोलयेन कोल्याक सांगलें, ''तूं रुखार चड आनी म्हाका थोडीं पिकिल्लीं भिण्णां उडय.''कोलो रुखार चडलो. रुखा वयलीं पिकिल्लीं भिण्णां काडून खावंक लागलो. भिण्णां खाता आनी बियो सकयल उडयता. कोली खूब रागार जाली. पूण कितें करतली? सकयल उडयिल्ल्यो बियो तिणें एकठांय करून घेतल्यो. कोलो सकयल देंवलो. पूण ताणें एक लेगीत पिकें भिण्ण कोलये खातीर हाडलें ना.

कोलयेक कोल्याचो खूब राग आयलो. तिणें थोडें मेण हातासलें, मागीर भिण्णांच्यो बियो आनी मेण घेवन आपणाक जाय तशें तिणें एक घर बांदलें. कोल्यानूय घर बांदलें. पूण शेणाचें. पावस आयलो. कोल्याचें शेणाचें घर व्हांवून गेलें. कोलयेचें मेणाचें घर मात तिगलें. कोलो कोलयेच्या घरा लागीं येवन आलाशिरो मागूंक लागलो. तिणें न्हयकारलें. पूण कोलो हातापांयां पडूंक लागलो. तिणें ताका ताच्या कर्तुबांची याद करून दिली. ''तुवें म्हाका पिकीं भिण्णां दी म्हळ्यार म्हजेर बियो शेंवटून मारल्यो.'' कोलो रडूंक लागलो. रावपाक इल्ली तरी सुवात दी म्हणून काकुळटेक आयलो. मागीर कोलयेन ताका भितर घेतलो आनी भायल्या सोंप्यार न्हीद म्हणून सांगलें.

कोलयेन आपल्या सोयऱ्यांक जेवण दिवपाचें थारायलें आनी सगल्या सोयऱ्यांक आपोवपाचें काम कोल्या कडेन दिलें. कोलो गेलो आनी सोयऱ्यांक सांगूंक लागलो वाटेर वाग बसला, कोण भायर सर्रूनाकात. तो म्हणूंक लागलो,

''सोयऱ्यांनो येवंनाकात

वाटेमार्गार वाग बसला''

कोलो सुवार्थी आशिल्लो. ताका कोलयेन रांदिल्लें सगलें एकट्याकूच खावपाचें आशिल्लें. म्हणून घरांत कोणच येवचो न्हय म्हणून ताणें तजवीज केल्ली. कोली पिकार जाली. कोल्याक रांदपांचेर लक्ष दवरपाक सांगून ती सोयऱ्यांक आपोवपाक भायर सरली. हेवटेन कोल्यान रांदिल्लें पुराय जेवण सोंपयलें. कोली आपल्या सोयऱ्यांधायऱ्यांक घेवन घरा येवन पळय जाल्यार पुराय रांदिल्लें सोंपोवन कोलो माळ्यार वचून न्हिदला. कोलयेच्यान संताप सोंसू नजं जालो. तिणें माळ्या सकयल लांबतले कोल्याचे शेंपडेक उजो लायलो. पुराय माळो पेटलो आनी कोलो लासून ताचो गोबोर जालो.

◆ ◆ ◆

विनोद आनी आडकथा

17. अवचिन्नपणांनी दुडू सालवार[1]

एके बायलेचें एक अवचिन्न मनशा कडेन लग्न जालें. घोव अवचिन्न पणां करपांत गुल्ल आशिल्ल्यान तिका खूब वावर करचो पडटालो. नाजाल्यार घर कशें चलोवप? ती शेतांभाटांत घोळ घोळ घोळटाली. एक दीस रोंपे लावपा खातीर ती जमीन खणटाली. तेन्ना तिका जमनींत पुरिल्लें एक पेट्रूल मेळ्ळें. पळयल्यार तें दुडवांनी भरिल्लें आशिल्लें. तें पळोवन ती खुशाल भरीत जाली. तिणें तें पेट्रूल आपल्या घरांत लिपोवन दवरलें. आतां आपणा कडेन पयशे आसात. म्हणटगीर आपल्या "अवचिन्नपणां करपी घोवाक थोडेंभोव शिक्षण घेवंदी, केन्नाय उपकारा पट्टलें. अशें येवजून ती एका मास्तराक मेळ्ळी. आपूण दुडवांची वेवस्था करतां पूण आपल्या घोवाक जितलें जमता तितलें शिकय म्हणून सांगून घरा आयली.

दुसऱ्या दिसाक तिणें आपल्या घोवाक त्या मास्तरा कडेन शिकपा खातीर धाडलो. तो मास्तरागेर आयलो. एक पांय हुंबऱ्या भितर आनी दुसरो पांय हुंबऱ्या भायर दवरून उबो रावलो. मास्तरान ताका विचारलें, "तूं आयलो?" तो मोन्यांनीच उबो रावलो. मागीर मास्तरान म्हणलें, "यो बस." शिकूंक आयिल्लो तो वचपाक लागलो. मास्तरान म्हणलें, "आरे, तूं वता?" तो घरा आयलो. पूण येतना मास्तराचीं हीं तीन उतरां मतींत घट्ट धरून आयलो. बायलेन शिक्षणाची खबर काडल्यार तो हीं तीन उतरां म्हणटालो. "तूं आयलो?" "यो बस." "आरे, तूं वता?" तो सदां सर्वकाळ हीं तीन उतरां घोंकीत आसतालो.

ते बायलेन दुडवांचें पेटूल घरांत लिपोवन दवरलां अशी एका चोराक सुलूस लागली. म्हणून एके रातीं तो तें पेटूल चोरपाक तिच्या घरा आयलो. घराचे वासरेर न्हिदिल्लो तिचो घोव मास्तराचीं तीं तीन उतरां घोंकतालो. "तूं आयलो?" चोरान हें उतर आयकलें आनी तो भियेलो. आपणाक कोणें तरी पळयलो अशें ताका दिसलें. इतले म्हणसर "यो बस" हें उतर आयलें. चोराक दिसलें तो आतां घरांतल्यांक सांपडटलो. म्हणून तो वचूंक लागलो. अवचिन्न घोवान तिसरें उतर घोंकलें, "आरे, तूं वता?" तें आयकून चोर कुल्यांक पांय लावन धांवून गेलो.

आपणाक कोणें तरी फटयलो अशें समजून चोर परत पेटूल व्हरूंक आयलो. घोवाची काळखांत घोकंपट्टी चालू आशिल्ली. चोर थंय पावतगीर काळखांतल्यान उतर आयलें, "तूं आयलो?" चोर तें आयकून कांचवेलो. फाटोफाट दुसरें उतर आयलें, "यो बस." चोराक धडकी भरली. आपणाक कोणें तरी पळयला हाची ताका खात्री पटली. मागीर तिसरें उतर कानार येवचें पयलीं चोर परत वचपाक लागलो. तेन्ना ताणें आयकलें, "आरे, तूं वता?" चोरान फुज्यो काडल्यो. मागीर जेन्ना जेन्ना तो चोर पेटूल चोरपाक आयलो तेन्ना तेन्ना अवचिन्न घोवाच्या ह्या तीन उतरांनी पेटूल राखलें.

तळटिपो :-

1- मिस गोमिशान ही काणी हाडल्या.

कसलोय गुन्यांव करपाक आयिल्लो मनीस कोणाची तरी बडबड आयकून भियेन वता आनी गुन्यांव घडना असल्यो काणयो पूर्वे कडल्या देशांनी लोकप्रीय जाल्ल्यो आसात.

एके संथाळ काणयेंत (बॉम्पस, 181-182) चार जोगी चार वाक्यां बरयतात. तीं वाक्यां राजा मोटया-मोटयान घोकता. तेन्ना थंय आयिल्ल्या राजाचे मारेकार भियेन पळतात. जातक काणयेंत (कॉवेल्स इंग्लीश ट्रांझ्लेशन, पृ. 338 आनी 373) एक संन्याशी गुरू राजाक कांय श्लोक शिकयता. थंय आयिल्लो ताचो खुनी ते श्लोक आयकून आपणाली खून करपाची येवजण राजाक पयलींच कळ्ळ्या अशें समजून पळून वता.

◆ ◆ ◆

18. घोव, बायल आनी चोर

एका गांवांत एक जोडपें रावतालें. घोव बायल दोगांय जाण काटकसर करून दीस काडटालीं आनी भोव बरीं रावतालीं. तीं जरी काटकसर करतालीं तरी लोकांक खबर आशिल्लें की, तीं गिरेस्त आसात आनी तांचे कडेन फावो तसो दुडू आसा म्हणून. एके रातीं तांच्या घरांत चोर आयले. येतगीर तांणी पयलीं तांची आरमार उगडली. तातूंतलें सगलें उस्तून पळयलें. खण सोदले. पूण कांयच मेळ्ळेंना. मागीर ते चोर दरवटया भायर येवन बसले.तांणी खूब वेळ चिंतलें. मागीर तातूंतलो एक चोर ते न्हिदिल्ले बायले कडेन गेलो. तिका उठोवपाचो यत्न केलो. तिका गाडन्हीद लागिल्ली. पूण चोरान तिका विचारलें, "पयशे खंय दवरल्यात?" तिणें न्हिदेंत आसतना जाप दिली, "रान्नी फाटल्या तव्या मुळांत लिपोवन दवरल्यात." चोर रांदचे कुडींत गेलो आनी रांदनी फाटल्या तव्या मुळांत लिपोवन दवरिल्ले पयशे तव्यांत भरून घेवन वचूंक लागलो.

इतले मजगतीं ती जागी जाली. बेगीन बेगीन तिणे आपल्या घोवाक विचारलें, "तुवें म्हाका पयशां विशीं विचारिल्लें?" तो म्हणपाक लागलो, "हांवें खंय तुका विचारलां? वच वच, कोणें विचारिल्लें तें पळय."ताणें दारा कडेन येवन पळय जाल्यार दुडू तव्यांत घालून वचपी चोर ताका दिसलो.ताणे तव्यार झोंपय मारली आनी "दी म्हजो तवो, दी म्हजो तवो" म्हणीत बोबाट मारली. तवो थंयच सांडून चोर पळून गेलो. दुडवांचो तवो घेवन तो भितर आयलो आनी न्हीदूंक गेलो. पयस पाविल्ले चोर मात झगडत रावले.

तळटिपो :-

1- ही काणी हेलन एदुआर्द लोपिश पॅरॅर हांणी पुर्तुगेजींत आयकल्ली. ती मिस द कुन्यान इंग्लीशींत अणकारली.
ही गोंयांत आयकल्ली काणी म्हणल्यार "म्हाल्याची शिट्रूक बायल" हे पंजाबी काणयेचें (स्टील, 223-224) अर्दकुटें रूप.

19. राजा आनी शिटूक प्रधान[1]

एक राजा आशिल्लो. ताचो प्रधान खूब हुशार आनी शिटूक आशिल्लो. तो राजा म्हळ्यार प्रधानाच्या हातांतलें बावलें जाल्लो. प्रधानाक विचारले बगर कांयच थारायनाशिल्लो. केन्नाय प्रधान नासत आनी राजा कडेन कसलोय प्रस्न आयलो जाल्यार आपल्या राज्याचेर मोटें संकट आयलां अशे तरेन तो विचित्र पिशांतका वरी वागतालो. खरें म्हणल्यार प्रधान खऱ्या अर्थान राजा आनी राजा मात नांवाचो- कुकमा तिळ्याक आदार कसो.

एक दीस राजा आनी प्रधान आंबे खाताले. राजाक आपल्या प्रधानाक चाळोवपाची हुकी आयली. राजा अचकीत म्हणपाक लागलो, "चल, कोण आंबे चड खाता तें पळोवया. तूं काय हांव." तांचें खावप चालूच आशिल्लें. राजा आंबो खाता आनी साली आनी काथो प्रधानान उडयिल्ले राशीर उडयता. शिटूक प्रधानाक राजाचे हे करणेचो हेतू कळ्ळो. म्हणटगीर तो आंबे खायत रावलो. कांयच उलोवंक ना.

सगळे आंबे खावन जातगीर कोणें चड आंबे खाल्ले हे विशीं प्रधानान दिल्ले जापेक लागून राजा भोव खोशी जालो. प्रधानाचे हुशारकायेचेर खूश जावन ताणें आपली राजकन्या प्रधानाक दिवन ताका आपलो जांवय करून घेतलो, आनी राज्य ताचे सुवादीन केलें. प्रधानान जाप दिली. "हांवें म्हज्या वांट्यांचे सगले आंबे खाले ही गजाल खरी पूण राजान साली आनी काथे लेगीत फस्त केले जें कोणांकूच करूंक जमना!"

तळटिपो :-

1- ही काणी धा वर्सां पिरायेच्या अर्नोल्ड रेयश क्रूझ हाणें सांगिल्ली.

ही काणी आनी ह्या संग्रहांतल्यो 24 आनी 25 क्रमांकाची काणयो अमेरिकी आवय-बापूय आपल्या भुरग्यांक एके पिळगे पयलीं सांगताले. ही काणी कोणाकूय थोमणो मारपा खातीर सांगताले. जे लोक चोरयां दुसऱ्याच्या पानार आपणें खाल्ल्या फळांच्यो साली-बियो घालतात आनी उलट ताकाच आशेकूर, हावरट म्हणटात, आपलें पान सामकें रिकामें दाखयतात तांचे खातीर ही काणी सांगतात. ''हांव तुज्या पानार म्हज्यो साली दवरतां, मात तूं तुज्यो साली खा!'' ही ताची खरी जाप.

सिंहली काणयेंत (पारकर, क्र. 2.191), मालक आनी नोकर प्रवासांत आसतात. मालक केळीं घेता आनी नोकराक साली भायर उडयता म्हणून तापयता कारण ताणें तांचे खातीर पयशे फारीक केल्यात. म्हणून नोकर मालकाक सांगता, ''तुवें त्यो साली खावंक जाय.'' मालक साली खाता म्हणसर तो आपणाक दिल्लीं केळीं खायना. जेन्ना मालक साली खाता ताचे उपरांत तो केळीं खाता.

◆ ◆ ◆

20. माणकुल्याची चोरी[1]

एक राजा आशिल्लो. तो खरो न्याय करपी म्हणून ताका लोक चड मानताले. गिरेस्तां कडल्यान गरिबांची छळणूक जाल्ली दिसल्यार तो बेजार जातालो आनी गरीबांक न्याय मेळोवन दितालो. त्या राज्यांतले एके बायलेक लग्न जावन वीस वर्सां जाल्लीं तरी भुरगेंबाळ नाशिल्लें. म्हणून ती सामकी निर्शेल्ली. ताका लागून ती पिशांतका वरी जाल्ली. कशेंय करून आपणाक भुरगें जाय म्हणून तिणें त्या राज्यांतले एके गरीब अस्तुरेगेर जाल्लें भुरगें उखल्लें आनी ती थंयच्यान ना जाली. हेवटेन भुरग्याक जल्म दिवपी आवयचेर आकांत आयलो. ती वाट मेळटा थंय वचून विचारीत रावली आपणालें भुरगें कोणें पळयलां काय म्हणून. जण एकल्याक ती आपणाल्या माणकुल्या विशीं विचारताली. पूण लोकांक खंय खबर तिचें दुख्ख? लोकांक ती पिशेपणां करता अशें दिसलें. तिका सोदून लेगीत आपलें भुरगें मेळूंक ना. मागीर निरशेवन ती घरा आयली.

वाटेर तिका एक अस्तुरी मेळ्ळी. तिणें सांगलें तिचो माणकुलो जाण्टे अस्तुरेन चोरला म्हणून. ही खबर आवयन बेगोबेग राजाक सांगची अशें तिणें ह्या भुरग्याचे आवयक सांगलें. ती धांवत-धांवत राजाच्या दरबारांत गेली आनी दिमी मारून तिणें आपली कागाळ राजाच्या कानार घाली. आनी राजा कडेन न्यायाची मागणी केली.

राजान आवयचेर आयिल्ल्या आकांताची गजाल शांततायेन आयकून घेतली. ताणें आपले शिपाय धाडून भुरग्याक चोरून व्हरपी जाणटेले अस्तुरेक आपणा मुखार उबी केली. मागीर राजान तिका जायते प्रस्न विचारले. पूण अस्तुरी

नेगार गेली. आपणा कडेन आसा तें आपलें भुरगें अशें सांगून तिणें तिचे वांगडा आयिल्ल्या खूबश्या गिरेस्त मनशांची गवाय दिली. अस्तुरेचे म्हणणें खरें आसा असो निर्वाळो त्या गवायांनी दिलो. राजा अजापलो. तो न्यायप्रीय आनी धोरणी आशिल्लो. पूण आज न्यायच अन्यायांत घुसपल्लो. संवेदनशीलताय आनी राजनीत हांचोच घात जावपाचो वेळ आयिल्लो. राजान जर योग्य न्याय दिलो ना जाल्यार खरे आवयक आपलें भुरगें मेळचेंना आनी तिका रित्या हातांनी परत वच्चें पडटलें. राजा सादूर जालो आनी ताणें खरें कितें तें ताडलें... ...

तळटिपो :-

1- धा वर्सां पिरायेच्या आर्नोल्ड रेयश क्रूझ हाणें ही काणी सांगली.

हे काणये संदर्भांत फुडल्या काणयां कडेन तुळा कच्ची शिफनर, 120-121; पार्सन्स, 348 आनी ''टेल ऑफ ध टनॅल'' हे जातक कथेंतली (546-कॉवॅल्स इंग्लीश ट्रांझ्लेशन) ग्रेट बिईंगाची पांचवी परिक्षा.

◆ ◆ ◆

21. बिस्माचे मोचे[1]

वादळी पावसाचे दीस. एक शाळेंत वचपी अर्दकुटो भिजिल्लो भुरगो मोच्यांच्या मांडार भितर सरलो. आपले पिंजके मोचे काडून ताणें मोचेकाराक दाखयले. म्हुणूंक लागलो, "म्हजे मोचे पिंजल्यात. सारके करूंक जातात जाल्यार पळय. उपकार जातले, नवे मोचे घेवपाक म्हजे लागीं पयशे नात." मोचेकारान मोचे हातांत घेवन पारखिले. मागीर ताणें म्हणलें, "तुजे पांय ह्या पिंजक्या मोच्यांतल्यान भायर सरतात. हे मोचे शिंवप कांय जमचेंना. पूण हांव तुका नवे मोचे दितां. तुजे कडेन पयशे नासल्यार कांय नजं. तूं बिस्म जातलो तेन्ना म्हाका म्हजे पयशे दी." त्या भुरग्याक अपमान दिसचो न्हय म्हणून मोचेकारान हें मस्कऱ्यांनी म्हणलें. मागीर मोचेकारान व्हडल्या मनान दिल्ले नवे मोचे घेवन तो भुरगो घरा गेलो.

खूब वर्सांनी मोचेकार म्हातारो जालो. ताच्या हातांनी काम जायना जालें. तो म्हातारपणांतले दीस सारतालो. अचकीत एक दीस सकाळींफुडें एक पाद्री मोचेकाराच्या दारार उबो. ताणें मोचेकाराक बिस्मान आपयला असो रेकाद दिलो. मोचेकार अजापलो. आपूण केन्नाच बिस्मा कडेन उतर लेगीत उलयलें ना, आनी आतां हें आपोवणें कसलें? ह्या विचारान तो मातसो वित्राग करूंक लागलो. पाद्रीन ताका समजायलो. "तुका हांव सांगात दितां आनी परतो घरा लागीं सोडटां." अशें उतर दिवन ताणें मोचेकाराक वांगडा घेवन बिस्मा मुखार व्हेलो. बिस्म म्हणल्यार उंचेल्या मानाचो धर्माचो अधिकारी. तो मुखार उबो. मोट्या मानान बिस्म मोचेकाराक सांगूंक लागलो, "इश्टा, तुजें खूब वर्सांचें व्हडलें रीण म्हजेर आसा.. .. तुका याद आसा एक शाळेंत वचपी गरीब भुरगो तुजेसरीं

आयिल्लो आनी तुवें ताची काकूट केल्ली? हांव तो भुरगो.'' अशें सांगून बिस्मान दुडवांनी भरिल्ली एक पोती त्या जाणटेल्या मोचेकाराक दिली. मागीर बिस्मान सांगलें, ''म्हाका त्या वेळार तुवें दिल्ल्या मोच्यांचें हें मोल. आतां हेर जें कितें जाय तें तूं म्हजे लागीं माग. म्हज्या हातांनी जाता तें हांव सगलें करतलों.'' मोचेकाराचें मन भरून आयलें. दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवूंक लागलीं.तेच अवस्थेंत मोचेकारान म्हणलें, ''तुवें म्हाका आज दिल्यात त्या दुडवांनी तुका हांवें दिल्ल्या मोच्यां असले शंबर पार येतले. आतां म्हजी एकूच इत्सा आसा. म्हज्यो दोन आंकवार धुवो आसात. म्हज्या मरणा उपरांत तांकां पळोवपी कोण ना.'' ''तें तूं म्हजेर सोड. फावो ती सगली काळजी हांव घेतां,'' बिस्मान सांगलें.'' तुजेर देवाचें बेंसांव पडूं.'' मोचेकारान बिस्माक परबीं दिलीं.

बिस्मान रोखडोच एक अनाथाश्रम बांदून घेतलो. मोचेकाराच्या दोनूय धुवांक थंय रावपाची वेवस्था केली. मागीर दोन बऱ्या सभावाच्या तरणाट्यां लागीं तांचें काजार करून दिलें. तांच्या घरा त्यो दोनूय धुवो राजकन्या कश्यो खूब खुशालभरीत जीण जगूंक लागल्यो. जाणटेल्या मोचेकाराची सेवा करपाक बिस्मान ताची वृद्धाश्रमांत वेवस्था केली. मरणकाळ पावलो तेन्ना तो शांततायेन मर्णा सुवादीन जालो. अशे तरेन दुसऱ्याचेर उपकार करपी मनशाक फावोशें फळ मेळटा.

तळटिपो :-

1- पंचवीस वर्सां पिरायेंच्या नॉर्मल स्कुलाच्या शिक्षकान ही काणी सांगल्या.

◆ ◆ ◆

22. पवित्र वखद

खूब वर्सां पयलीं एका गांवांत एक जोडपें रावतालें. सामकें झगडाळ. दोगांय जाणां सदां उठून एकामेकाकडेन झगडटालीं. तांच्या झगड्यांक शीममेर नाशिल्ली. घोव आपले बायलेचेर तरातरांचे आळ घालतालो. तिचो अपमान करतालो. बायलूय तोंडान फटकळ. ती परत्याक परतें दिताली. ताणें केल्ले अपमान आनी आरोप ती आपल्या घोवाचेरूच उलटायताली. दिसान दीस हें झगड्यांचें प्रमाण वाडत वतालें. एक दीस तांचें झगडें चडार पडलें. इतलो वेळ उतरांनीच झगडटालीं. आज घोवाचें पासियेंस सोंपलें. रागा सरशीं ताणें आपले बायलेक पेट घालो. ती आयकना जातगीर तिका धाडाय धाडाय धाडायली.

तांच्या शेजरा एक अस्तुरी रावताली. ती लोकांक वखद दिवन तांचे कुडीचे आनी मनाचे रोग बरी करताली. सरभोंवतणचे लोक तिका एक भोव बरी वखदळी म्हणून मानताले. घोवान धाडायिल्ली बायल ते अस्तुरे कडेन गेली आनी आपल्या घोवाच्यो कागाळी सांगूंक लागली. आपल्या घोवा बरोबरच्या झगड्यांत आपलें म्हणणें कितलें सारकें आशिल्लें तें ती ते अस्तुरेक पटोवन दिवंक लागली. आपल्या घोवाच्या सभावाक लागून ह्यो भानगडी तुमच्या शेजारा जातात अशी कागाळ तिणें ते वखदळी अस्तुरे लागीं केली.

ते जाणटे अस्तुरेन तिका समजायली. म्हणूंक लागली , "तूं म्हजे धुवे भशेन. हांव जाणां तुज्या ह्या प्रस्नावयलो उपाय. हांव सांगतां तशें तुवें केलें जाल्यार आज म्हजे कडेन तूं उपाय मागपा खातीर आयिल्ल्याचें दुख्ख तुका केन्नाच जावचें ना." ती अस्तुरी भितर गेली आनी पातळ रंगाच्या वखदान

भरिल्ली बाटली घेवन आयली. तिणें हे झगडाळ बायलेक सांगलें, "हांव हें वखद तुका दितां. ती बाटली तुवें घोवा पसून लिपोवन दवरपाची. आरमारींत दवर. घोवाक कळपाक दिवंनाका. कसलेय खबरी वयल्यान तुमचें तोंडाक तोंड लागता, आनी झगडें जातलें अशें दिसता, तेन्ना तूं भितरलीं वच.आरमार उगड आनी तुज्या घोवाक कळनासतना बाटलेंतलें कुलेरभर वखद तोंडांत घे. गिळूं नाका. बाटली परत लिपोवन दवर आनी तुज्या वावराक लाग. तुजो घोव जितलो उलयता तितलो उलोवंदी. जेन्ना तो शांत जातलो, उलोवपाचो थांबतलो, तेन्ना तोंडांतलें वखद पियेवन सोड. तुका बरें दिसतलें. कारण हें पवित्र वखद हांव तुका दितां."

तें वखद घेवन ती घरा गेली आनी वखदळी अस्तुरेन सांगिल्लें तशें ज्युस्ताज्युस्त केलें. त्या पवित्र वखदाचो भोव बरो परिणाम रोखडोच दिसूंक लागलो. अस्तुरेन दिल्ली वखदा बाटली सोंपली. मागीर ती बाटली भरून हाडपा खातीर अस्तुरे लागीं आयली. अस्तुरे कडेन वखद मागूंक लागली. तिणें दिल्ल्या वखदान भोव बरो गूण पडला म्हणून ती बायल ते अस्तुरेक दिनवासली. आपल्या घोवान आपणा कडेन झगडपाचें सोडलां. तो, आतां आपणा कडेन वाद घालिना. जेन्ना सावन आपूण तें वखद तोंडांत घेतां तेन्ना सावन आपल्या घराब्यांत जादू जाला अशें तिणें जाणटेलेक सांगलें.

आपले शेजाऱ्नीचें दिनवासप आनी कळवळे पळोवन ते वखदळी अस्तुरेक तिची काकूट दिसली. आपणें दिल्लें वखद म्हळ्यार आपली कम्माय फळादिक जाली म्हणून ती खोशी जाली. मागीर तिणें परत वखद मागपाक आयिल्ले बायलेक सांगलें, "धुवे, म्हजेर विस्वास दवर. तुका चडावत वखदाची गरज ना. तुका हांवें दिल्लें तें वखद म्हळ्यार रंगीत उदक आशिल्लें. आतां तुकां कळ्ळां आसतलें, घोवान वाद घालपाक आरंब केलो जाल्यार तुवें ताचेर अजिबात लक्ष दिवपाचें ना. ताणें शंबर आळ घालूं, तुजें पासियेंस जिखतलें. निमाणें उतर सांगता तो जिखता अशें समजप म्हणल्यार मूर्खपण आनी चूक. शांत रावप होच ताचेर निमाणो उपाय. तुज्या अणभवानूच तुका कशें पासियेंस काडचें तें शिकयलां. म्हणटगीर आतां तुमच्या घराब्यांत सगलें बरे भशेन चलतलें. घराबो सुखी जातलो. वच आनी तुजे दीस खोसयेन सार."

ती घरा गेली आनी ते अस्तुरेन सांगिल्ले प्रमाणें तीं घोव-बायल शांतिकायेन रावपाक लागलीं. मागीर तांकां भुरगीं जालीं आनी सगलीं जाणां सुखाक पावलीं.

◆◆◆

23. दरजी आनी भूत[1]

एकदां एका दरज्याक भूत मेळ्ळें. दरज्याक दरेक कपडो शिंवपाक खूब वेळ लागता अशें त्या भुताचें म्हणणें. दरज्यान सांगलें हातांनी कपडे शिंवप कठीण आसता. भूत ताचे कडेन पैज मारपाक लागलें. आपूण दरज्या परसूय बेगीन लुगट शिंवून दाखयतां म्हणूंक लागलें. दरज्यान एक लुगट भुताच्या हातांत दिलें आनी ताका सूय आनी सुतागाडी दिली. तेदेंच लुगट आपणें घेतलें आनी सूय-सूत घेतलें. दोगांय जाणांनी लुगट शिंवपाक आरंब केलो.

दरज्यान सुयेक दोरो घालो. आपणाले संवकळी प्रमाण ताणें सुमार एकुणीस इंच लांबायेचो दोरो (सूत) सुयेक घालो आनी तो लुगट शिंवपाक लागलो. हेवटेन भुतान सुयेक सूत घालें आनी तें तोंक धरून सूत ओडीत रावलें. सुताचे गाडयेचें सूत सोंपून सोंपना. हेवटेन दरज्यान लुगट शिंवून सोंपयलें आनी भुताक आपणें हारयलें म्हणून ताळयो मारून ताणें खोस परगटायली. तेवटेन भूत गाडयेचें सूत सुयेंतल्यान ओडीत रावलें.

कोणूय आळशी मनीस जेन्ना खंयच्याय वावराक लागपाचो वेळ वांचोवपा खातीर नाडपेन्नां करून चड वेळ खर्चिता तेन्ना ही काणी सांगपाची. सुरवातीक सावन काम वेवस्थीत केल्यार थरिल्ल्या वेळा भितर वावर सोंपता.

तळटिपो :-

अमेरिकेंत ही काणी वेगळे पद्‌दतीन सांगतात. दरज्याचे चलयेन आपल्या मोग्या खातीर सुयेंत दोर घालून दिलो. जो मनीस पयलीं कोट शिंवून दितलो ताका तिचेकडेन लग्न जावपाक मेळपाचें. ज्या मनशाचो ती मोग करताली, ताका तिणें ल्हान दोरो (फावो तितलो) दिलो आनी हेरांक लांब दोरो दिलो.

24. दरज्याची काणी; जिका अखेर ना[1]

एका गांवांत एक दरजी आशिल्लो. ताच्या गांवाचे रिती प्रमाण तो सुयेक एक लांबेलें सूत घालून आपल्या हाताचेर लांबयतालो. ताच्या मणगटा वयल्यान सूय-सूत लांबयत तो वतालो तेन्ना तो एके बांयंत ओणव घालून पळोवंक लागलो. आनी ठप्प! एक आवाज जालो. सूय बांयंत पडली. "आं." "आं म्हणल्यार सूय मेळटली?" "हें बरें मरे तुजें!" " हें बरें मरे? जाल्यार मागीर सोद मरे म्हजी शेणिल्ली सूय!"

आयकतलीं भुरगीं जे मेरेन हांसत रावतलीं, ते मेरेन हीं उतरां घोळोवन घोळोवन सांगपाचीं.त्या भुरग्यां खातीर तो एक मौजेचो खेळ.

तळटिपो :-

1- ही बालकथा संवसारभर सांगतात. चडकरून दरजीच ही काणी सांगतात. ही काणी आनी हेर काणयो मिस गोमिश हांणी पुर्तुगेजींत बरयल्यो.

गोंयांत कोणूय काणी सांगूंक लागलो म्हणटगीर थंय आयकतल्यान "ऊं" अशें म्हणपाची गीत आस्सा. ताका लागून काणी आयकतलो मनीस लक्ष दिवन आयकता आनी ती ताणें पुराय मतींत घेतल्या हें काणी सांगतल्याक आपसुकूच कळटा. गोंयांत जाणटे काणी सांगपी आस्सात. ते काणी सांगतना आयकतल्यान दरेका घटा उपरांत "ऊं" म्हणूंक जाय. ना जाल्यार ताका काणी आयकुपाची उमळशीक ना अशें सांगपी मानता आनी काणी थांबयतलों म्हणून धमकायता. अशे तरेन काणी सांगप जाता.

25. भाव, भयण आनी वाग[1]

एका अटंग्या रानांत एक भाव आनी भयण रावतालीं. तीं ल्हान आसतना तांच्या आवय-बापायन तांकां रानांत हाडून सोडिल्लीं. तेन्ना सावन तीं दोगांय त्या अटंग्या रानांत दीस काडटालीं. भावाची पिराय आशिल्ली सोळा वर्सां आनी भयणीची तेरा वर्सां. रानांतलीं पाळां, मुळां, फुलां, फळां, भाजीपालो खावन तीं पोट भरतालीं. एक दीस भावाक दिसलें, तांकां दोगांकूय फावो तितलें खावपाक मेळना. तांचीं पोटां भरनात. म्हणटगीर ताणें आपले भयणीक सांगलें, ''म्हजे अपुरबायेचे भयणी, आमकां हांगा पोटभर खावंक मेळना. ताका लागून हांव शेजारच्या गांवांत वचून कितेंय कामधंदो करतां. दुडू जोडटां आनी आमकां दोगांकूय पोटभर खावपा-पियेवपा सारकें वांगडा घेवन येतां. पूण एक काम कर. हांव परतून ये म्हणसर कोणाकूच दार उगडूं नाका.'' इतलें सांगून तो भायर सरलो. वतना घरा मुखार आशिल्ल्या आंब्या रुखाक ताणें आपले भयणीचेर लक्ष दवरपाक सांगलें. आपूण घरा नासतना कोणाकूच घरांत भितर सरपाक दिवंनाका अशें ताणें आंब्याच्या रुखाक विनयलें.

भाव आंब्या कडेन उलयतालो तें थंय लिपून राविल्ल्या वागान आयकलें. तो वाग आठ दिसांनी भयणीच्या दारांत आयलो आनी उलो मारपाक लागलो. आपूण तिचो भाव आयलां म्हणून दार उगडूंक सांगूंक लागलो. आंब्याचो रूख तें पळयतालो. ताणें भयणीक सांगलें, ''तो तुजो भाव न्हय गो बाय, तो वाग.'' भयणीन दार उगडलें ना. वाग पिकार जालो. आंब्याचेर रागार जालो. ताणें आंब्या रुखाच्यो ताळयो मोडून उडयल्यो आनी लागलो चलूंक. परतून वाग आयलो

आनी भावा खातीर दार उगड म्हणून भयणीक सांगूंक लागलो. आंब्यान भयणीक वाग फटोवंक सोदता म्हणून तिका सादूर केली. वाग सामको तिडकलो. रागा सरशीं ताणें आंब्याच्या रुखाक उजो घालो आनी ताचो गोबर केलो. इतल्यान ताचो राग निवळ्ळोना. उरफाटो, चडत रावलो. वागाचो राग चडटांचडटां वाग फुगत गेलो आनी निमाणे 'फोट्ट' करून फुटलो आनी मेलो.

कांय दिसांनी भाव दुडू जोडून सामान घेवन घरा आयलो. दारांतलो आंबो लासून गोबर जाल्लो आनी वाग मरून पडिल्लो पळोवन भाव दुयेंत पडलो. ताणें आठ दीस हांतुणार न्हिदून काडले. मागीर तो बरो जातगीर भाव-भयण सुखान रावलीं.

तळटिपो :-

1- ही काणी आर्नोल्ड रेयश क्रूझ ह्या धा वर्सां पिरायेच्या भुरग्यांन सांगली. ती मिस द कुन्य हांणी इंलीशींत अणकारली.

ही काणी निश्चीतपणान पूर्वे कडली. ह्या संग्रहांतली धावी काणी "गिदान पोशिल्लो भुरगो" पळयात. एके सिंहली काणयेंत (पारकर, क्र. 1, 120-128) दोन बकीं आवय-बापूय बेपत्ता जाल्ले चलयेक पोसूंक घेतात. ती चली फळां पुंजावपाक गेल्ली थंय तिका बकीं मेळटात. बकीं तिचे खातीर तन्निफो हाडपाक वतात तेन्ना राक्षस येतात. चलयेक पोपट, सुणो, माजर आनी रूख शिटकायतात. राकेस रूख लासून गोबर करतात. तो गोबर न्हंयेच्या उदकांत शेंवटितात. पूण ती चली दार उगडिना. मागीर ते राकेस पुराय न्हंयूच पियेपाचो यत्न करतात आनी पोट फुटून मरतात.

अमेरिकी-आफ्रिकी रुपांतले काणयेंत "वाग" हो हे काणयेंतल्या वागा भशेन मनशाक खावंक आशेल्लो आसता. जामायका अमेरिकन फोकलोर सोसायटीचें मेमोआर्स भाग 17 मदली "टायगर सोफन्स हिज वॉयॅस" ही काणी आनी 278 पाना वयलें टिपण वाचात.

युरोपियी काणयेची रचना पळोवपा खातीर थॉम्सन टायप्स, 310; ग्रीम 5, "ध वुल्फ अँड किड्स" 50, "रापुंझेल;" आनी पेंटामेरोन, पयली काणी, दुसरो दीस; सातवी काणी, दुसरो दीस पळयात.

◆ ◆ ◆

आख्यायिका

26. रायतळ्याची काणी[1]

कसलेंय बांदकाम करतले जाल्यार थंय रगताचो मान करपाची रीत पयलीं सावन आसा. रगताचो मान करप म्हणल्यार ते सुवातेचेर प्राण्याचें वा मनशाचें रगत ओंपप. म्हणल्यारूच थंय बळी दिवप. ताका लागून तें बांदकाम बरें घटमूट जाता आनी बांदकामांत आडमेळीं येनात असो समज आसा. तांतूतले तातूंत मनशाच्या रगतान बांदकामाक सगल्यां परस चड घटाय येता अशें मानपाची रीत आशिल्ली.

सैमीक कारणांक लागून जेन्ना कांय व्हडलीं कामां कोसळून आडमेळीं येवपाक लागलीं तेन्ना धर्मकोल्ली लोकांनी थारायलें, त्या बांदकामांक घटाय मेळपा खातीर थंय रगत ओंपपाक जाय. ग्रीस देशांत पुर्विल्ल्या काळार समुद्रांत आकांताचें वादळ आयिल्लें तेन्ना सारकी ही थोडीशी गत म्हणूंक जाता.

कांय वर्सां पयलीं लोकांक रायतळ्याचो बांद बांदपाचो आशिल्लो. रायतळें म्हणल्यार ''रायालें- राजाचें तळें.'' लोक दीसभर तळ्याचो बांद बांदताले. पूण राती कडेन पुराय बांद कोसळटालो. ताका लागून लोकांनी केल्लो वावर उदकांत वतालो. दिसान बांदिल्लो बांद रातीन कोसळप, अशें सदांच जावपा लागतगीर गांवचे लोक निरशेले. तांणी बसका घेतली. थारायलें, भारा कडेन विचारपाचें भारा कडेन विचारलें तेन्ना ताणें गांवांतली सगल्यांत सोबीत आंकवार चली त्या तळ्याच्या देवाक ओंपपाक जाय अशें सांगलें.

त्या दिसांनी गांवांतले एके सुंदर आंकवार चलयेचें लग्न जाल्लें. पूण ती पिरायेन ल्हान आशिल्ल्यान आपल्या आवय-बापाय कडेन रावताली. दिसपाक

भोव सुंदर. गांवचे रितीप्रमाणें एक दीस ती सोबीत भेस करून आंगार भांगरांशिंगरां घालून आपल्या घोवाक मेळपाक ते वटेन वताली. ती रायतळ्याचे वाटेन चलतना कांय जाणांनी तिच्या तोंडाक गुड्डो मारलो आनी तिका तळ्या कडेन ओडून व्हेली. तिची गोमटी कातरली, रगत त्या बांदकामाचेर व्हांवयलें आनी तिका त्या तळ्यांत पुरली. त्या दिसा सावन बांद कोसळपाचो थांबलो. बांद पूर्ण जालो आनी ताका फावो तशी घटाय मेळूंक पावली.

शिरंगारिल्ली व्हंकल बेपत्ता जाल्ल्याची खबर गांवभर जाली. आवय-बापायन, घोवान आनी सगल्या सोयऱ्यांनी तिका सगले कडेन सोदली.तरी ती मेळ्ळी ना. पूण लोक सांगूंक लागले, तळ्या कडेन आशिल्ल्या व्हडल्या खडपा लागीं चान्न्या रातीं एक शिरंगारिल्ली व्हंकल दिसता.कोणेंय अस्तुरेक लग्नसुवाळ्यांत वांटेकार जावपा खातीर भांगरांशिंगरांची गरज आसल्यार ते अस्तुरेक ती रायतळ्या वयली व्हंकल आपल्यो वस्ती दिता अशें कांय लोक सांगूंक लागले. गरजेवंत अस्तुरेन पयले राती कडेन फुलांनी भरिल्ली दाली तळ्या देगेर दवरपाची. दुसरे सकाळीं तें दालयेंत भांगरांशिंगरां दवरिल्लीं आसतालीं. तीं आपणें आंगभर घालून सुवाळ्यांत वांटेकार जावपाचें. उपरांत तीं भांगरां हाडून दालयेंत घालून पयलींचे सुवातेर ती दाली दवरपाची. अशें खूब वर्सां मेरेन चल्लें. एक दीस एके अस्तुरेन तिचीं भांगरांशिंगरां व्हेलीं आनी परत दितना कांय वस्ती आपणाक दवरल्यो. तेन्ना सावन रायतळ्यांतली ती व्हंकल आपणालीं भांगरां उश्णीं दिवपाक केन्नाच आयली ना.

तळटिपो :-

1- नॉर्माल स्कुलाची अठरा वर्सांची शिक्षिका आनी सत्तर वर्सांचे बायलेन ही काणी सांगली.

बॉम्पासान अणकारिल्ल्या संथाळ काणयां मदीं नव्या तळ्याचें उदक वाडचें म्हणून मनशाक बळी दिवपाच्यो कितल्योश्योच घडणुको आसात. एके काणयेंत (बॉम्पास, 102-104) एक जोगी एकले-एकसुरे भयणीक बळी दिवपाक सांगता. ती खूब सोबीत कपडे घालता, भांगरां-शिंगरां चडयता, नव्या पांटल्यांत तांदूळ भरून घेता, आनी उदकाची कळसुली घेता. मागीर गावंक लागता तेन्ना तळ्यांत उदक भरूंक लागता. बॉम्पास, 44-45, 230-232, 283-284, 389-390, 479 हेवय संदर्भ तपासचे. डे, (130) हाचे काणयेंत एक मनीस नवी तळी पळयतगीर भियेवन गुळी जाता. ताका दिसता ते तळयेंत ताका बळी दिवपाक हाडला. ताका तुजी पोरणी मुस्ताकी काड आनी नवी घाल म्हणून सांगतात तेन्ना तो हिसबा भायर भियेता.

◆◆◆

27. बेनानकीचें खडप

खंयच्याय पयस मेरेन पातळिल्ल्या मळार मर्दीच खडपां उबीं आसल्यार त्या फातरा विशीं तरेकवार काणयो पातळतात.

एका रस्त्या कडेन एक खडप आशिल्लें. त्या खडपाचेर भारतीय भाशेंतलीं व्हड आकाराचीं अक्षरां कोरांतिल्ली आशिल्लीं. त्या खडपा शेजारा दुसरें एक खडप अशिल्लें. ताचेर कसलीय वस्तू आदळ्ळ्यार तातूंतल्यान भांगरा घांटींचो नाद व्हडाव्हडान आयकूंक येतालो. त्या घंटानाद करपी खडपांत अमुल्य असो पोटलो आसा. जेन्ना कोणूय त्या पयलींच्या खडपा वयलें पुराय वाचून अर्थ लायतलो तेन्ना हें घंटानाद करपी खडप आपसुकूच उक्तें जातलें. पूण जेन्ना कोणूय त्या खडपा वयलें बरप वाचीत अर्दार पावतालो तेन्ना हें खडप भांगराच्या घांटींचो व्हडाव्हडान नाद करून ताका मुखा वयलें वाचपाक दिना आशिल्लें.

त्या नाद करपी खडपाचेर मनशाचीं बोटां लागिल्ल्याच्यो कुरवो आशिल्ल्यो.तेंच बाराबर तिग्व्याचे खरवतीन खूब वर्सां तें खडप चिरलां अशें दिसपी तांबश्यो खुणो दिसताल्यो.

कांय लोक सांगताले- जेजू क्रिस्ताक ह्याच खडपार खुरसाचेर मारिल्लो. तांचे भोंवतणीं कुंवऱ्यांनी नाच केल्लो. तेन्ना तांच्या पांयांचीं बोटां त्या खडपार उदेल्यांत. जेन्ना शिपायांनी जेजूक त्या खडपाचेर उमथो करून आपटिलो तेन्ना ताच्या हड्ड्याचें रगत त्या खडपाक लागलें. त्या खडपाचेर धोंपराच्या आनी पावलांच्या आकाराचे बुराक आसात. ते खंय जेजून खांदार घेतिलो खुरीस घेवन

दिमी मारली तेन्ना ताच्या धोंपरांच्या आनी पावलांच्यो खुणो त्या खडपार उदेल्यो.

त्या गांवा शेजरा एक सुवात आसा. थंय सायबीण मांय भात कांडपाक येताली अशें सांगतात. तिणें कांडपाक हाडिल्ल्या भाताचो कांय वाटो थंयच्या चरांत सांडलो. एके फावटीं सायबीण मांय थंयच्या फातराक आपटली. तिका दुखलें म्हणून तिणें व्हडल्यान किळांच मारली. ती किळांच वयर-वयर-वयर मळबांत गेली.

तेन्ना सावन लोकांनी ते सुवातेर वचपाचें सोडलें. थंय फातराक आशिल्ल्यो कुरवो पळोवपाचें सोडलें. थोड्यांनी तिरायताचे नदरेन सोडलें. पूण चडशा लोकांनी सायबीण मांय विशींच्या भावार्थाक लागून ती सुवात सोडून दिली.

◆ ◆ ◆

28. शिमेचो वाद[1]

जुवारी न्हंयेंतल्यान तुमी लाँचीन वा व्हड्यान रासय काडून फुडें पावतगीर न्हंयेचे उजवे देगेक पंचवाडी गांव लागता. थंय पावतां पावतां तुमकां एक पडींग दोंगर दिसता. सामको उक्तो दोंगर. झाडांझोंपां नात. पानां-फुलां, पालो लेगीत ना. सामको नागडो दोंगर. सरभोंवतणीं मात पुरायेन पाचवेंचार दिसता. तेन्ना तो बोंडको दोंगर चड नदरेंत भरता. लोक म्हणटात- ती देवान दिल्ली ख्यास्त. कपट केल्ल्याचें पाप धुवन काडपाक म्हणून त्या दोंगराक ख्यास्त फावो जाल्या. ह्याच दोंगरार तें कपटी कर्तूब घडिल्लें.

म्हज्या भुरगेपणांत हांव ते न्हंयेंतल्यान वतालें. वांगडा आशिल्ली एक जाणटी आया. तिणें म्हाका पंचवाडी पावतगीर ही सुवात दाखयली. थंयचो बोंडको, सुक्या सड्यावरी तो दोंगर दाखोवन तिणें म्हाका एक काणी सांगली. ती काणी अशी :

खूब वर्सां पयलीं माकाझान वाठाराक लागून चांदरकार आनी कुडटरकारां भितर वाद उपरासलो. दोगूय तो वाठार आपल्या गांवांत आसपावता अशें म्हणूंक लागले. हो धनीपणाचो वाद कसो सुटावो करचो हो प्रस्न सगळ्यां मुखार आशिल्लो. कुडटरकारांतले कांय जाण मुखार आयले आनी तांणी देवाच्या न्यायान हो प्रस्न सोडोवचो अशें सुचयलें. देवाचो न्याय कसो करतले? तांणी फटींगपणाची येवजण केल्ली. ते प्रमाणे तांणी सुचयलें- सगल्यांनी मेकळ्या गनांत जमपाचें आनी उक्ताडार देवाक प्रस्न विचारपाचो. तेन्ना देव कितें ती जाप दितलो. ती आमी सगल्यांनी मानून घेवपाची. हे येवजणेक चांदरकारांनी

मान्यताय दिली. माकाझानाचे शिमेर न्हंये पलतडीन पंचवाडी गांव आसा. थंयच्या दोंगरार सगल्यांनी जमपाचें थरलें.

थारायिल्ल्या दिसा दोनूय गांवचे लोक पंचवाडेच्या दोंगरार जमले. मागीर देवाक प्रस्न विचारलो, "माकाझानाचे धनी कोण?" फाटोफाट जमनी भितरल्यान उतरां आयलीं, "पुराय माकाझान कुडटरकारांचें!" देवाचें उतर मेळिल्ल्यान शिमेचो वाद सोंपिल्लो. चांदरकार मनांतल्यान चुरचुरले, खंतावले. सामके दुखावले. तो भयंकर असो दैवी आवाज खंयच्यान आयलो हाचो सादो अदमास करिनासतना, सोद घेनासतना, खालते मानेन चांदरकार गांवांत आयले. कारण कितेंय सांगपाक तांकां तोंडूच उरूंक ना.

पूण मागीर कांय तेंपान चांदरकारांक कुडटरकारांनी आपणाक कपट करून फटयलें म्हणून कळ्ळें. कुडटरकारांनी दोंगराक घोल केली. लोक जमचे आदीं ते घोलींत एका मनशाक बसयलो. आनी ताका तीं 'देवाचीं उतरां' परत परत सांगपाक सांगलीं.

पूण हे फटोवपाचे युक्तिक ख्यास्त आशिल्लीच. लोकांची सभा सोंपतगीर कुड्टरकारांनी ती घोल उकती केली ते घोलींतल्यान मनशां वांट्याचे किड्यांचे चोंबे भायर सरले, अशें सांगतात. ह्या कपटाचें प्रायश्चित्त म्हण तो दोंगोर आज मेरेन बोडको जावन बसला.

आमची रोझा नांवाची एक वावराडी आशिल्ली. ती पंचवाडी वाठारांतली. तिणें म्हाका ही काणी सांगिल्ली. पूण आज रोझा ह्या संसारांत ना.

तळटिपो :-

1- ही पारंपारीक आख्यायिका एर्मिलींदा दुश स्तुआर्त गोमिश हिणें सांगिल्ली. ती मूळ पुर्तुगेजींतल्यान जॉन फेल्पस हांणी 3 जानेवारी 1928 ह्या दिसा इंग्लीशींत अणकारली.

पंचतंत्रातली (रायडर्स ट्रान्सलेशन) (1899 ची बरपावळ) पृ. 186-190) काणी- "रायट मायंड अँड रॉंग मायंड" तेच प्रमाण "वायज अँड वायजेस्ट" (कुटवणीज जातक, इंग्लीश आवृत्ती, 1895, 1: 239-240) पळोवची.

◆ ◆ ◆

काणयांच्या प्रकारांचें विश्लेशण[1]

1. बकावली फूल (550)

1. राजाक दृश्टी परतून मेळची म्हण तीन भावांनी घेतिल्लो सोद.
2. दोन भाव जुगाऱ्यांच्या हातांत सांपडटात, धाकलो भाव तांकां सोडयता (303 III डी).
3. धाकलो भाव सोद घेवपाक यश मेळयता: तीन दैत्यांचो आदार मेळटा, ताका जादवाची मुदी दितात. हुंदराची मदत मेळटा. थंय न्हिदिल्ले राजकुंवरेक तो आपणाली मुदी दवरता.
4. कपटी भाव ताका पेट घालतात आनी ताचे कडलें फूल काडून घेतात. तो जादवा वरवीं म्हाल बांदता आनी आपल्या दोगांय भावांचे दोश उकताडार हाडटा.
5. बागेंतली राजकन्या ताचे कडेनलग्न जाता.

2. पिकेन जुवांव (550)

1. राजाची बाग रातीकडेन माडोवन उडयतात. राजाचे तीन पूत; धाकलो पूत म्हणून खबर नासता, बाग कोण माडयता तें सोदून काडपाचो यत्न करतात.
2. दोगूय व्हडले भाव ह्या प्रयत्नां मर्दी न्हिदून पडटात. धाकलो जैतवंत जाता: तो आपणालें बोट कापून ताचेर मिरयां चोळटा; रातयां बाग इबाडपी तीन घोड्यांक जीवदान दिवन तो तांकां आपले इश्ट करता.
3. तो आपल्या दोन भावांक जादूकरणा पसून वांचयता.

4. भावांनी सांगिल्ली चाकरी करता. पूण तीन सलग दीस तो वेगवेगळ्या घोड्यांचेर बसून राजकुंवरीच्या जनेला सरीं वचून बॉल उडयता आनी थंयच्यान पळून वता, कोणाक वळख दाखयना (530); घरा येवपाच्या समुद्रप्रवासांत ताका दोगूय भाव जितो मारतात, पूण राजकन्या ताका जिती करता (303 III).

